वर्णमुद्रा

इ–नेमाळें
(मुद्रित प्रत,
फकत खासगी वितरणाखातीर)

वर्णमुद्रा अंक तिसरो / जानेवारी–फेब्रुवारी– मार्च 2025

देणगी मोल : रु. 150/– (मुद्रित प्रतीखातीर)

संपादक : शैलेंद्र मेहता

अनुक्रमणिका

। भायलें चित्र ।

हर्षदा केरकार सोनक

। भितरलीं रेखाचित्रां ।

शैलेंद्र मेहता, माधव बोरकार

। सुर्वेचीं कांय उतरां ।

एका पाखान मोर : माधव बोरकार

। कविता (पावलां आनी नाद)।

राजय पवार, नूतन साखरदांडे, विल्सन कटील, अन्वेषा सिंगबाळ, उर्जिता भोबे

। स्मरणसुक्त ।

प्रोफेसोर आर्मांद : नारायण बोरकार

। कला, चित्रां, रेखाचित्रां, छायाचित्रां ।

कला ही फॅशन न्हय! : हर्षदा केरकार सोनक

– एल आल्तावोज

। कथा ।

डिलीट : वसंत भगवंत सावंत

बोक्रो : प्रसन्न निड्डोडी

। भावपणाचो सोद ।

यादी आनी अस्मितायेचो नकासो : ॲनी एर्नोचें परिवर्तनात्मक साहित्य : शैलेंद्र मेहता

। लेख/ ललित लेख/ टिपण/ मुलाखत ।

कवितेची कुळकथा : माधव बोरकार

लीळा चरित्र– कोंकणी भाशेच्या संदर्भांत : प्रा. प्रकाश वजरीकार

पोयेट्री थेरपी : मेल्विन रॉड्रिग्स

डिजिटल कोंकणी आनी फुडार : वल्ली क्राड्रस

। गंभीर वा मजेशीर ।

'ममता का बोझ उठाया नही जाएगा' : दासू भगत

मूर्ती आनी शिल्पां : कामिल पारखे

काणीकणी – तारवटी : दादा हेगडे

। निर्मिती आनी वितरण साहाय्य ।

भाग्यश्री बनहट्टी, दिनेश मणेरकार

सुर्वेचीं कांय उतरां

वर्णमुद्राचो हो तिसरो अंक.

हे घडयेक संपादक ह्या नात्यान म्हजीं सुर्वेचीं कांय उतरां बरवचे परस ज्येष्ठ कवी माधव बोरकार हाणीं बरयिल्लो एक विचार म्हाका हे सुवातेर नोंद करीन दिसता.

– शैलेंद्र मेहता
संपादक

एका पाखान मोर...

– माधव बोरकार

पाब्लो कासाल हो संवसारांतलो एक व्हडलो चेलो वादक. तो णव्वदाव्या वारसदार रियाज करतालो. 'आजूय हे पिरायेचेर तूं कित्याक हो रियाज करता?' असो प्रस्न ताच्या एका ईश्टान ताका विचारलो. Because I think I am making some progress, अशी जाप ताणें दिली. ही जाप वाचून म्हज्या दोळ्यांमुखार उस्ताद अहमद जण तिरखवाँ आयलो. सामके सरते पिरायेर ताणें एक फावट तीन ताल वाजयलो. तो आयकून ताच्या कांय रसिकांनी ताची तुस्त केली. ताचेर, 'आतां आतांच म्हाका हो ताल समजूंक लागला,' अशें ताणें म्हळ्ळें. हाका म्हण्टात खरी साधना. बाकीबाबान आपल्याक कविता आयली अशें केन्नाच म्हळ्ळेंना. येहुदी मेन्यूहीन आपले कलेचे जीणेक unfinished journey अशें म्हण्टा तें अर्थपूर्ण आसा. कलेचो प्रवास खण्ड चालू आसता. देखून तिची एकसारकीं वाड जायत आसता.

कासालाचीं उतरां लक्षांत दवरल्यार आमी एका पाखान मोर जावंक पावचेनात.

राजय पवार



दुकां

दूक –१
तरी बरें ताका
कला जमूंक ना
दुकांतलें मीठ वेगळें काडपाची!
ना जाल्यार तो
म्हज्याच दुकांतलें मीठ काडून
म्हज्याच घायार चोळपाचो!

दूक –२
एके रातींत भरूंक ना हो दर्या
…अनंत काळासावन
मनीस जात रडत आयल्या

दूक –३
दुकां
हॅरिडिटरी असतात काय?
थोडयो पिळग्यो
एकसारक्यो
रडत आसतात, रडत उरतात.

दूक –४
थोडे आसतात दुकांचे जादूगार !
ते जाय तेन्ना
जाय तितलीं, जाय तसलीं
दुकां काडून दाखयतात
दोळ्यांतल्यान!!

मडीं

मडीं–१
जिवीं मडीं पेट घेनात
देखून तांकां लाशिनात

मडीं–२
गरजे वेळार
दर्शन दिनाशिल्ले लेगीत
'निमणें दर्शन' घेवंक
मुजरत येतात!

मडीं –३
मड्याची वळख
खूप गरजेची
तें 'लासप' काय 'पुरप'
हें ताचेरुच थारता.

मडीं –४
मरणा दिसा
एकलोच सुखांत आसता
…जो मेला तो!

मडीं –५
मनशाचें मडें लासपाक
झाडाचें मडें लागता
♦♦

नूतन साखरदांडे

फातर

एखाद्रो मनीस
जेन्ना वागता कठोर
तेन्ना आमी म्हण्टात
फातरा काळजाचो

पूण फातरा,
तुकां हांवें पळयला
रडटना,
हांसतना,
उलयतना,
गायतना,

कोणूय गळ्यांत तुकां बांदून
न्हंयेंत उडी मारता
तेन्ना हांवें तुकां पळयला रडटना

नवे वास्तूचें उक्तावण जातना
हांवें तुकां पळयला हांसतना

व्हड व्हड इतिहासीक इमारती
बांदता आसतना
पळयला तुकां मजुरांकडेन उलयतना

संगीताचे मैफलींत
तानपुऱ्या सांगाताक
हांवें तुकां पळयला गायतना

अशें आसतना
कोणूच कसो विचार करीना
मनशाक फातरा काळजाचो म्हण्टना
♦♦

आनी फॅन घुंवपाचो थामलो

फाटलीं वीस वर्सां
तूं आसा एकाच जाग्यार
बरगेल्ल्या दोळ्यांनी
तुजे तकलेर
गर्र गर्र करून घुंवतल्या
त्या जीर्ण फॅनाक पळयत

आसूं पावस आसूं गीम
तुकां फॅन जायच पडटा
तुजे जिणेचो आदार कसो

हांव दर दिसा
झिळमिळट्या उजवाडांत
पयलीं फॅनाक पळयतां
तो घुंवता.
म्हण्टकच
तुजो स्वास चलता
हाची खात्री जाता

पैरचीच गजाल
अवचित
धूमशेणां काडीत
विद्वाटो वारो
अच्छेव आयिल्ल्यावरी आयलो
आनी वादळ जावन
सगळें मोडून तोडून गेलो

त्या बोवाळांत लायट गेली
ती दोन दिस आयलीचना.
इन्व्हर्टरार चलपी फॅन
गुं गुं करीत कांय वेळान बंद पडलो

हांवें तुजे छातयेक
म्हजो कान लायलो
दोळे उक्तेच आशिल्ले
पूण काळजाचो फॅन
बंद पडिल्लो सांसणाखातीर

♦♦

जिविताचे फांशे

जिविताचे फांशे
पडटात कशाय कशे
केन्ना अशे
केन्ना तशे

जीवित आयलां सरत
वचचें आसा परत
तरीय हांव धडपडटां
खेळ नव्यान मांडत

आतां उरूंक ना वेळ
सोंपत आयला खेळ
एकूच निमणो फांसो
पडटलो काय जाय तसो ?

♦♦

वळख

हालींसरा हांव म्हज्या गांवांत
पावल दवरतां तेन्ना
दिसता हडकुचें
मनशांनी न्हय
तर झाडा पेडांनी
पानां फुलांनी

आनी हांसून उलोवचीं
दोन उतरां

पूण आयज विपरितुच घडलें
हांवें माड्डील्ले म्हजेच वाटेन
म्हाका वळख दाखयली ना
इतलेंच न्हय
देवळा मुखावयलो पिंपळुय
पिश्याचें सवंग घेवन
एक्कुय पान हालयनासतना
ओग्गी रावलो

वाटेवयल्या गोरवांक हांव
कशें शिणू?
तांकांय म्हूण तांचीं दुख्खां आसात
म्हूण तीं दुकां गळयत आसतात.

म्हज्या घरामुखावयलो व्हाळ
भर पावसांत लेगीत
आवाज करिनासतना व्हांवतना दिसलो.

माथ्यावयलीं सवणीं तरी
म्हाका पळोवन सादयतलीं
काय दिशिल्लें
पूण तींय मोन्यानींच उडून गेलीं

पिकार जावन परतता आसतना
ल्हवुच उलो मारिल्ल्याचो आवाज आयलो
पांयांपोंदच्यान

पळेल्यार आंगणांतली माती
जांव सायबा
तिणें तरी दाखयली वळख

सेर्त म्हजी हांगां वार पुरल्या आसूंये...
♦♦

हांव एक मनीस

तुकां जाय तेन्ना चालू करपाक
आनी नाका तेन्ना बंद करपाक
हांव कितें तुज्या बेडरूमांत
दवरिल्लो टीव्हीचो रिमोट?

जेन्ना जेन्ना तूं तापतलो
आनी तुजो राग वाडटलो
तेन्ना हांव झेलावरी थंड रावपाक
हांव कितें रांदचे कुडींतलो फ्रीज ?

बटण दामल्या बरोबर
चक्रव्यूह कशें दिसभर
वाटकुळें वाटकुळें घुंवपाक
हांव कितें कपडे धुवपाचें वॉशिंग मशीन ?

म्हज्याच मतांची आनी विचारांची
बारीक चेटणी करून वांटपाक
हांव कितें रांदचे कुडींतलो मिक्सर ?

आरे पापया हीं सगळीं माकनां आनी हांव मनीस
ही सादी गजाल तुकां कशी समजना?

सोस सोस सोंसतलें
ओट्यावयले शेगडेवरी
भक्क करून पेटलें जाल्यार
लसूण उडयतलें सगळीं माकनां
बऱ्यान तूं म्हाका
मनीस म्हूण वागय
♦♦

विल्सन कटील

धांक

धांक जांवचें म्हळ्यार
तितलें सलीस न्हय!
मुळाक कुराड पडल्या उपरांत
पाळां तुटोन वेचीं,
फांटे बेंडून वेचे
दीक व्हांवोन वेचो
निर्लिप्त जावन पळेत आसजे

एकच एक खोलोय उरनाशें
कूड नागडी
लांकूड जातानांय,
वोळींत पुरल्यार
पाळ दिंवचे तसलो जिवारोस
गुपीत राकून व्हरीजे

आंगा-पांगाच्या घायांचेर
तरनी वाल
चरोन वयर वेतानांय
आपल्याच खोल्यांक
तकलेर धलोंवची आशा
बिल्कूल किरलोंक नजो...

परत परत फुटोन येंवच्यो
आपल्योच आंकर्यो किमचून काडल्यारी
वेंगल्ले वालीच्या पानांक
आपलींच म्हण मानून,
त्या पाचवेपणांत
आपणें लिपोन उरचो गूण आसाने...
तो खुरसाकय साध्य ना!

रुकान
धांक जांवचें म्हळ्यार
मनशान
देव जांवचे तितलें सलीस न्हय!

♦♦

बांक

बांकाचो रंगय
बाबाच्याच आंगाचो!

बांकय घामेल्लेबरीच दिसतालो -
शेताथावन आयल्ल्या बाबान
फाट तेंकताना.

फोड भेत्ताना बांकादेगेर उदेल्ले
कोयतेधारीचे दरग घुर्त
बाबाच्या पांयांखोटेंक पडल्ल्या
कात्र्यांबरीच दिसताले!

बांकय बागवाल्लो अखेरीक
बाबाच्ये फाटीदबरीच.

मोव-मोवाळ कापसाचो
नवो सोफासेट्ट हाडताना
कोणाच्याकी खांदार चडोवन
धाडून दिल्लो
हो पोरन्या रुकाडाचो बांक

काल
बाबाचें मोरन न्हाणोंवक
कूड खंयच्यार निदांवची
म्हण चिंत्ता करताना
बांकाचो खूब उडास आयलो...
♦♦

बायेचें मागणें

सुतां पोशेतानांया फुलोन रांवचीं
नाजूक दोन थानां
नाकात धन्या
मुटी चिरडोवनी सोसचे तसले
च्यार बोंब दी!

चिंतनांक कातर पडचेकडे
केसांचो पोस कित्याक?
बागायल्यारय तकली
हांडूंक येंवचेबरी दिसचीं
दोन शिंगां दी!

खंती धोसल्यार फुलांय जड!
पांती आस्ल्यारने व्हावोंवक?
शिमटी जावन बदली ती
कातीर बसचे मूस आंबडूंक!

अस्कत पेंकड धल्ल्यार वर्णन!
बळिष्ट जाल्यार सोसतलो कोण?

कोळशे व्हावोवन पुरो जाले गा
कोणाकोणाची थांबोंवक तान
आनी पुणय च्यार पांयांनी
बागवोन चलशें चाल तिदवी!

कुडकां उमकाळावन गळ्ळे कान
वाडोंदीत लांब -
तें कर, हें कर करकरे पुरपुरे
उतरोन, आयकोंवचेबरी
पलतडचें मधुर पिरलुके गायन!

सोभायेच्यो हासो नाकात
एके निज्जेचे जडय दांत!
त्या लड्यांत
जीब येवन भायर
हांबेंवक पुणय लाबों धयर!

थोड्यांच्या उद्रेकाक
वस्तूर कारण खंय!
तेंय निसरायतां लोव
बदलाक-
आंगभर वाडय लोंव!

गायेक आसची राकण
स्त्रीयेक ना गांवांत
देकुनगा देवा
तक्षण म्हाका गाय कर

उपरांत जाय तर
ही म्हजी कूड
तुज्या तेत्तीस करोड सोयर्यांक
भाड्याक सोड!
♦♦

निशेध पडल्लो नोट

निशेध पडल्लो एक नोट
म्हजेलागीं आनीकय भद्र आसा!

मासळी विकतले बायलेच्ये
पोतयेचो वास,
मासा दुकानावाल्याच्या
हाताची हिमस,
फुलांच्या चेडवाचो बोटांचो परमळ
दुदाच्या चेड्याच्या स्पर्शाची साय

पेन्शनाक राकोन थकलल्ये
म्हातारेचीं दुकां,
कूड विकलल्ये वेश्येचीं
घामाचीं थिकां,
लॉकराच्या बिगांतली बंदड,
काणिके हुंडयेचो काळोक..

पुराय भोगून
जरोन, माजवोन
बाबाच्या हाताक पावताना
गांधीच्या पिंजलल्या हास्याक
प्लास्टर मारल्लें!

थोडो तेंप
मांयच्ये पोतयेंत
सुशेग जोडून
आनी कितें
जेवणा खतिरगी, न्हेसणा खातिरगी,
हात बदलिजे म्हणताना
पडलो निशेध!

तोच नोट
आनीकय म्हजेलागीं आसा
बॉल्सांत न्हय, परसांत न्हय
बुकाच्या पानां मदें...

हांवें
ताचेर एक
कविता लिखून
अमान्य जायनाशें आडायलां..

♦♦

नीटच रावल्लो रूक

नीटच रावल्लो रूक
हातपांय ताचे बांदून
कोनशांत बसयलें
आनी ताका
कदेल म्हळें!

नीटच रावल्लो रूक
फाट ताची तासून
दिंबयेर गळयलें
आनी ताका
मेज म्हळें!

नीटच रावल्लो रूक
पेंकड ताचें मोडून
धरणीर निदायलें
आनी ताका
बांक म्हळें!

नीटच रावल्लो रूक
तकली ताची कापून
वणदीक उमकाळायलें
आनी ताका
खुरीस म्हळें!

ह्या मनशान
नीटच रावल्ल्यांक सोसलां केन्नां

शाबीत उरजे तर
रुकांनींय हांगा बागवाजेच कोण्णा!

♦♦

अन्वेषा सिंगबाळ

मास्क

दुर्येसांत मास्क
चडयल्लें आमी
आतां सदांच मास्क
चडोवन भोंवतात
अदृश्य तें मास्क
आतां कोणाक
कांयच कळूंक दिना
तोंडाक पळोवन
कोण कसो आसा
हें कळपाचे दीस गेले
ओंठावेल्या हांश्यांत
खोस, दुख्ख
सोदपाचें सांडून गेलें
दोळ्यार पट्टी नासून लेगीत
आतां दोळ्यांतले
भाव समजनात
मोग, माया
दिसताली तोंडार
आतां तेंय दिसपाचें
विरून गेलें
आतां तोंडार दिसता

तो फकत
फटकिरो आभास
ताचे फाटल्यान कितें दडलां
कोणाक कांय कळना
अदृश्य त्या मास्कांत
भितर कसलो
जिवाणू ल्हिपला
कांय समजना

♦♦

सोद

वाट सोदता कांय हांव
पळून वचपाची
तुमचे पासून
म्हजे पासून
पयस खंय तरी
जंय सवण्यांची भिरीं
म्हाकाय तांचे बरोबर
पयस पयस
उडत व्हरतलीं
जंय कुपांच्या
मोव गादयांचेर
हांव विसव घेत
लोळटलें
जंय चंद्रीमाच्या
मोगाळ पडबिंबांत
म्हजे म्हाकाच देखतलें
जंय आसचे नात प्रस्न
आसचे नात दुबाव
आसच्यो नात अपेक्षा
कसल्योच
फकत हांव
म्हजे अंतर्मनाचो
साद आयकूपी
म्हजे हांव

♦♦

उपास

तिचे मोने उस्वास
सकाळच्या पारा
आयकलेच नासतले केन्ना कोणें
केन्ना पळोवंक नासतल्यो
तिच्या कुडीर
तेय परस चड
तिच्या काळजार
उमटिल्ले
असंख्य वळ
रातीं तिच्या
भावनांच्यो
तिसत्यो वाद्‌च्यो करून
आपल्या कुडीची
भूक भागोवपी तो
सकाळच्या पारा
पोटाची भूक भागयतलो
तिणे रांदिल्ल्या जेवणान
ती मात उपाशीच
रातींय
आतांय

♦♦

आड्डी

कळटा तरी कितें तुका क्रिकेटींतलें
कांय बेठेंच हिरो कशे दिसतात
म्हूण पळयत बसता
त्या क्रिकेटरांक

तांणे थोमणो मारलो
आनी पयलेच फावट
शाळेंत आसतना
क्रिकेट खेळपाचें सोडिल्ल्याचो
तिका जालो पश्चाताप

तेन्नाय आवय बापायन
क्रिकेट खेळून कितें
तेंडूलकर जातली
म्हूण काडून घेतिल्लें
तिच्या हातांतल्यान बेट

आता टिव्ही मुखार बसून
आड्डयो मारता ती जेन्ना
तेन्ना घरचीं
दोळे मोठ्ठे करून
तिचे कडेन पळयतात

आनी दिसता तिका
तेन्नाच मारूंक जाय आशिल्ल्यो
आड्ड्यो
हातांतल्यान बेट काडून घेतिल्लें
आवय बापायन
तेन्नाच
♦♦

फट

द्रौपदिची लज धापूंक
तिका वस्त्रांनी गुठलायिल्ली
त्या वेळार कृष्णान

आयजूय
ह्या समाजांत गुठलायत आसात
वस्त्रां कोण ना कोण
आरक्षणाची, येवजण्यांची, कायद्यांची तिका

आनी मागीर
आनीक एक महाभारत रचूंक
मेकळे आमी
कितलीशींच कुरूक्षेत्रां
आसाच तयार
झुजा पेटोवंक

दांत दाखयत
तिच्या वस्त्रहरणाचे देखावे पळोवपी
त्या झुजांनी
झगडटले, झुजतले
आनी जिखतलेय आयज
कसल्याच गितेचो
सार आयकिनासतना

हरतली मात ती
सदां बशेन
झूज लढनासतनाच
♦♦

लडाय

दिवाळेच्या
त्या मंद पणटेच्या उजवाडांत
हांवेंय स्वताक नटयलें सजयलें
साडयेचो पदर वाऱ्यार उडयत
फोटो काडले, व्हिडीयो काडले
सगळ्यां वरीच
इन्स्टाग्राम, फॅसबूक
सगळी कडेन पोस्ट केले
कितलेशेच कमेंट
कितलेशेच लायक
तातूंत
म्हज्या जल्माक,
म्हज्या अस्तित्वाकच
गाळयो मारपी
कितलेशेच जाण
म्हाका मनीस न मानपी
म्हाका जल्मतनाच
मारून उडोवंक जाय आशिल्ले
हे सल्ले दिवपी
कितलेशेच जाण
फेक प्रोफायलांच्या आड
म्हाका नपुंसक, हिजडे म्हणपी
कितलेशेच शंढ
सोशल मिडिया बंद करून
गॅलरींतल्या फोटोंचेर नदर मारतना
मदींच थंय फोटो दिसलो
सदांच सांगात दिवपी
आवय बापायचो
दीस रात
बळगें दिवपी इश्टांचो
मनांत विचार आयलो
प्रेरणादायी त्या कितलेशेच अज्ञात
बरें मागप्यांचो
तांकां करून एक निमणो सलाम
वाऱ्यार उडपी साडयेचो पदर
ल्हवूच बांदून फॅनाक
सगळ्यांचीच मनां राखचीं
म्हण थारायलें हांवें
त्या दिवाळेच्या रातीं
आनी मागीर मिणमीणत्या
पणटे कडेन गेली ल्हवूच नदर
ती वात पेटत आशिल्ली
स्वता जळत
पदर ल्हवूच फॅना वेल्यान निसरून
पडलो खांदार
खोयलो तो हांवे कमरार
उजवाडाच्या त्या राती

♦♦



उर्जिता भोबे

आपोवणें

मोगाक हांवें आयज म्हगेर
कुळारपणाक आपयलां
वताक धाडलां पलतडीं
कुपांक रांवक आपयलां

हुंवार जरी आयलो भायर
दुकळ दोळ्यांक लागिल्ली
पांचवो श्रावण घेवन तुका
नेटान व्हांवक आपयलां

मोनीं आसलीं केन्नाच्यान
काळजांतलीं म्हजीं पदां
मेघ मल्हार राग आळोवन
सरींक गांवक आपयलां

सुकुन गेल्ल्यो काळजातडी
दर्या ल्हारां आटिल्लीं
मोयपासाच्या व्हावझडीनी
तांकाय न्हांवक आपयलां

धापून आसलें कितलो तेंप
कुवाड म्हज्या मळबाचें
आयज ताका मेकळेपणान
उगतें जांवक आपयलां

मोगाक हांवें आयज म्हगेर
कुळारपणाक आपयलां
वताक धाडलां पलतडीं
कुपांक रांवक आपयलां

♦♦

अन्दू वरस आयलां नवें

अन्दू किदें घडलां काय
भरूंक लागल्यात पोरने घाय
पोरन्या त्याच सुर्यांत म्हाका
किरण दिसला नवें
अंदू वरस आयलां नवें

दोळे तेच
दीश्ट नवी
सपनां नवीं
म्होवीं म्होवीं

काळीज तेंच
आस नवी
उमेदीची
रास नवी

बाग पोरणी
फूल नवें
नव्या फूला परागाचे
कण भोव हळदुवे
अंदू वरस आयलां नवें

नवें किरण
नवी दीश्ट
नवी आस
खोस यतीश्ट
नवें फूल
नवी उमेद
नव्या नवलाची
नवी वेध
धरतरे गर्बांत
कोंबरी नवी
कोंबरे न्हेसण पांचवें पाचवें
अंदू वरस आयलां नवें
♦♦

पायस

काळजाच्या तिजोरेंत सांबाळून दवरिल्लीं, हांवे कांय तत्वां

भूक लागतकच तांतल्या तीन तत्वांची चूल मांडली.
कश्टाचें आदन दवरलें
लागणूक शिजत उडयली
पूण कांयच उपयोग जालो ना.
म्हजी ही तत्वांची चूल म्हजी भूक भागयना जाली.

मनांत आयलें
कित्याक हीं तत्वां ?
त्या परस फातर बरे.
तीन फातरांची चूल पेज तरी दिता.

तिडकेसरशीं सगळीं तत्वां पुंजायलीं आनी कोयराबल्लांत उडोंवक व्हेलीं.
पळयल्यार....
कोयराबल्ल तत्वांनीच भरलां
भरून व्हांवता!

तत्वांच तत्वां,
फुडार्‍यांचीं, व्यापार्‍यांचीं, अधिकार्‍यांचीं, राजकारण्यांचीं,
दोतोर – लजनेरांचीं,
शिकोवप्यांचीं, शिकतल्यांचीं,
दादल्यांचीं, बायलांचीं,
हांचीं, तांचीं,
धाकल्यांचीं, व्हडल्यांचीं.
उश्टीं तत्वां!
आनी दिसले त्या तत्वांच्या पोंदा चिडून पडिल्लें उश्ट्याचे गोटे.
पळोवन हांवें आंग काडलें!
पूण लक्षांत आयलें
कोयराबल्ल हीच तत्वां
♦♦

एक्केरियम

सकाळीं उठत साकून
काल रातीं सपनात पळयल्लो एक्केरियम
दोळ्यामुखार नाचतालो
सकाळच्यान जसो
फाटीक लागिल्लो
दुद तापयतना
च्याक आदन दवरतना
झाडांक उदक घालतना
पेपर भीतर घेतना...
तो नाचतालो दोळ्यामुखार

किद्याक ? कळळें ना.

मागीर म्हाका दिसलें
तो म्हाका कसली
याद करून दिता...

वण्टींची...
हांवें बांदिल्ले वण्टींची
काचेंच्या वण्टींची याद

हांवें म्हजे भोवतणी
कांचेच्यो वण्टी बांदल्यात
तांतल्यान म्हाका लोक दिसतात
तांकाय हांव दिसतां
पूण...

पूण म्हजो आवाज
तांचेमेरेन पावना.
म्हाका उलोवचें आसता,
तोंड उगडल्यार उतर फुटना,
उतर फुटल्यार
आवाज भायर सरना,
आनी भायर सरता तो आवाज
काचेच्या वण्टींक आदळुन
परतुन येता....
म्हण हालीसराक
हांव ओगीच आसतां.

काळजांत उतरां खतखतत वतात
चिंतनांक उकळी येता
ओतो लेगीत येता
पूण....
काचेक आदळपाचे भयान
तीं भीतरच तुंबतात
आनी हांव
♦♦

चीट पूराण

पैस आसा घरच्यान
याद सतायता
घरची वाट आपयता
काम आडायता

अशा वेळार चीट
जेन्ना हाडी कुर्रयकार
पैशे लेगीत कोयर दिसं
ते कागदा मुखार

फट मारुन दुकां
लीपयताली आई
सगळें सांगून वचं
खतावल्ली शाई

काळजांतले उमाळे
कागदार उदेताले
आईचें काळीजच
चीट जावन येतालें

हुस्को उक्तावंक तीका
ती शाय काय पावनासली
आईची चीट केन्नाच
रडयले बगर रावनासली
♦♦

कला ही फॅशन न्हय!

हर्षदा केरकार सोनक

हेर कलांवरी चित्रकला हो सदांच मनशाच्या अणभवाचो हारसो, आमच्यो भावना, संघर्श आनी जैतां पडबिंबीत करपी. कांय चित्रकारांचो सगळ्यांत आकर्शक विशय म्हळ्यार मनशाची आकृती. अशीच एक चित्रकार हर्षदा केरकार सोनक, तिका मनशाच्या आकृतींच्या ओडलायण्या रेखाटनांक लागून उतरां पलतडची चित्रकार म्हूण नामना मेळ्ळ्या. मनशाच्या आकृतीबंधांचें चित्रण समाजा वांगडाच विकसीत जालां. प्रबोधन काळांतल्या कलाकारांनी तें दैवी सोबीतकाय आनी आदर्श प्रमाण सोदलें, जाल्यार पिकासो सारक्या आर्विल्ल्या कलाकारांनी धारणांक आव्हान दिवपाखातीर आकृतीची विघटन केलें.

हर्षदाचें मनशाच्या रुपाविशीं आकर्शण भुरगेपणांतल्यान सुरू जालें. गांवगिऱ्या वाठारांत तिच्या भोंवतणच्या लोकांचे विविधतायेचेर ती मोहित जाल्ली– दर एक मुखामळ तिका एक आगळीच काणी सांगतालें. पेडणें तालुक्यांतल्या केरी गांवांत जल्मल्ल्या हर्षदाचो बापूय चंद्रकांत केरकार एक कला शिक्षक आनी कुशळ नामनेचो चित्रकार आशिल्लो. ती म्हंटा, ''ताणें म्हाका भुरगेपणासावन चित्रकलेंतले धडे दिवपाक सुरवात केली. म्हज्या शेजराच्यो चलयो म्हजीं मॉडेल आसतलीं. मागीर हांव गांवांत घराघरांत वचून लोकांक पोज दिवपाक सांगपाक लागलें. खंयच्याय दिसा कोणूय मेळपाक अपेस आयल्यार हांव वचून एका खासा झाडा सकयल बसतालें, जंय गोरवां विसव घेतालीं. आनी तीं म्हजे खातीर पोज दितालीं.''

तिणें एस.एन.डी.टी. विद्यापीठ, मुंबयची चित्रकलेंत कला पदवी मेळयली. थंय जायत्या सोलो



आनी गट प्रदर्शांनी तशेंच नवी दिल्लीच्या राष्ट्रीय ललित कला अकादेमी प्रदर्शनांत तिणें वांटो घेतला. मुंबय आसतना लक्ष्मण श्रेष्ठ, वासुदेव कामत हांचीं चित्रां तिका आवडटालीं. ती म्हंटा, ''म्हाका सगळें आवडटा. शिमो नात. वारली कला दिसली जाल्यार हांव तिच्या मोगांत पडटां. अमूर्त ॲबस्ट्रॅक्ट आर्ट वा इंस्टॉलेशन आर्ट लेगीत म्हाका आवडटा. कांय काळ म्हजेर अँडी गोल्ड्सवर्थचे कलेन मोहिनी घाली. दोन वर्सां हांव ताचे दिकेन गेलें आनी म्हजी एक कृती लेगीत त्या वेळार लिलावांत विकली.''

तिचीं सुरवेचीं कृती सादीं पेन्सिल रेखाटनां आशिल्लीं, पूण तेन्ना लेगीत तातूंतल्यान तिच्या फुडाराच्या शैलीचो संकेत मेळटालो : भावना आनी कथनाचेर भर दिवप. ती फकत लोकांक रेखांकन करीनाशिल्ली; ती तांच्या कथांचो सोद घेताली. ''हांव म्हजी स्केचबुक घेवन त्या खिणाची अभिव्यक्ती पितारपाचो यत्न करतालें,'' हर्षदा सांगता, ''एक हांसो, मुखामळ घुंवडावप, कोणाचीय मुद्रा, तांचो मूड कितें सांगूंक शकता, तें उतरां नासतना भास डिकोड करपा सारकें. जेन्ना म्हजो बापूय म्हाका मार्गदर्शन करपाक लागलो तेन्ना ताका दिसलें हांव चली जाल्ल्यान खंयचेय सुवातेर भायर सरून म्हाका रंगोवंक मेळचें ना, कारण एक बायल म्हणून तें म्हजे खातीर सुरक्षीत न्हय. देखून मनशाचीं चित्रां काडपाचेर ताणें म्हाका चड मार्गदर्शन केलें.''

मनशाच्यो आकृती काडप वा रंगोवप ही फकत एक कलाकुशळटाय न्हय. तो रूप, भावना आनी अस्मिताय हांचे खोलायेन सोद. मनशाच्या आकृतीबंधांक पितारपा फाटली खोलाय जायत्या थरांनी समजूंक मेळटा. मनशाच्या शरीररचणूकेची घट समजूत आसप म्हत्वाचें. वास्तवीक चित्रण सुनिश्चीत करपाखातीर कलाकार स्नायू, हाडां आनी प्रमाण हांचो अभ्यास करतात. अमूर्त वा शैलीबद्ध आकृतीबंधांक लेगीत मुळाव्या शरीरचणूके विशीच्या जागृतायचो फायदो जाता. हें कळना जाल्यार आकृतीबंध निश्जीव दिसूं येतात. पूण चित्रकार जागृत आसल्यार आकृती निश्चलतायेंत लेगीत हालचाल, व्यक्तिमत्व आनी उर्जा सुचयता. हावभाव रेखांकन आनी अभिव्यक्तीशील रेखाटन शरीराची लय व्यक्त करपाक मदत करता. ''म्हाका म्हजे आकृतीबंध परिपूर्ण प्रतिकृती आसचे अशें दिसना,'' ती सांगता. ''तांणी जिवे दिसचें, पानाचेर उस्वास घेवचो अशें म्हाका दिसता.'' मनीसपणाचें सार धरप हें आव्हानां बगर नासता. हर्षदा खूबदां वास्तववाद आनी कलेचो अर्थ लावपाच्या समतोलाकडेन खेळटा. शरीररचणुकेच्या तंत्रीक मळार वचप हें आकर्शक अशें ती मान्य करता. ''पूण परिपूर्णतेचेर चड लक्ष केंद्रीत केल्यार चित्रांतलें जितेंपण वता,'' हें ती बेस बरें जाणा. भौतिक प्रतिनिधीत्वाच्या भायर मनशाची आकृती व्हडल्या विचारांचें प्रतीक आसूं येता. देखीक – दुख्ख, देवत्व, जुलूम वा उमळशीक. फ्रीडा काहलो स्वताच्या चित्रांनी वैयक्तीक आनी संस्कृतीक अस्मिताय सोदून काडटा जाल्यार फ्रांसिस बेकन अस्तित्वाचो भंय दाखोवपा खातीर आकृतीबंध विकृत करता.

हर्षदाची कुशळटाय जशी वाडत गेली तशी तिची शरीररचणूक, उजवाड आनी सावळी हांचेविशीं समजूत वाडत गेली. मनशाचें तोंड आनी कूड हीं कथा सांगपाचीं बळिश्ट साधनां. मुद्रा, हाताची सुवात वा तोंडावयले भावनेंत मात्शे बदल जाल्यार चित्राचो पुराय मूड बदलूं येता. रेम्ब्रां आनी एगॉन शिले ह्या कलाकारांनी सूक्ष्म तपशीलांतल्यान मनशाच्या खोल भावनांचें संप्रेषण करपाची तांक मेळयल्ली.

कारावागिओचो नाटकीय 'चियारोस्कुरो' (उजवाड आनी काळोख हांचेमदलो फरक) वा योहान्स वर्मीर हाचो मृदु प्रकाश वास्तववाद वाडयता आनी पळोवप्याच्या दोळ्याक केंद्रबिंदूकडेन व्हरता. हर्षदाचें काम मनशाचे भावनेंत रुजलां. तिच्या चित्रांनी चड करून आत्मनिरीक्षण, खोस वा निराशेच्या खिणांतल्यो आकृती दाखयतात 2018 इस्वेंत सेरेन्डीपीटी फेस्टिवल ऑफ आर्टस वेळार, पणजी

बाजारांतल्या बायलांचें, मांडवी न्हंयचें प्रतीक म्हणून वापरिल्ल्या नुस्त्याचें आनी लोकांनी आडनदर ताच्या मौन दुख्खाचें, कोळशाच्या माध्यमांत तिणें चित्रण केल्लें. ह्या चित्रांनी तिची प्रक्रिया जितली अंतर्ज्ञानी तितलीच तंत्रीक. खरखरीत कोळशाच्या रेखाटनांतल्यान सुरू करून ती ल्हवू ल्हवू तपशील थारायता, उजवाड आनी सावळी हांचे मदल्या परस्पर क्रियाकलापाचेर लक्ष केंद्रीत करता. दर एक आकृती ऑर्गेनिक रितीन उदेता, सांगपाचो हेत आशिल्ल्या मूड आनी काणयेचो आकार घेता. ''रेखाटन घटमूट आसूंक जाय अशें म्हज्या बापायक दिसतालें आनी हांवें सदांच म्हजें रेखाटन सुदारपाचो, रेखा चडांत चड समजून घेवपाचो यत्न करतां.''

गेल्या तीन वर्सांसावन म्हापशेंच्या बाजारांत गांवगिऱ्या वाठारांतल्यान तरेकवार म्हाल घेवन विकूंक हाडपी बायलांचेर हर्षदा एक चित्रांची माळ तयार करता. 2019 वर्सा तिणें सफाई कामगारांचेर एक मालिका केली जी भौशीक वण्टींचेर पितारिल्लीं. ती सांगता, ''संयोगान हाचे खातीर म्हाका मसूरीक वचपाची संद लाबली कारण एके संस्थेन ताचो प्रचार केलो. तांकां सगळीं दोंगराळ स्टेशनां निवळ करपाची इत्सा आशिल्ली. म्हाका भोंवपाक आवडटा पूण हांव जल्मलां ती सुवातय म्हाका आवडटा. केन्ना केन्नाय म्हाका कोणूच वळखना अशे सुवातेर वचपाक आवडटा कारण हांव थंय खंयच्याय जाग्यार बसून स्केच करपाक शकतां.''

दिसपट्टे जिणेंतल्यान तशेंच साहित्य, संगीत आनी वैयक्तीक अणभवांतल्यानय ती प्रेरणा घेता. एक कलाकार म्हूण विकसीत जायत वतना मनशाच्या अणभवाची खोलाय आनी व्याप्ती सोदून काडपाक ती सदांच कटिबद्ध आशिल्ली. हर्षदा सांगता, ''चित्रकार कुटुंबांत आशिल्ल्यान हांव कलाकार जालें. खरें म्हळ्यार बागकाम ही म्हजी पयली आवड आशिल्ली. सध्या चित्रकार जावप सोंपें कारण प्रसार माध्यमांचें स्वरूप आनी व्याप्ती वाडल्या. पूण कलेची कदर म्हत्वाची. कलेचे रसिक परिपक्व जावपाक लागल्यात, तरी कपडे आनी फॅब्रिक वेंचपाक आमी जाणात, स्मरणसुक्त पूण चित्रकला न्हय. तंत्रगिन्यानाक लागून डिजिटल रितीन आतां एक बाह्यरेखा काडूंक शकतात. पूण रेखाटन म्हणल्यार जिणेची परब मनवपा सारकें. मशीनाचेर आदारून रावल्यार आमची खोस वता कारण तें सृजनशीलतेचो आनंद मारता. कलेक फॅशन म्हूण पाळो दिल्यार ती दुख्खाची गजाल. ती एक खर आवड आसूंक जाय.''

❑





प्रोफेसोर आर्मांद
नारायण बोरकार

हांव नवोच त्या रूमांत रावपाक आइल्लों. रातचीं सुमार धा वरां जाल्लीं. म्हजेबरोबर रावपी दोगजाण भुरगे पयलेच न्हिदलेले. सगलेकडे किण्ण थंडाय पसरलेली. कसलोच आवाज नाशिल्लो. इतल्यांत दाराभायल्यान गॅलरेंतल्या फळ्यांचेर कोणाच्या पावलांचो आवाज आयकूंक आयलो. हांव अभ्यास करतालों. हांवें पुस्तक सकयल दवरलें आनी आयकत रावलों. पावलां फुडल्या दाराकडे गेलीं आनी उले मारता तें आयकूंक आयलें.

''पेत्रोल, ओ पेत्रोल.''

''कोण रे?'' भितरल्यान बायलेचो आवाज आयकूंक आयलो.

''मांयचो घोव तुज्या. दार उगोड.''

'घडांयच' करून दाराचो आडामो ओडून दार उगडल्याचो आवाज आयलो.

'ठा' 'ठा' थापटांचो आवाज.

''आनीक कोत्तेलें. सांग.'' 'ठा, ठा,' परत थापटांचो आवाज.

''आनीक कोत्तेलें सांग सांग म्हाका, आनीक कोत्तेलें?'' 'ठा, ठा' फाटीर मारलेलो आवाज.

''मोर, अशें मोर.'' 'ठा, ठा.'

''आनीक जाय?'' 'ठा, ठा'

''मोर, फोंडांत पोड. आनीकूय मात्तेलों.''

मागीर फकत मारपाचोच आवाज. आनी दुखीन पिरंगुपाचो आवाज. उलवप कांय ना.

दुसरे दिसा हें किदें प्रकरण तें म्हळें चवकशी करुया. भुरगे उठल्या बरोबर तांकां हांवें ही राती घडलेली गजाल सांगली. तुमकां किदें हातूंतली खबर आसा काय म्हण विचारलें.

''आमी हांगा आसात ते अभ्यास करपाक. नसत्या भानगडींनी पडपाक न्हय. जगावयल्यो कटकटी जाय कित्याक?'' तांणी म्हाका सांगलें. म्हजें मन ओगी रावलेंना. आमचें स्कूल णवांक सुरू जातालें. आठ वरां जाल्लीं. हांव इंग्लीश टेक्स्ट घेवन भायर गॅलेरीचेर धडो वाचतालों. कर् करून फुडलें दार उगडलें. एक मोठोत्सो मनीस खोमीस पँटींत खोयौल्लो, तांबशेच दोळे आसलेलो, हातांत राँत घेवन भायर सरलो. पिराय सुमार साठ एक वर्सां. म्हज्या म्हऱ्यान येवन थांबलो.

''तूं नेवो येयला हिंगा?''

''हय.'' हांवें म्हळें.

''खिंचो तोर तूं?''

''सांखळेचो.''

''बिशोलेकोडली सांखेंली?''

''हय पापा.''

''थिंगा स्कूल ना तोर?''

''आसा. पूण चवथीमेरेन, मॅट्रीक ना.''

''बिशोलेय ना?''

''ना पापा.''

''बिशोलेय ना? ते व्होडले फुटबॉल प्लेयर म्हुण्टात मोठे. एक स्कूल हाडूंक जायना तेंच्यान? कोर तूं कोर लिसांव. चल्लों हांव.''

हांव स्कुलांत गेलों. पांच पिरियडांक पांच टिचर येवन गेले. म्हजे तकलेंत एकट्याचेंय लेक्चर गेलेंना. म्हजे तकलेंत फकत घोळटालें तें रातचें प्रकरण. इंतेरव्हालाक हांव हरशी बॅडमिंटन खेळपी. म्हळ्यार आज खेळचें अशें लेगीत दिसलेंना.

रुमार येतकच एकटोच हांव गॅलरीर उबो रावलों. वारो बरो येतालो. इतल्यांत इस्कादीचीं सपणां चडपाच्या पावलांचो आवाज आयकूंक आयलो. एक जाण्टी बायल एक खांदार व्हडलो बुडकुलो घेवन वयर आयली. आनी आमच्या फुडल्या दाराम्हऱ्यान उबी रावन तिणें उलो केलो, ''पेत्रोलिन, ओ पेत्रोलिन.'' तिणे दारार वाजयलें.

''कोण गो?'' भितल्ल्यान आवाज आयलो.

''हांव तें बाय मारी.''

''मारी गो, येता हां.''

दार उगडलें. एक मोठेंच मोटवेंच मुट्टूल कशें, धांपणें उगडलेलो व्हडलो डबो घेवन भायर आयलें. आनी धवेंच किदें ताणें त्या बुडकुल्यांत ओतलें.

''देव बरें करूं.'' मारी.

''वोय, देव बरें करूं.''

मारीन बुडकुलो खांदार घेतलो आनी तें परतलें. मारी देंवन सकयल गेलें. हांवें वळून परतें त्या मुट्टुलाच्या दाराकडे पळयलें. म्हाका पळयत तें दारार उबें आशिल्लें,

''नेवो येयला हिंगा?''

''हय. हांवें म्हळें.''

''खिंच्या स्कुलांत वेता?''

''म्हापसा हायस्कूल.''

''खिंचो तोर तूं?''

''सांखळेचो.''

''तिंगा स्कूल ना?''

''ना. मॅट्रीकमेरेन शिकोवपाचें ना.''

''मुज्या घोरकाराक चोयला तुयें?''

''हय, हय. सकाळीं राँत घेवन गेल्लो तो न्ही?''

''व्होय, व्होय, तोच. खिंच्यान गेला? सोकोयल्यान वो वोयल्यान?'' रस्त्यार दावे वाटेन, उजवे वाटेन हात दाखयत तिणें विचारलें.

''ना. हांवें ताका गॅलरीचेरूच पळयलां, सकयल तो खंयच्या वाटेन गेलो तें पळोवंक ना.''

''आतां आयल्लें तेका तूं ओवखोता?''

''मारी.''

''तूं खूंय ओवखोता तेका?''

''ना. भितरल्यान तुवें ताणें दार वाजयतकच कोण गो म्हणून विचारलेंना, तेन्ना ताणें सांगलें 'मारी' म्हणून.''

''आं, तेजेवेल्यान, हरशीं तुजी ओळोख ना.''

''चे, तशी म्हजी कोणाचकडे वळख ना. हांव हांगा सामकोच नवो.''

''तें हिंगा कित्याक येता जाणांय? ते येता धोंण व्होरपाक. आमी वोयर रावतां आनी आमकां दुकोर पोसूंक मेवोना. हांव सोगलें धोण मारीक दितां. तें आमचें शेजारी. जावं बाबड्याचें कोणाचेंय बोरें,'' अशें म्हणून तें भितर गेलें आनी घड्डु करून दार घालें.

'जावं, बरें जालें' हांवें मनांत म्हळें. मारीच्या निमतान कांय जायना, वळख जाली. आतां केन्नाय दुसरे फावट उलवपाक बरें. हांव सांचो जार्दिनांत गेलों. सगल्या जार्दिनांत पयलीं पासय मारची आनी मागीर म्हळें खंयच्याय एका बांकार बसचो. पासय मारतां मारतां हांव एका पानांनी गच्च भरलेल्या सत्रेम्ह्यान पावलों, सकयल पळयत जाल्यार 'पेत्रोलाचो घरकार' हातांत एक बाटली घेवन बसला. हांवें हडकिलोना. ताज्या सायडीचो बांक रिकामोच आशिल्लो. आनी ताचेर झाडाची सावळी पडटाली, ताजेर वचून हांव बसलों. थंयसून तो सारको किदें करता तें दिस. मदीं मदीं कूट करून घोंट मारतालो. मदीं मदीं फालां म्हण्टालो. हांव वरभर थंय बसलों. ताणें एक बाटली सोंपोवन दुसरी हातांत घेतलेली. मागीर हांव उठून रुमार आयलों. तो थंयच बसून आशिल्लो.

रातची धा साडे धा वरां जाल्लीं. कालच्याबशेनूच गॅलरीर पावलांचो आवाज आयकूंक आयलो. तीं पावलां फुडल्या दाराकडे थांबलीं.

''पेत्रोल, वो पेत्रोल.''

भितरल्यान जाग आयलीना.

''उगोडटा दार कांय ना ? खोंट मात्तोलों.''

''पोय पेत्रोल दार उगडीनाय ? चोड मधान जालांय ?''

इतल्यात आडामो काडलेल्याचो घडांचय असो आवाज जालो. आनी दार उगडलें.

''खोंय मोत्तालें येदो वेळ ? तोंड फोंडटलों धोरून.''

'ठो. ठो.' थापटांचो आवाज.

''मोर, अशेच मोर,'' 'ठा, ठा.'

''जिवेच मात्तेलों धरून.'' मागीर फकत ठोठो मारपाचो आवाज. उलवपाचो ना. अं. अं. असो पिरंगुपाचो आवाज.

दुसरे दिसा सांचो तसोच हांव जार्दिनांत गेलों. पापा त्याच बांकाचेर बसलेलो आशिल्लो. हांव म्हज्यांत वचून उबो रावलों.

''आरे, तूं खीं हिंगा ?''

''ना, पापा. हांव असोच पासयेक आलल्लों.''

''बोस, बोस.'' मात्सो फुडें सरून ताणें म्हाका बसपाक जागो दिलो.

''पापा, किदें खबर ?''

''बोरी. आतां आमी जाले म्हातारे, आतां आमची खोबोर म्हण किदें ?''

''पापा, विचारतां म्हण रागार जावं नाका आं. तुजें मात्शें पर्सनल विचारल्यार जाता ?''

''विचार, जाय तें विचार तुका. तूं किदें विचारतलो पोय, तें म्हाका खोबोर आहा. तूं विचारतलोय आमी रातचीं झुजां कित्याक कोत्तात काय म्हण, करेक्ट ?''

''हय, पापा. तूं ज्युस्त समजलो.''

''आयक सांगतां.''

पापान सांगलें तें अशें.

पापाचो बापूय जुआंव एक मोठो कामुलेंचो भाटकार. ताजीं कितलीशींच भाटां, शेतां आनी पडींग जमनी आशिल्ल्यो, पापा जुआंवाचो एकलो एकसुरो चलो. पापाक आपूण दोतोर जावचो अशी मोठी इत्सा आशिल्ली. पूण पापाच्या बापायक पापा दोतोर जाल्लो नाका आशिल्लो. दोतोर जातकच पापा भाटबेसांचेर लक्ष दवरचोना आनी खंयतरी दुसरेकडे वचून दोतोरकी करतलो अशें जुआंवाक दिस. म्हणून सेतमान जातकच जुआंवान पापाक दोतोरकेक घालपाचो सोडून इश्कोल नोर्मालांत घालो. पापा प्रोफेसोर द इश्कोल प्रिमारियू जालो. जुआंवान पापाचें म्हापश्यां पेत्रोलाकडेन काजार केलें. पापाच्यो दोन दोन वर्सांनी बार्देसाच्या वेगवेगळया गांवांत बदल्यो जावपाक लागल्यो. जुआंवाक पिकासांव जालें. ताणें येवजिल्लें प्रोफेसोर जातकच पापा एकाच जाग्यार गांवांत उरतलो म्हणून. त्याच पिकासावांन जुआंव, पापाचो बापूय मेलो. पापाक खूब दुख्ख जालें.

कामुर्लेच्या गांवकारांनी एक शिक्षण संस्था स्थापन केली. थंय तांकां इंग्लीश इश्कोल काडपाक जाय आशिल्लें. जो चडांत चड पयशे दित ताका त्या संस्थेचो अध्यक्ष करप अशें गांवकारांचें थारलेलें. पापाक हें कळ्ळें. पापान विचार केलो. फाल्यां ह्यो जमनी कोणाच्यो कोणाक पडटल्यो, आपणांक कांय भुरगें ना बाळ. त्या परस संस्थेक तरी दिवन उडोवया. पापान घरा लागच्यो सगल्यो जमनी आनी पांच लाख रुपया संस्थेक दिले. पांच लाख रुपया दिवपाखातीर पापान थोड्यो पडींग जमनी विकपाक काडल्यो. पूण कोण घेना जालो. मागीर पापान आपली भाटां विकलीं. एकूच भाट आपल्याखातीर विकनासतना दवरलें. दोन चार वर्सांनी गांवकार पापाचें कांयच आयकना जाले. पापाच्या उतराक कांयच किंमत दिना जाले. तेन्ना पापाक तिडक मारली. आनी पापा म्हापश्यां मावोड्यां रावपाक आयलो. पेत्रोलिन आवयबापायचें एकलें एक चली. पेत्रोलाचें आशिल्लें तें फकत एक घर. ना भाट, ना बेस. पेत्रोल बापायचें एकलें एक चली जाल्ल्यान बापायन ताजे खूबच लाड केल्ले. आनी पेत्रोल जाल्लें फोल्गी. बापायन थोडें कितें दवरलेले ते पयशे तर पेत्रोलान केन्नाच सोंपयल्ले आनी आतां पापाचीय परिस्थिती कठीण केल्ली. स्वराज्य जाल्याबरोबर तर

उरलेलें एक भाट, तेंय गेलें. ताजो मुंडकार ताका भाटांत येवकूंच दिना जालो. आतां पापाकडे कांयच पयशे उरूंक ना. इतलें सांगून पापा म्हाका म्हणूंक लागलो,

''आतां तूं सांग म्हाका, म्होजें जें किदें रेफोर्म येता पोय तेंय हांव ह्या पेत्रोलाक आईस्क्रीम. नवे नवे व्हिस्तीद शिंवपाक काबार कोत्तां, खोशी जावचें म्हूण. तूं म्हाका म्हुणतेलो, मागीर 'तूं संवसार केसो कोत्ता?' आयक सांगता, दोन चार बिझनेसमेनांचे हिंगा हांव हिशेब पोयतां. त्यापासोत दीसभर भोंवतां हांव. आनी जेन्ना रातचो घरा येतां पोय तेन्ना इतलें पुरो जावन येईल्या घोवाक हांसत्या तोंडान तोरी दार उगडूंक जाय काय नाका रे? सांग म्हाका– ना. तेका दिसता हांव फोल्ग मात्तां. पोंयत तेन्ना तोंड कुसकें. शेण खाल्लेभाशेन. दार उगडल्येबोरोबोर तेजें तोंड पोवन म्हाका जी तिडक मात्ता पोय– मागीर कितें, ठा. ठा अशेंच मात्तेलों तेकां. मेल्यार लेगीत पोंवचोना.''

हांव रूमार आयलों. एक वोगीच गॅलरीर पासय मारली. पापाच्या रुमाचें दार बंद आशिल्लें. पूण जनेल उगडेंच आशिल्लें. जनेलाक वारांव आशिल्ले पूण दारा बंद नाशिल्लीं. रूमांतलें भितरलें सगळें दिस. हांवें तेन्नाच थारायलें आज सगळी मजा पळोवपूच. कसो तरी धा साडे धा मेरेन वेळ काडलो. अभ्यासार कांय लक्ष नाशिल्लेंच. आनी इतल्यांत तो पावलांचो आवाज आयकूंक आयलो. हांव ल्हवू उठून आमच्या रूमाच्या दारा आड वचून उबो रावलों. पावलां फुडल्या रुमाकडे पावलीं.

''पेत्रोल, वो पेत्रोल? ''

''कोण रे तो?''

''पाय तुजो.''

दार उगडलें आनी आवाज 'ठा ठा.'

हांवें ल्हवूच आमचें दार उगडलें. आनी ताज्या जनेलाभायर वचून उबो रावलों, भितरलें सगले दिस.

''सांग, आनी कोत्तेलें?'' पापान म्हळें.

'ठा, ठा' पेत्रोलान दोन पापाच्या तोंडार फुलयलीं.

''मोर, येशेंच मोर.'' पापान म्हळें.

'ठा, ठा.' पेत्रोलान आनीक दोन उडयलीं.

''हाडां म्होडून घालतेलों.'' पापान म्हळें.

'ठा. ठा.' पेत्रोलान दोन फाटीर घालीं. तसो पापा सकयल पडलो. पडला थंयसून पापान म्हळें, ''मोर फोंणांत पोड.''

पापाची नदर जनेलांतल्यान म्हजेर पडली.

''जनेल तोरी दांक मुगो तें.''

पेत्रोलान म्हजेकडे पळयलें आनी ताका आनिकूय नेट आयलो.

'ठा, ठा, ठा.' पेत्रोल खोंटी मारीत घुस्तायत रावलें. आनी मागीर पापाच्या तोंडांतल्यान शब्दूय येना जाले. पापा फकत 'अं, अं' करुन दुखीन पिरगूंक लागलो.

दुसरे दीस हांव गॅलरीर मारी येवपाची वाट पळयत रावलों. म्हाका पेत्रोलाकडे उलोवपाचे आशिल्लें. अकरांक सुमार मारी आयलें. मारीन दार उगडूंक लायलें. आनी पेत्रोलान ताज्या बुडकुल्यांत धोंण घालें. मारी परतून वचूंक लागलें. तितल्यान म्हजेकडे पळोवन पेत्रोलान म्हळें,

''आयज स्कुलान वोचोंक ना?''

''ना वोचूंक. आज बरो ना हांव. जोर आयला.''

''जोर येयला? मागीर वाऱ्याक कित्याक रावला तोर?''

''ना, तुका किदें विचारूंक जाय आशिल्लें.''

''विचार, विचार. तुका जाय तें विचार तूं किदें विचारतलोय तेंय म्हाका खोबोर आहा. तूं विचारतलोय आमचें रातचें झूज! वोय मोरे?''

''हय, खरें तुजें आन्टी.''

''यो, आमगेर यो. भितोर बोस. तुका सोगलें सांगतां हांव.''

हांव तिज्या रुमांत गेलों. भितर कदेलार बसलों. तें दुसऱ्या कदेलार बसलें. आनी आपली स्टोरी म्हाका सांगूंक लागलें.

''पेत्रोल एका कर्नलाचें चली. तो इंडियन मिलिटरींत आशिल्लो. ताजीं शेतां, भाटां आशिल्लीं. म्हापशां दोन घरां आशिल्लीं. तातूंतलें आतां तीं रावतात तें एक. पेत्रोल मॅट्रिकमेरेन म्हापश्यांच शिकलेलें. तें मांय-पायचें एकलेंच चली आसलेल्यान कर्नलाक कोणतरी घरजांवय जाय आशिल्लो. कामुल्लेचो एक गांवकार कर्नलाचो इश्ट आशिल्लो. कर्नलान सहज म्हुणून ताका कोणतरी बरो भुरगो आसा काय म्हुणून विचारलें. ताणें सांगलें आपलोच पूत आर्मांद आसा म्हणून. आर्माद तेन्ना इश्कोल प्रिमारियाचो प्रोफेसोर. पेत्रोलाच्या बापायक भीड जाली आनी ताणें ताज्या धुवेचें आर्मांदाकडे काजार केलें. आर्मांद म्हापशां पेत्रोलागेर रावपाक आयलो. कर्नल आस म्हणसर आदि बरो शिस्तीन वागलो. आनी कर्नल मरतगीर आर्मांद फोल्गिश्त जालो. फोल्गां इतल्यार पडली कीं पेत्रोलाचीं भाटां सोंपयलीं, एक घर विकून उडयलें, ते पयशे सोंपयले. पेत्रोलाचे नांवार कर्नलान बँकेंत दवरलेले पयशे काबार केले. आनी आतां धरलां फकत पियेवप!''

इतलें सांगून ताणें म्हाका म्हळें,

''आतां तूंच सांग म्हाका, दीसभर हो भोंवता आनी रातचो पियेवन घरा येता, हेका मारचेंना जाल्यार किदें कोत्तेलें हांव?''

''ना, पूण तो म्हाका सांगी, खंयच्याशा बिझनेसमेनाकडे हिशोब पोयता म्हुणून.''

''तुका मेवल्लो? केन्ना?''

''काल.''

''मेलो पोयतेलो हिशेब. रेफोर्म लेगीत घेवन खालें.''

''न्ही पूण तो म्हाका म्हण, आपूण कामुल्लेचो भाटकार, पूण भाटां सगलीं स्कुलाक चॅरिटीक दिलीं. आनी उरलेले मुंडकारान खालें.''

''वा! काय मेलो भाटकार! एक लेगीत माड नासलो. तेका आसली ती एक खोपः तीय काजार जाल्या उपरांत मोडली. दिजग्रागाद खिंचो! तूं म्हुणतेलो आमी आतां जियेतात केशीं? आयक सांगतां, तो विकुया विकुया म्हण्टा आसतना हें इतलेंच एक घर हांवें दवरलां हेंच आतां आमचें पोट. तुमचे पोन्नास आनी त्या फुडल्या रुमाचे पोन्नास आनी सकोयले सोगले घोर मिनाच्या कंपनीक दिलां, तेजे तिनशीं रुपया. दोनशें रुपयांनी हांव संवसार कोत्तां आनी दोनशें दिता तेका पियोवंक सजमोलोय?''

''हरशी सभावान बरो दिसता न्हय?''

''बोरो आनी वायट. ही पोय काल तेणें निंदतंना एक चीट बरोवन उशाकडे दवरल्या आनी आज हांव उठचेपयलीं सक्काळीं उठून गेला. हांवें वाचल्याच ती चिटी पूण तूंय वाच.''

चिटयेर अशें आशिल्लें. –

माय डियर पेत्रोल,
तुजो म्हजेर खूब मोग पूण हाजेफुडें तो तुका करूंक मेवचोना. म्हूण म्हाका खूब वायट दिसता.
हांव जीव दितां.

– तुजो आर्मांद

म्हाका वाचून कच्च जालें. हांवें म्हळें,

''हांव सोदूंक वचूं ताका?''

''खीं वेता सोदूंक? थोंण बोस. मेलो दितेलो जीव. सोरो पिवपा इतलें सोंपें न्हूं तें. रातचो पोय.''

म्हाका मात संबद दीस धागदूग. त्रास काडचे पडटले ते म्हाकाच! हांव सोडून ताचे वळखीचो असो कोणूच नाशिल्लो घरांत. किदेंय जावं आतां पळून उपयोग ना. आयल्ल्या परिस्थितीक तोंड दिवपाकूच जाय. रात जाता जाता तसो तसो म्हाका चड भंय दिसूंक लागलो हांवें दार धांपलें. ते रुमांतल्या दोगूय भुरग्यांक हांवें फुडें येवपाच्या प्रसंगाची सादारण आयडिया दिली. पूण तांणी 'झक मारूं' म्हळें आनी न्हिदून सोडलें. धा साडे धांक भायर बोवाळ आयकूंक आयलो म्हुणून हांवें भियत भियत कान दिलो.

''पेत्रोल, पेत्रोल, दार उगोड.''

''उगोडता, काय ना?''

''कोण रे तो?''

''तुजे मांयचो घोव.''

दार उगडल्याचो आवाज आनी मागीर फकत माराचोच आवाज 'ठा, ठा.'

❑

डिलीट

वसंत भगवंत सावंत

आबाय गेल्ल्याक स वर्सानी पयले खेपे आयज सगळें कुटंब घरांत जमलेलें.

'आयज पुण म्हज्या भाव-भावजांक म्हज्या लग्नाविशीं वासपूस करीनशें दिसतलें काय?'

तिगुय भावांक, भावजांक आनी तांच्या भूरग्यांक घरभर बोवाळतना पळयत राधाच्या तकलेंत होच विचार मोड कसो घुंवत आसलो. आबायचीं निमाणी उतरांय ताच्या कानार सादत आसलीं. हॉस्पिटलांत न्हिदिल्लेकडेन निमाण्या दिसांनी धुवेचो हात घट्ट धरीत आबाय दुखां गळयताली.

''बाय राधा, दोळे धापता आसताना म्हाकां एकच खंत आसा, म्हज्या दुंयेसा मुकार हांव तुज्या लग्नाचें चितपाकच पावलें ना. तुज्या माथ्यार तीळ-तांदूळ घालपाचें कर्तव्य म्हज्या हातान घडलें ना, आतां जेन्ना तुं घरांतल्यान लग्न जावन वतलें तेन्नाच म्हज्या आत्म्याक शांती मेळटली.''

आवय आपल्या लग्नाचें चितून खंतताली त्याच दिसांनी आपणे तिका विशालाविशीं सांगिल्लें जाल्यार आपुण तीस-एकतीस वर्सां मेरेन अशें लग्न जाय नासतना उरचें नासलें ही खंत राधाक आयज चडच सतोवपाक लागिल्ली.

वर्सभर आपली आनी आबाली खबर सुद्धां घेना जाल्यार जाता पुण वरसाक एकदां चवथीक तरी तीगुय पुतानी बायल भुरग्यांसयत येंवकच जाय असो आबायलो आदीं धेकच आसतालो. म्हयनो भर पयलीं ती राधाक तीगांय भावांक फोन लावन आवयन चवथीक आपयलां म्हणून सांगपाक लायताली आनी आवयच्याच दराऱ्यांत राधा तीगुय भावा-भावजांक रकाद पावयतालें. तीगुय पूत-सुनो व्हडलीं जोडकार, पुण आबायन केन्ना सणा-परबांक सुद्धां खर्चाखातीर तांचे कडल्यान एक पयसो मागून घेंव

नासलो. कोलेजींत कंत्राटी पद्धतीचेर लेक्चरर म्हणून लागिल्ल्या राधान घरसंवसाराक किदेंय खर्चीलें जाल्यार, 'तुगेलो पैसो तुकां तुगेल्या लग्नाउपरांत बऱ्याक पडतलो,' म्हणत पैश्यान पैसो हिशोब करून मोडलेले पैशे ती राधाक परत दिताली. सुटकेझुझारी म्हणून आबाक गोंय सरकाराचें आनी भारत सरकाराचें पेन्शन मेळतालें तें जेवणा-खाणाक, देव-देवस्पणाक, घराचे वर्सुकी देखभालीक माथ्या-बोडावयल्यान पुरो जातालें. गोयां भायर स्थायीक जाल्ल्या तीगुय भावांनी मेळून धा वर्सां आदीं आदलें मातयेचें घर मोडून माळयेचें लांब-रुंद घर बांदपाक पैशे खर्चील्ले तितलेच. तेन्ना घर बांधपाक पुतानी पैशे काडले खरे पुण घर कशें आसचें तें आबायनच थरयल्लें. तीगुय पुतांक वयले माळयेर एकाच सारख्यो तीन कुडी, सकयल रासवळ मान्ने, व्हडलो चौक, राधाक वेगळी आनी आबा-आबायक वेगळी कुड अशी मांडणी करून घेतिल्ली. फकत चवथीक येंव नाजाल्यार मदीं केन्नाय येंव, पुतांल्यो कुडी निवळ चकचकीत आसताल्यो. चौकांत गणपती पूजतात तेन्ना सगळें कुटुंब एकठांय आयलें काय घर सामकें कलकलून वतालें. भलायकी बरी उरं ना म्हणून पूत-सुनो आनी धुव परबेच्या दिसांनी आबायक कसलेंच तकालशीचें काम करपाक दिंय नासलीं, तरी नातरां मदीं वावुरतना तीका धादोसकाय भोगताली.

पुण स वर्सां आदीं म्हयनोभर हॉस्पिटलांत उरून आबाय देवागेर गेली तेन्नाच्यान ह्या घराची रयाच गेली. आबाय गेली आनी आबा मातसो थतर-वितर जालो. हॉस्पिटलांत व्हरचे पयलीं तीनेक म्हयने आबाय हाथारुणार उरलेली. आवयचें वायट काडपाक सुटी मेळना म्हणून राधान ती नोकरी सोडली खरी पुण आबाय फाटल्यान आबाची जाल्ली अवतीकाय पळोवन तिणे परत आनी नोकरी करपाचो विचारूच केलो ना. आबाय गेली तेन्ना राधाक पंचवीस वर्सां सोपलेलीं. धाकट्या पुता फाटल्यान धा वर्सानी जल्मल्ल्या आपले धुवेचेर आपणे एके तरेन अन्यायच केलो अशी खंत आबायक निमाण्या दिसांनी जाताली. आपलें दुयेंत निवळपाचें ना हें पयलींच कळीलें जाल्यार शिकता असतानाच राधाक लग्न करून वडोवपाक जातालें अशें आयिल्ल्या-गेल्ल्याक ती उलोवन दाखयताली आनी आपले धुवेक एक बरोसो भूरगो पळयात म्हणत दोळयांतल्यान दुखां काडताली.

बाराव्याक सगळीं जाणा जमलेलीं त्या दिसा आबायचीं निमणी उतरां सांगून आपल्या मनात जो भूरगो आसा ताचे विशीं बापायक-भावांक सांगचें अशें राधाक दिशिल्लें पुण त्या वातावरणात आपल्या लग्नाचो विशय काडप ताच्या मनाक पुटवलें ना. ते दिसा बापुय पुतां मदीं जायत्या विशयांचेर उलोवणे जालें. आबायच्या मरणाच्या वर्सा पयलीं राधालें लग्न करुया, सगळीं जाणा रोकडींच परत मेळूया अशें बी उलोवन सगळीं गेलीं. आतां आपणाल्या लग्नाचें थरोवपा खातीर सगळीं जमतलीं तेन्ना ताणी विचारचे पयलींच लजं नासताना विशालाची खबर सांगून वडोवप अशें राधा सदांच चिततालें, पुण ते वर्सा सावन चवथीक सुद्धां सगळें कुटुंब एकठांय अशें जालेंच ना. पयल्या वर्सा तीगुय पूत आयले पुण दोगा जाणालीं बायल-भुरगीं आयलीं नात, मागीर मागीर एक तरी पूत पावल्यार व्हडलें, अशी परिस्थिती जावपाक लागली. दरवर्सा आबा चवथीक आयिल्ल्या पुताकडेन आपले परीन राधाल्या लग्नाचो विशय काडटालो पुण 'सगळे जाण मेळटात तेन्नाच थरयल्लें बरें' अशें म्हणिल्ल्यान तो प्रश्न लांबायेर पडटालो.

२

आबाय फाटल्यान जाणट्या बापाय सयत सगळ्या घराची जापसालदारकी आपसूक राधाच्या माथ्यार पडली. आपणा खातीर आपली धुव आपलो फुडार सोडून कष्टता हें पळोवन आबाकय वायट दिसतालें. तीगुय पुतानी आवय बापायच्या कुस्तार बरें शिक्षण घेतलें, बऱ्यो बऱ्यो नोकऱ्यो हातासल्यो, भरपूर जोड केली, बायल-भूरग्यां वांगडा बरो संवसार केलो पुण भयणीक मात विसरले अशें म्हणत तोय बी केन्ना केन्ना वितरागतालो. राधाकय केन्ना केंनाय आपल्या भावांक आपलें पडूनच वचूं ना हें येवजून दुख जातालें पुण 'आबा, तुं पयलीं बरो जा, मागीर हांव परत शिर्विसेक वतां, एकदां नोकरेक लागलें काय बऱ्यो बऱ्यो सोयरीको येतल्यो' अशें सांगून तें ताका थातारपाचो यत्न करतालें.

स वरसांनी आयज सगळीं एकठांय येवपाक कारणय तशेंच जाल्लें. गांवच्या इस्कोलाक पन्नास वर्सां जातात म्हणून व्यवस्थापनान गांवच्या लोकांक घेवन नातलांचे सुटयेंत तीन दिसांचो सुवाळो दवरलेलो. त्याच सुवाळ्यांत आबाल्या पंचात्तरी निमतान खास सत्कार दवरलेलो. आबालो सुटके झुझांतलो वावर, गोंय स्वतंत्र जातगीर गावांत ही शाळा उक्ती करपाक काडलेले त्रास, सहकारी येवजणे खाला गावांत सुरु केल्ली दुध सोसायटी आनी नाटकां गाजोवपी एक कलाकार अश्या योगदानाखातीर सगळ्या गावान एकमतान हो सत्कार दवरलेलो. आबाय आसतनाय तशे आबाले जायते सत्कार जाल्ले, पुण सगळ्यांनी सत्काराक येवपाकच जाय असो आबायन केन्नाच आग्रो धरुं नासलो. हे खेपे मात 'बापायलो निमाणो गौरव पळयनशें दिसता जाल्यार सुटयेंत सगळ्यांक घेवन येयात' म्हणून आबानुच रकाद दिवपाक लायलो आनी दुयेंत बापायचो हुस्कोसो दिशिल्ल्यान मातशीं काचाबुलशीं जावन सगळीं जाणा घराकडेन जमलीं.

तशी फाटले कांय दिस आबाली मनस्थिती मातशी जाग्यार नासली. जेवणा खाणा वयली वान्सा ना जाल्ले भशेन एकएकदां तो ताटाक हात लेगीत लायं नासलो. खंयची वस्त खंय दवरल्या ती ताका एकएकदां याद जायं नासली. एकेकदां गरजेभायर निमतां करून तो राधाचेर बेजार जातालो जाल्यार खिणांत आपली चूक जाली म्हणत हात जोडून चुकय मागतालो. सत्काराच्या दिसा मात सुटयेच्या उमेदींत घरभर नाचतल्या नातरांक पळोवन आबाच्या डोळ्यांत उमेदिर्चीं दुकां आयलीं. ताका चलपाक त्रास जाताले तरीय तो एका जाग्यार बसं नासतना भूरग्यांभशेन हेवटेन तेवटेन पासयो मारीत आसलो. जाणटेपणात सत्कार जाता म्हणून आबा भुरकुटला म्हणत सगळ्यांनी आबार्चीं फकाणांय केलीं. सगळ्यांची सरबराय व्यवस्थीत जावची म्हणून राधान दोग वावराड्यो कामाक लायिल्ल्यो. राधान भूरग्यांवांगडा आबाकय खावापाक दिलें तेन्ना, बरी याद जाली, म्हणत तो उठलो आनी आपले कुडिंत वचून किदें तरी सोदपाक लागलो. बऱ्याच वेळान एक लखाटो हाडून ताणे मेजार दवरलो.

''बरें शिक्षण घेवन तुमी मोठ्या पगाराच्यो नोकऱ्यो करतात, बायल भूरग्यांसयत संवसारांत गुल्ल आसात, पुण आमची एक धाकटी भयण आजून लग्नाची उरल्या हें तुमी विसरूनच गेले. आयज जमल्यात मरे सगळे... सत्काराचें बरें आसा, पयलीं भयणीच्या लग्नाचें किदें तें थरयात.'' थरथरत्या आवाजांत आबान म्हणलें आनी लखाट्यांतल्यान एक जन्म-टिपण आनी न्हवरे-भूरग्याचो फोटो काडून मेजार दवरलो. रांदचे कुडींत आशिल्ल्या राधाच्या कानार हिं उतरां पडलीं तेन्ना ताच्या जिवाक मातशें बरें दिसलें. सत्काराच्या निमतान जरी बापायन सगळ्यांक आपोवपाक लायिल्लीं तरी आपणाल्या लग्नाचें उलोवणें जांवंक जाय होच ताचो मुखेल हेत आसलो अशें चितून राधाचे दोळे मातशे ओले जाले. बापुय

केन्नाय भायर सरता तेन्ना आपुण ताच्या वांगडा आसतांच, पुण हें टिपण–फोटो बापाय कडेन केन्ना आनी कोणे पावयलो तें आपणाक कशें कळळेना, हें तें चितपाक पडलें.

तिगय भावांनी आनी आनी वेळ काडलो ना. राधाक उलो मारून भूरगो पसंत आसल्यार सांग गो, फाल्यांच उलोवणी करुया म्हणून सांगलें तेन्ना ताचीं पावलां मातशीं जड जालीं. फोटो कुशीक दवरून विशालाची खबर सांगून मेकळें जावपच अशें ताणे थरयलें आनी सगळो धीर एकवटावन फोटवाक हात घातलो. फोटवाचेर नदर पडना फुडें ताचें आंग शिरशिरलें. ज्या विशालाचे यादीन तें इतलीं वर्सां चुरचुरतालें ताचीच आपणाक सोयरीक येतली अशें ताणे केन्ना चितुंकच नासलें. ताणे तकली हालयली आनी लजत रांदचे कुडींत धांव मारली. कोलेजींत आसताना बाकीची स्टाफ मेंबर ताका विशालावयल्यान चाळयतालीं ताची याद जाली आनी हासपाक आयलें. इतलीं वर्सां ताणे विशालाक एकदांय फोन लावं नासलो. ह्याच वर्सा ताका कायम नोकरी मेळल्या ही खबर ताच्या कानार पडिल्ली तेन्नासुद्धां फाटीं–फुडें जायत ताणे फोनाचेर फकत परबीं दिवपी मेसेज धाडिल्ली. विशालान 'थेंकू' म्हणत परती केल्ली जाप ताणे 'डिलीट' जावपाक दिंव नासली. तीच जाप सोदून ताका आतांच परत धाडची अशें ताका दिसलें.

'भुरगो आमगेल्या राधाक वळखता खंय, कायम नोकरी मेळतगीर लग्नाचें उतर घालतलो म्हणून रावील्लो खंय तो. ताणेच आमगेल्या भटाक मेळून हें टिपण आनी फोटो धाडून दिलां'.

बापुय पुतां मदीं चलतल्या उलोवपाचेर कान दिवन आशिल्ल्या राधान हीं उतरां आयकलीं तेन्ना ताणे मनांतल्यान विशालाक नमस्कार केलो. जें काम इतलीं वर्सां चवथीक जावपाक पावलें ना तें काम आबाल्या सत्काराा निमतान जालें हें येवजून ताचें हडडें भरून आयलें. अख्खो दिसभर घरांत उमेदीची सया भरून आसली.

३

सत्काराक घालपाक राधानच आबाखातीर नवे कपडे शिवून घेतिल्ले, काल्याक आबा हरदासाची भूमिका करतना घालतालो तसली टोपी आनी शेलो हाडून घेतिल्लो. पुराय कार्यावळभर आबा घरच्यां सयत फुडले वळींत बसून आसलो. सत्कारावेळार आबाक स्टेजीर व्हरून सिंहासनाचेर बसयलो तेन्ना तो सामको संभाजीच्या आवेसांत बसलो. आबाखातीर केल्ल्या मानपत्रांत ताच्या वावराची तोखणाय नकसूद उतरांनी केल्ली. एकएक उतर आयकतना आबा फाटल्या यादींत शेणिल्ले भशेन दिसपाक लागलो. शाल, श्रीफळ, फुलां, यादस्तीक दिवन आबाचो भोवमान केलो तेन्ना सगळ्यांनी उभे रावून ताळयो मारल्यो. आबान सत्कार मानून घेवपाचें भाषण करचें अशें सूत्रसंचालकान सुचयलें तेन्ना आबा उबो रावलो आनी म्हाकां जें सांगपाचें आसलें तें मानपत्रांत आयलां, हांव आनी कांयच सांगना, तुमकां देव बरें करुं, अशें म्हणत सकयल बसलो. पुण त्या सूत्रसंचालकान अती बुधवंतपणा केलीं. आबान जायत्या नाटकांनी तरातरांच्यो भूमिका केल्यात, आयज ताणी संभाजीचे भूमिकेतलीं दोन तरी वाक्यां म्हणून दाखोवचीं, अशें आबाक आदीं सुचय नासतानाच घोशीत करून मेकळो जालो. सगळ्यांनी ताळयो मारल्यो, सदचे भशेन आबा आतां एक खणखणीत भाशण करतलो अशें सगळ्यांक दिशिल्लें पुण आबा उठलोच ना. कितलोसोच वेळ दोळे माणून तो स्टेजीवयल्या लायटीकडेन पळयत रावलो. बापायची ती अवतीकाय पळोवन राधाक भिरांत दिसली, बेगांतलो थरमास घेवन तें स्टेजीर धावलें आनी आबाक

सावसीत करीत उदक पिवपाक दिलें. स्टेजीर आशिल्ल्यानी आबाक आधार दिवन सकयल देवयलो, तिगय पुतानी वेळ काडीं नासताना ताका गाडयेंत बसोवन समतोच हॉस्पिटलांत व्हेलो. बापायची अवतीकाय पळोवन राधा सामकें काचाबूल जाल्लें. घराच्यो चावयो भावजांकडेन दिवन ताणे कोणाले तरी स्कुटरिचेर बसून हॉस्पिटल गाठलें.

राधा हॉस्पिटलांत पावलें तेन्ना दोतोर आबाक तपासून, तीगय पुतांकडेन उलोवन भायर सरिल्लो. बेडार फाट तेकोवन बशिल्ल्या आबान दोनुय दोळे धापुन धरिल्ले. राधान दोन-तीन उले मारले तरी ताणे दोळे उघडले ना आनी तकलीय हालयली ना. आपले भाव चिंतेंतशे आसात तें पळोवन राधाक चड हुस्को जालो.

''बरो आसा खंय तो आतां, फाल्यां घरा धाडटा म्हणलां दोतोरान, तुं रावता मगो रातचें?'' व्हडल्या भावाच्या प्रश्नाक जाप दिवची अशें राधाक दिसलें ना.

''इतलीं वर्सां हांवच सांभाळटां आबाक, आबाय वेळार तर म्हयनो भर काडला हॉस्पिटलांत; आनी आयजची रात रावपाक किदें व्हडलेंशें'' अशी जाप दिवची अशें ताका दिशिल्लें, पुण तें वगीच रावलें.

''आबाक याद वचपाची पिडा सुरु जाल्या म्हण्टालो दोतोर, फुडें फुडें वाडत वचपाचें खंय तें'' एका भावान म्हणलें.

''हाता भायर पावलां खंय हें दुंयेस, लक्षणा दिसना फुडें उपाय सुरु जावपाक आसलो खंय, आतां आनी आबाक पातयेवपाचो ना, अशें म्हण्टालो दोतोर'' दुसरो भाव उलयलो.

''तुज्याय लक्षांत आयलें ना दिसता तें, न्ही गो?'' तिसऱ्या भावान ताका प्रश्न केलो तेन्ना राधाक रडपाक येताशें दिसपाक लागलें. आपणे मोठो गुन्याव केला आनी ताची ख्यास्त आपणे भोगुंकच जाय अशें भाव सुचयतात अशें ताका दिसलें.

''फाल्यां आबाक घरा व्हरतगीर पयलीं त्या भूरग्याक फोन करून राधाल्या लग्नाचें किदें जाता तें पळोवया, मागीर आबालें किदें करपाचें तें थरोवया.''

''निवळपाची शक्यताय आसल्यार तरी आमच्या वांगडा व्हरून किदेंय उपाय करपाक मेळटालो.''

''तशीं आतां डीमेंशीया, अलझायमर पेशंटांखातीर 'ट्रीटमेंट सेंटरां' चालू जाल्यांत अशें दोतोर म्हणटालो न्ही, ताकाच विचारून करुया किदें तें.''

''खंयच ना जाल्यार बऱ्या पोश अश्या वृद्धाश्रमांत नांव घालुया, पैशे कितलेय पडूं.''

आबाक तेकून बशिल्ल्या राधान खीणभर दोळे धापले. आबाच्या हुस्क्यान, अलझायमर आनी डीमेंशीया संबंधान आपणे जें जें वाचलां तातुंतल्यान आबाच्या वाट्याक फुडारांत कसले भोगणार येवपाचे आसात ताचें एक चित्र ताच्या दोळ्यांमुकार नाचून गेलें.

निरशेल्ल्या मनान ताणे मोबायल हातांत घेतलो, इतले दिस जीव कसो सांभाळून दवरिल्ली विशालाली 'थेंक्यू' मेसेज जड अंतस्करणान काडून वडयली आनी ' तुजे कडेन लग्न जावपाचें भाग्य ह्या जन्मांत म्हज्या नशिबांत ना, सॉरी' अशीं उतरां टायप केलीं.

विशालाक आपल्या जीवितांतल्यान डिलीट करपी 'सेंड' बटन दामून धरतना राधान दोळे गच्च बंद केले.

❑

बोक्रो...!

प्रसन्न निडोडी

तो एक चामार... दलीत वर्गाक सेर्वाल्लो चामड्याचें काम कर्न पोट भर्चो... जोपड्यापरीं आसल्ल्या, चार पाय घालन उभें केल्ल्या त्या ल्हानश्या गुडा सार्क्या गुडसुलांत एकलोच्च रावता. आपल्या पोटाक जाय पुर्तें तो जोडता, लोकांच्यो पन्र्यो व्हाणो, बूट, बेगां, पन्र्यो सतऱ्यो इत्यादी रिपेरी करून या थोड्यो चामड्याच्यो नव्यो व्हाणो बांदून विकून दीस सर्ता. ताचीं आवय बापय थोड्या वर्सां पुर्वीं जाल्ल्या हिंदू मुसलीम गलाट्यांत अंतरलेलीं. अंतरलेलीं म्हणच्याकी जळोन मेल्लीं म्हणचें संपे! तांचो एकलोच पूत 'नितीन बार्गे' असलें अनाहूत घडतना सुमार सत्रा वर्सांचो युवक. ताका त्या घडिताचो विवर सर्व कळीत आसल्लो तरी आवय-बापयन दिल्ल्या देकी वर्वीं सर्व तो विस्रोंक प्रयत्न करून आसल्लो. आदलीं घडितां मतीक येनाशें तो पळेवन आसल्लो. तीं दलीत, चामार जातिचीं जाल्ल्यान सर्काराा थावन नितीन बार्गेक, हें ल्हानशें जोपडें लाभल्लें त्या रसत्याच्या बगलेक. ल्हान एक पत्रें आनी प्लासटिकान धांपून सजवन दवरल्ल्या त्या जोपड्यांत तो लोकांच्यो व्हाणो, बेगां, सतऱ्यो रिपेरी कर्तालो मात्र न्हय, त्याच्च ल्हानश्या जाग्यार रावतालो, रांदतालो आनी जेवतालो. आपल्या बापूय थावन ही पूर्वजांची 'चामाराची वृत्ती' ताका लाभल्ली!

त्या धर्मांच्या गलाट्याक सुर्वात जाल्ली एका ल्हानश्या घडिता थावन! पूण दोन समुदायां मधें किटाळां पेटोन लागल्लो उजो भयंकर जावन सगळ्या बसतेंत विसतारलोलो. त्या व्हड शेराच्या कोनश्याक दुबळे दलीत वर्गाचे आनी मुसलीम लोक ल्हान ल्हान जोपडीं बांदून वसती कर्ताले. सुमार वीस पंचवीस वर्सां हेवशीन थावन ती वसती वाडात येताली. एका कुशीक दलीत जोपडीं तर आन्येका

कुशीक मुसलीम लोकाचीं जोपडी आसल्लीं. दलितांच्या बसतेक रिगच्या जाग्यार आपल्या राषट्रीय नेताची मूर्ती दवरून ताका सोभीत काटें बांदून सदां पुजा करून फुलां दवरून येता वेताना मान बागवन मऱ्याद दितालीं. त्या एका दिसा फांत्यार ती मूर्ती धुवंक म्हण आयिल्ल्या व्यक्तीक त्या मूर्ती वयर व्हाणांचो हार आसल्लो दिसलो. कितेंच चिंतच्या पयलेंच ताच्या मतींत द्वेशाचें किटाळ रोंबलें आनी एकाचफरा बोबाटून जोपड्यांतल्या हेर निवाशिंक उटयलें. आसपास आसल्लो लोक एकटांय जातना नांनांत्यो खबरो आनी वाक्मूलां विसतारोन, सूऱ्यो उदेवन येंवच्या पयलें कोणेंगी कुशीन आसल्ल्या मुसलीम जोपड्याक उजो लागवन जाल्लो! हो उजो मुसलीम लोकाक दाव दिताना किटाळा वयर किटाळ चडोन कुशिच्या दलीत जोपड्यांकय विसतारोन जाल्लो! आतां उज्याचीं किटां वारयार सांगात दिताना दलितांची आनी मुसलिमांची जोपडीं उज्या दावेक भस्म जावन येतालीं. थोडे उजो पालववंक प्रयत्न कर्ताना दुस्रे आपल्या आपल्या जोपड्यांतलों समान घेवन बोब मारून आपल्या कुटमांक घेवन पोळोंक प्रयत्न कर्तालो. हो गलाटो आतां दोन धर्मांचो जाल्लो आनी भरान सगळ्या शहराक विसतारलो. राजकीय नेता आतां फायदो उटवंक लागले. सगळ्या शेरांत हिंदू-मुसलिमां मधें झगडें विसतारलां म्हळ्ळी खबर भरान वारयार प्रासार जाली. होच आयिन्न वेळ सोदून आसल्ल्या राजकारणिंक एक नीब लाभल्लें. आनी ह्या वाडच्या द्वेशांत दोन समुदाय बली जाल्ले आनी तांची जोपडीं नास जाल्लीं!

उजो उणो जावन येताना एकाएक राजकीय नेता आन्येक किटाळ लागवन वेतालो आशें चार दीस उसकोन उसकोन येंवच्या कठीण उज्यांत हजार जोपड्यां सवें बार्गेचें जोपडेंयी नास जाल्लें मात्र न्हय नितिनांची आवय-बापय जोपड्यांतच उज्याक बली जाल्लीं. उजो पालववंक म्हण हेर मनशां मधें मेतेर जाल्ल्या नितिनाक सांज जाताना आपल्या आवय-बापयच्यो कर्पोन गेल्ल्यो, विद्रूप, वळक मेळनातल्यो कूडी मात्र सांपडल्ल्यो! दोन दिसांच्या उज्या आगट्यांत दोन समुदायांची जोपडीं धर्णीं समान जाल्लीं! आतां दोनी समुदायांचे नेता एक-दूसऱ्याचेर आपराध मांडून द्वेश भरल्लीं वाक्मूलां दीवन आपापलें नांव जोडुंक संदर्भ सोदून आसल्ले. आनी अकेरीक सर्कारान हर पाडतिच्या नेतांच्या दबावान कशें तरी चार वर्सां उपरांत तांची जोपडीं परत बांदुंक पर्वणगी मेळाशी केल्ली. आनी आशें नितीन बार्गेक त्या रसत्या देगेर एक ल्हानशें जोपडें मेळल्लें. आनी तो थंयसर आपल्या पोटा ग्रासाक आपल्या बापयन शिकयलेली वृत्ती मुंदर्सुंक लागलो.

त्या दिसांनी धर्मा मधें केल्लो घाय आजून राजकीय नेता केन्ना केन्ना तांचा स्वार्थाक उसकयताले, विवीध थरांची वाक्मुलां दीवन! आज, नितीन सुमार २६ वर्सांचो दिंडो, कालेतीन सावळो, उलवण्यांत चुरूक, सादो भोळो तर्नाटो. सात्वी पऱ्यांत लागसिल्या सर्कारी लसकोलांत शिकोन उपरांत बापय सांगाता कुटमाची वृत्ती मुकार वरुंक बापयच्या उत्रांक मान दीवन ताका कुमोक करुंक लागल्लो. सवकास चामाराची वृत्ती तसेंच ल्हान ल्हान हेर कामां शिकोन, बापयक आदार जाताना आचानक घडल्ल्या आनाहुताक गवाय तो जाल्लो. आपल्या बापय सार्को खाल्तो आनी मोगाळी तो जाल्ल्यान ह्या ताच्या साद्या व्यक्तित्वान ताका सर्वांक वळकिचो केल्लो. कोणाचीं स्लिप्परां तुटलीं, बूट या ब्याग पिंजले, व्हाणो कुडके जाल्यो, सत्री मोडली; सर्व समस्यांक परिहार तो दितालो!

***

राज्याच्या विधान सभा एलिसांवाचो वेळ तो. त्या शेरांत सभार चुनाव शेतां आसल्लीं आनी नितीन रांवच्या चुनाव क्षेत्रांत दोग प्रमूख पक्षेचे राजकारणी एकामेकाच्या दुस्मान पाडतिचे, तरी दोगी नामणेच्या

राजकीय पाडतिचे एलिसांवांक उभे रावल्ले. त्या शिवाय आनीक पांच जण 'स्वतंत्र हुमेद्वार' जावन एलिसांवाक त्या परिसरांत विंचवणेक रावल्ले. एलिसांवा वेळार त्या पेंटे सुत्तुरांत नितिनाची गुडा-अंगड एक प्रमूख 'सेंटर'! चडावत राजकीय पाडतिचे हुमेद्वार ताचा गुडसुलांत तांच्यो एलिसांवाक जाय त्यो वसतू एकटांय करून दवरुंक आनी शेराच्या कोनश्यांनी थंय हांगा काडतिलांगी, बेनरांगी, वांटुंक आनी लावंक ताका वापार्ताले. तोय चार पयसे मेळताले जाल्ल्यान ना म्हणानातलो. ताचें तें ल्हानशें झोपडें, प्रमूख दोनी राजकीय पाडतिच्याचीं कडतिलां, बेनारां आनी इत्यादी दवर्चें 'गोडावन' जाल्लें! एलिसांवा वेळार ताका व्हाणो या लतर वसतू रिपेर करुंक पावट नातलो, कित्याक राजकीय पाडतिच्या हुमेद्वारांचीं कामां आसतालीं. हरयेका एलिसांवाच्या वेळार चार कास ताच्या बोल्सानीं खेळताले!

ह्या ताचा निस्वार्थी सेवे वर्वीं सर्वांक तो मोगाचो जाल्लो. दोन प्रमूख राजकीय पाडती मधें दुस्मानकाय आसोन थोडे कच्चाट जाताले तरी नितीन ह्या सर्व कच्चाटांत मेतेर जायनातलो. आपणाक दिल्ल्या हिशारांक तो सय घालून काम कर्तालो. आशें जावन दोनी राजकीय पाडतिंक नितिनाचें गुडसूल वापरुंक अडचण म्हण भगानातली. एकलोच्च तो जाल्ल्यान ताका वेळाची जांव या आपल्या कोणायची पर्वणगी घेंवची गर्ज नातली.

सप्टेंबर महिन्याचे सुर्विले दीस जाल्ल्यान थोडो बिरी बिरी पावस आचानक पडतालो. भरान एलिसांवाचो प्रसारयी चलोन आसल्लो. त्या दीस काळोक पडताच शेरांत थंय हांगा काडतिलां, बेनरां लावन, पुरसाण जाल्ल्यान, पोटाची भूक थांबवंक स्टव जळोवन रांदप कर्तां कर्तां, दोन विसकेचे पेग्ग मारून, जेवाण तयार जातेच्च जेवन नीदल्लोच निद्रा देवीन ताका वेंगल्लो. बिरी बिरी कर्न सुरू जाल्लो पावस घडघड्याच्या आवाजाक भरान वोतोंक लागलो. ताच्या त्या झोपड्यांत पावसा थेंबे भितर पोवोंक लागल्ले, ह्या वर्वी ताची नीद धांवल्ली विसकेचें आमाल पिर्वाल्लें! तीन चार जाग्यानीं हांडी आनी बोसी दवरून, पावसा थेंब्यांक धर्णीर फासळनाशें चत्राय करून आसल्लो. ह्या पावसाच्या मधें जोरान मार्चें जगलाणे आनी कान फुटंवच्या आवाजान येंवचो घडघडो ताका करंदाय दितालो. पूण प्रकृतिच्या प्रकोपा मुकार ताका कितें करुंक जाता? आनी फुडें कितेंय चिंतच्या पयलें 'धडल्ल' करून भरान आयिल्लो घडघडो ताच्या झोपड्यार पडोन जाल्लो!, आनी ताचें झोपडें उज्याच्या किटाळानीं भस्म जावंक वेळ गेलोना. ताची एक किंक्राट मात्र त्या शेराच्या परिसरांत घडघड्याच्या आवाजा मधें वीलीन जाली! झोपड्या सांगाता नितीन आनी भितर भरलेल्यो वसतू सगळ्योच सांगाता भस्म जावन गेल्यो. प्रकृतेन आपलो पात्र खेळोन जाल्लो! शिरांदरीन वोतच्या पावसान सवकास उज्याक तांबेत घेतल्लो तरी, आतां भस्म जाल्ल्या झोपड्याच्या गोबराक पावसा रायान झोंपाय मारून वोडून वेल्लें, पूण रुकाड जळोन पडल्ल्या इंगळ्यां सार्कें जळोन काळें जाल्लें नितिनाचें निर्जीव शरीर मात्र म्हेळ्या पावसा उदकाच्या किरेंचीं मधें उटोन दिसतालें!

दूसऱ्या साकाळीं नितिनाच्या त्या भस्मोन गेल्ल्या झोपड्या मुकार लोकाची खेट भरल्ली. जमल्लो लोक सगळो अजाप जावन ''कसलें देवाचें घडीत हें, निरापराधीक बली करून गेलें...'' म्हणतालो शिवाय कितेंच करुंक सकानातलो. तेणेंतल्यान आशार पाशार जांवच्या लोकाक, धर्णी समान जाल्ल्या नितिनाच्या तीर तिर्कोट जावन पडल्ल्या झोपड्याची आवस्था पळेवन आंग काडचें धृश्य तें जाल्लें. जमो जाल्ल्या थोड्या मानायानीं त्या परिसरंतल्या मुन्सिपालिटी धसराक फोन करून ही खबर तिळसिल्ली. थोड्याच घडियानीं ही खबर त्या परिसरंत तशें शेरांत विसतारली. डिजिटल माध्यमां भरान काऱ्यगत जाल्लीं. राजकीय पाडतिच्या नेतांक, काऱ्याकर्तांक ह्या आचानक घडल्ल्या अवगडाची खबर आदिंच

पावल्ली. पूण, कोणेंच ह्या विशीं गुमान दिलेंच ना. ''नितिनान राजकीय पाडतीं खातीर कर्च्या कामांक तांचे थावन बर्पूर सहाय मेळतोलो आनी मुकार करुंक आसच्या नितिनाच्या अंतीम संसकाराक धांवोन येतेले, आनी ताका मानाची शृद्धांजली आर्पितेले,'' म्हण राकोन आसल्ल्या लोकाक फकत निराशाच लाभली. एलिसांवाचे तयारेंत मग्न जाल्ले दोनी प्रमूख पाडतिचें नेता जांव तांचे काऱ्याकर्त जांव कोण्ंच त्या सुत्तुराक आयलेनांत. प्रसतूत एम एल ए-न आशे जवाब दिली, ''हो एक सामान्य व्यक्ती आमचें इल्लें काम कर्तालो व्हय, आनी त्या कामाक ताचें देवें आमीं दितांव. त्या भायर तो एकलोच आसा. ह्या एलिसांवांच्या कामांत हांव व्यसत आसां, ताच्या प्रास म्हजें पाडतिचें काम प्रमूख,'' आनी अपल्याच कामांनी मग्न जावन रावलो! काल्च्या रातीं पऱ्यांत तांका जाय जाल्लो नितीन आज तांका गर्ज आसचो व्यक्ती म्हण दिसलोना!

थोड्याच वेळान शेरांतल्या अग्री शमन दळाचे कार्मचारी थंयसर पावल्ले. पूण जळोन 'धर्ण समा जाल्लें झोपडे' आनी भस्म जावन पडल्लो 'चुनावी बेनरां आनी पेपरांचो गोबोर' आनी त्या मधें 'गोबरांत उटोन दिसचें नितिनाचें जळोन गेल्लें निर्जीव शरीर' मात्र आसलें! मुन्सिपालिटिच्या कार्मचारिंनी ताचें तें जळल्लें शरीर आरावन अंबुलेन्सार घालून सर्कारी अस्पत्रेक वावयलें पोसट मोर्टम कर्च्याक! त्या मधें बिरी बिरी येंवच्या पावसाक लोकाचो जमो वाडल्लो, गुसू गुसू उलयतालो. थोडे ताची भिर्मत उचार्तालि तर, थोडे ''झोपड्यांत जमो केल्ल्या चुनावाच्या वसतूं वर्वीं इतलें भयंकर आवगड जालें'' म्हणतालो. ''ह्या भयंकर उज्याक कोण जवाब्दार? आदलो एम एल ए या चुनावाक रावल्लो विरोधी नेता?'' लोक एकामेकालागीं संवाद करून रावल्लो. पूण ह्या वेळार नितिनाच्या हरयेका वावराक लालेंवचे राजकारणीं जांव, तांचे काऱ्याकर्त जांव कोणी त्या वठारांत दिसलेनांत!

मुकल्या रसत्यार एक वाहन व्हड आवाज करून धांवतालें, ''हरयेका तुमच्या गर्जांक पांवची पाडत आमचीं, वोट फोर अपना पार्टी...!!''

❑

यादी आनी अस्मितायेचो नकासो : ॲनी एर्नोचें परिवर्तनात्मक साहित्य

शैलेन्द्र मेहता

ॲनी एर्नो ही समकालीन फ्रेंच साहित्यांतली एक मौलिक व्यक्ती. वैयक्तीक आनी सामुहीक स्मृती, समाजीक वर्ग आनी बायलांच्या अणभवांनी खोलायेन पावपी आपल्या बळिश्ट आनी अंतर्निरीक्षणात्मक कृतीं खातीर तिची नामना आसा. साहित्यांत नोबॅल पुरस्कार मेळोवपी एर्नो ही पयली फ्रेंच बायल. चड करून आत्मचरित्रात्मक स्वरुपाचे तिचे बरपावळीक प्रामाणीकपण, भावनिक खोलाय आनी समाजशास्त्रीय अंतर्दीश्टी खातीर सगळेकडेन तोखणाय मेळ्ळ्या. तिच्या वावरांतल्यान फ्रांसांतली तीव्र समाजीक असमानताय, भावनिकता वा सनसनाटीपण नासतना उक्ती जाता. मुखेलपणान पयले व्यक्तींत सरळ शैलींत बरयल्ल्या तिच्या पुस्तकांनी तिच्या वाचप्यांकडेन आत्मीयताय निर्माण केल्या. एर्नोन 1970 च्या दसकाच्या मध्याक आपली साहित्यीक कारकीर्द सुरू केली. 1974 वर्सा तिची पयली कादंबरी लिझार्मोस व्हिदे (इंग्लिशींत 'क्लीनड आवट') उजवाडाक हाडली. तिच्या उपरांतच्या पुस्तकांवरवीं फ्रेंच साहित्यांतलो एक मुखेल आवाज म्हूण तिची नामना घट्ट जाल्या.

याद आनी अस्मिताय :

एर्नोच्या साहित्यांत जायते परत परत येवपी विशय आसात, दरेक विशय वैयक्तीक आनी समाजीक प्रस्नां कडेन तिची खोलायेन संलग्नताय दाखयता. याद हो एक केंद्रीय विशय. यादी अस्मितायेक कशो

आकार दितात आनी काळाच्या प्रवासांत आमच्यो भूतकाळा विशींच्यो धारणा कशो बदलतात हाचे कडेन तिचें बरप खूबदां झगडटा. देखीक– 'लेज आन्यी' (इंग्लिशींत: द इयर्स) हे कादंबरींत एर्नोन तिसऱ्या मनशाच्या कथनाचो वापर केल्ल्यान तिच्या यादीं कडल्यान पयस रावपाचें काम करता, जाका लागून तिका तांचेर व्यापक, चड वस्तुनिश्ठ नदरेन विचार करपाक मेळटा.

एर्नोन स्मृतीचो सोद घेतना दिसपट्टे जिणेच्या तपशीलांचेर लक्ष दिल्ल्यानय स्पश्ट जाता. सामुहीकपणान साबार अणभवांचो गालिचो विणपी ल्हान ल्हान, ल्हान दिसपी खिणांचें ती बारीकसाणीन दस्तावेजीकरण करता, काळाच्या प्रवाहांतल्यान ह्यो यादी सांबाळपाचें म्हत्व सांगता. एर्नोचे बरपावळींत चड करून स्मृतीचे रचणुकेच्या स्वरुपाचेर भर दिला. फाटल्या घडणुकांची वस्तुनिश्ठ नोंद म्हूण स्मृतीचे कल्पनेक ती आव्हान दिता, ताचे बदला ती वैयक्तीक नदरेन आनी संस्कृतीक प्रभावांनी आकारिल्ली एक गतीशील प्रक्रिया म्हूण चित्रीत करता. एर्नोच्या स्मृतीविशींच्या संशोधनाचो अस्मिताय आनी स्वताच्या प्रस्नांकडेन लागींचो संबंद आसा. आमी कोण आनी आमी हेरां कडेन कशे संबंद दवरतात हांकां स्मृती कशी आकार दिता हाचेर ती चिंतन करता, वैयक्तीक कथन व्यापक समाजीक कथनां कडेन कशे तरेन खंडीत जाता हाचेर भर दिता.

काळ हो एर्नोच्या साहित्यांतलो एक परत परत येवपी मोटिफ. इतिहासाच्या अनिवार्य प्रवाहाचें आनी वैयक्तीक अणभवाच्या स्थलांतरीत आकृतीबंधाचें तें प्रतीक. काळाप्रमाणें येवपी विसंगती आनी वेगळेंपण उतरांनी धरपाखातीर ती एक विखंडीत कथात्मक शैली वापरता, स्मृतीच्या विखंडीत स्वरुपाचेर आनी भूतकाळाच्या दुर्लक्षीत स्वरुपाचेर भर दिता.

'ला प्लास' (इंग्लिशींत : अ मॅन्स प्लेस) आनी 'उन फाम' (इंग्लिशींत : अ वुमन्स स्टोरी) ह्या सारक्या कृतींअॅनी एर्नोन समाजीक वर्ग, लिंग आनी कुटुंबीक इतिहास हांचेर वैयक्तीक अस्मिताय कशे तरेन परिणाम जाता हाची तपासणी केल्या. कामगार कुटुंबांतल्या स्वताच्या वाडपाक लागून आनी समाजीक संबंदांक लागून तिचे स्वताचे भावनेक कशे तरेन आकार मेळ्ळो हाचेर ती चिंतन करता. एर्नो आपल्या प्रामाणीक आनी अंतर्निरीक्षणी कथना वरवीं वाचप्यांक तांच्या स्वताच्या यादींचेर आनी अस्मितायेचेर चिंतन करपाक लायता, मनशाच्या अणभवाच्यो किचकटी खोलायेन समजून घेवपाक प्रेरीत करता.

सामूहिक स्मृती आनी संस्कृतीक इतिहास :

एर्नोचें बरप सामूहिक स्मृती आनी संस्कृतीक इतिहास हांचेरुय उजवाड घालता. सामूहिक कथनांतल्यान आमच्या भूतकाळाची समजूत आनी आमच्या स्वताच्या भावनेक कसो आकार मेळटा हाचो अभ्यास करता. राश्ट्रीय घडणुको आनी संस्कृतीक घडणुको वैयक्तीक अणभवाक कशे तरेन घुस्पतात हाचेर ती चिंतन करता आनी वैयक्तीक जिवीत व्हडल्या इतिहासीक संदर्भांत कशे तरेन गुंथता हाचेर भर दिता. देखीक : 'लेज आन्यी' ह्या पुस्तकांत ती आपल्या जिवित काळांत फ्रांसांत जाल्ल्या समाजीक आनी संस्कृतीक बदलांचेर चिंतन करता. राजकी घडणुकांचो, तंत्रीक उदरगतीचो आनी समाजीक वृत्तींतल्या बदलांचो वैयक्तीक जिणेचेर जावपी परिणाम ती चित्रित करता आनी सामुहीक स्मृती वैयक्तीक अस्मितायेक कशी आकार दिता हाचेर भर दिता.

समाजीक वर्ग आनी गमनशीलताय (mobility) हेय एर्नोच्या वावरांतले परत परत येवपी विशय.

कामगार वर्गांत वाडून शिक्षणा की लागून मध्यमवर्गांत वचपाच्या तिच्या स्वताच्या अणभवांचें पडबिंब ती दाखयता. 'ला प्लास' आनी 'उन फाम' ह्या पुस्तकांनी एर्नो आपल्या आवय-बापायच्या जिविताचेर समाजीक वर्गाचो परिणाम आनी स्वताच्या अस्मिताय भावनेचेर गमनशीलताय कितलो परिणाम करता हाची तपासणी करता. समाजीक हालचालींतल्यान निर्माण जावपी तणाव आनी संघर्श हातूंत परकीपण आनी अपराधीपण हांची भावना हांचो आस्पाव जाता. ताचेर तिच्या कृतींनी भर दिला. एर्नोन समाजीक वर्गाचें बारीकसाणीन चित्रण केल्ल्यान वेगवेगळ्या समाजीक थरांतल्या शिमेंतल्यान वचपी व्यक्तींच्या जियेल्ल्या अणभवांची मोलादीक म्हायती मेळटा.

समाजीक विशमता आनी संरचनात्मक आडमेळीं :

तिच्यो कादंबऱ्यो समाजीक वर्ग आनी गमनशीलताय हे घटक वैयक्तीक अस्मितायेक आकार दिवन जिणेविशीच्या दिश्टीकोनाचेर कसो परिणाम करतात हाचो अभ्यास करता. सुरवेच्या आत्मचरित्रात्मक कादंबरी सावन उपरांतच्या समाजशास्त्रीय विचारांमेरेन हे स्पश्टपणान दिसता. फ्रांसाच्या गांवगिऱ्या वाठारांतल्या कामगार कुटुंबांत जल्मल्ले एर्नोन आपल्या समाजीक अर्थीक स्थितीकडेन संबंदीत आशिल्ल्यो अडचणी आनी संदी स्वता अणभवल्ल्यो. अर्थीक अडचणी आनी समाजीक विशमता हांचें खर चित्रण 'ल प्लास' ह्या सारक्या कृतींनी दिसता.

समाजीक हालचालीचे केंद्रीय घटक म्हूण संस्कृतीक भांडवलाची मान्यताय आनी तें भांडवल हातासापाच्या सोदांत एर्नोचें साहित्य खोलायेन वता. समाजीक क्रमवारींत मार्गदर्शन करपाक आनी समाजीक दर्जो मेळोवपाक शिक्षण, भास आनी संस्कृतीक गिन्यानाची भुमिका कितें आसा हाची ती चवकशी करता. देखीक, 'ला प्लेस' ह्या पुस्तकांत ती उच्च शिक्षणाच्या जाग्यार कामगार वर्गाची फाटभूंय आशिल्ली विद्यार्थी म्हूण स्वताच्या अणभवांचेर चिंतन करता. समाजीक हालचालीक आडमेळीं हाडपी सांस्कृतीक आडमेळीं उजवाडावन मध्यमवर्गीय परिवेशाचे नेम आनी मुल्यां हांचेआड उबी रावतना ती परकीपण आनी आत्मसंशय ह्या भावनां कडेन झगडटा. 'ले आर्मोयरे व्हिदे' (क्लीनड आवट) हे कादंबरींत तिणें आपल्याच आवय-बापायच्यो अर्थीक अडचणी आनी आपल्या कुटुंबाच्यो गरजो पुराय करपा खातीर केल्ल्या संघर्शाचेर चिंतन करता. 'ले एनीज' (द इयर्स) ह्या पुस्तकांत एर्नो फ्रेंच समाजांतले वर्ग आनी खासा अधिकार हांच्या तिगपी विसंगतीचेर चिंतन करता, वसाहतवाद, पितृसत्ताक आनी भांडवलशायेच्या इतिहासीक दायजांनी समकालीन समाजीक संबंदांक कशे तरेन आकार दिवप चालू दवरतात हाचो ती सोद लायता.

नारीवाद आनी बायल अणभव:

एर्नोचें साहित्य खोलायेन नारीवादी. तातूंत पितृसत्ताक समाजांतल्या बायल अणभवाच्या किचकटींचो अभ्यास केला. गर्भपात, आवयपण आनी जाण्टेपण हांचेविशींच्या स्वताच्या अणभवांचेर तिणें केल्लीं स्पश्ट विवरणां समाजीक नेमांक आव्हान दितात आनी बायलांचें कुडीचें आनी जिणेचें नियंत्रण कशें ली 'लीविनिमाँ' ह्या पुस्तकांत एर्नोन तिच्या गर्भपाताचे केल्लें अविचल चित्रण वैयक्तीक गवाय आनी राजकी विधान अशें दोनूय प्रकारचें आसून, प्रजनन हक्कांचें म्हत्व आनी बायलांक स्वताचे कुडीचेर नियंत्रण दवरपाची गरज उक्तायल्या. तेच प्रमाणें 'उना फाम' हे कादंबरींत तिच्या आवयच्या

जिविताचो सोद घेवन कुटुंबीक जापसालदारक्यो आनी वैयक्तीक आकांक्षा हांचे मदीं समतोल दवरपाक बायलांक मेळपी आव्हानांचेर भर दिला.

नारीवाद आनी बायल अणभव हांचो खोलायेन अभ्यास करून आपल्या आत्मचरित्रात्मक कथनांतल्यान आनी समाजशास्त्रीय चिंतनांतल्यान एर्नो बायलांची अस्मिताय आनी जियेल्ल्या अणभवांक आकार दिवपी समाजीक नेम आनी अपेक्षांची विस्कटावणी करता. पितृसत्ताक नेम आनी अपेक्षांचेर स्पश्ट आनी अविचल टीका करप हें एर्नोच्या साहित्याचें आनीक एक खाशेलपण. पारंपारीक लिंगीक भुमिका आनी अपेक्षां प्रमाण बायलांचें समाजीकीकरण करपाचे पद्दतीचेर अभ्यास करून, हे नेम बायलांच्या स्वायत्ततेचेर कशे तरेन मर्यादा घालतात हाचेर भर दिता.

बायलांची अस्मिताय आवय आनी जतनाय घेवपी म्हूण केल्ले भुमिकेक लागून कशी घडटा हाचेर विचार करून सगळ्यां परस चड आवयपणाक प्राधान्य दिवपा खातीर बायलांचेर समाजीक अपेक्षा आनी दबाव हाडपाची ती चवकशी करता. ह्यो अपेक्षा बायलांच्या वैयक्तीक आनी वेवसायीक आकांक्षांक कितल्या मार्गांनी मर्यादा घालूंक शकतात हाचेर भर दिता.

प्रजनन हक्क आनी कुडीची स्वायत्तता ह्या प्रस्नांकडेन तिची बरपावळ खोलायेन गुंथिल्ली आसून, बायलांक स्वताचे कुडीचेर नियंत्रण दवरपाचो आनी प्रजनन भलायकेविशीं निवड करपाच्या हक्काचो पुरस्कार केला. बायलांक गर्भनिरोधक, गर्भपात आनी प्रजनन भलायकी सेवा मेळपाक मर्यादा घालपी समाजीक नेम आनी संरचनेची ती चवकशी करता आनी हे निर्बंध बायलांची स्वायत्तताय आनी स्वातंत्र्याचेर कशे तरेन आडमेळीं हाडटात हाचेर भर दिता. 1960 च्या दसकांत फ्रांसांत बेकायदेशीर गर्भपात करपाक सोदपाच्या स्वताच्या अणभवांचेर ती 'लीविनिमाँ'त विस्तारान चिंतन करता. त्या काळांत गर्भपात गुन्यांव थारतालो. गर्भपाता भोंवतणच्या कलंक आनी लजेची चवकशी करून बायलांच्या प्रजनन निवडीचेर पितृसत्ताक संरचने कडल्यान पुलीस आनी राजकी यंत्रणेकडल्यान कशे तरेन नियंत्रण जाता हाचेर भर दिता.

शैली आनी कथन तंत्र:

स्पश्टताय, सुक्ष्मताय आनी भावनिक तीव्रता हे एर्नोचे बरपावळीचे खाशेले गुण. तिचे शैलीचें वर्णन चड करून किमानवादी अशें करतात. तातूंत सादे, अलंकृत भाशेचेर लक्ष केंद्रीत केलां, जी जटिल भावना आनी विचार उण्या उतरांनी सांगता. आत्मचरित्र आनी कल्पना साहित्य हांचे घटक मेळून तयार केल्ल्या आत्मकथा ह्या प्रकारांतल्यो तिच्यो कृती तिच्या स्वताच्या जिविताच्या अणभवांतल्यान आयल्यात, पूण तथ्य आनी कल्पना हांचे मदली मर्यादा धूसर करपी कथात्मक तंत्रां तिणें वापरल्यांत. हे पद्दतीन तिका स्मृतीचो व्यक्तिपरक स्वभाव आनी वैयक्तीक कथन तयार करपाच्यो पद्दती सोदून काडपाक मेळटा.

खास करून 'ले एनीज' ह्या पुस्तकांत एर्नोन तिसरे व्यक्तीच्या कथनाचो केल्लो वापर लक्षांत घेवपासारको. ह्या तंत्राक लागून विरक्तताय आनी वस्तुनिश्ठतायेची भावना निर्माण जाता, देखून एर्नोक पयसुल्ल्यान स्वताच्या जिविताचेर चिंतन करपाक मेळटा. अवैयक्तिक नदरेक लागून तिणें वर्णन केल्ल्या अणभवांच्या सामुहीक स्वरुपाक वैयक्तीक आनी समाजीक इतिहासाच्या परस्पर संबंदाचो संदर्भ मेळटा. तिची समाजशास्त्रांतली फाटभूंय तिचे बरपावळींत दिसता. तातूंत चड करून समाजशास्त्रीय विश्लेशण

आनी समिक्षेचो आस्पाव जाता. साहित्यांतलें योगदान तिच्या कथात्मक नवनिर्माणा परस आनी विशयीक संशोधनापरस चड आसा. तिच्या वावराक लागून समकालीन फ्रेंच साहित्याचेर व्हड परिणाम जाला आनी संवसारभरांतल्या लेखक आनी अभ्यासकांचेर ताचो प्रभाव पडला. तिच्या प्रामाणीक आनी अंतर्निरीक्षण शैलीन नवे पिळगेच्या लेखकांक वैयक्तीक आनी सामुहीक इतिहासाक अभिनव रितीन गुंथपाची प्रेरणा दिल्या.

❑

वर्णमुद्राची नवा लेखसंग्रह

अक्षरांचा संग

महेश्वर लव्हेकर

किंमत ₹ ५००/-
सवलतीत ₹ ४५०/- ला पोस्टेजसह घरपोच मिळेल.
संपर्क : वर्णमुद्रा पब्लिशर्स व डिस्ट्रिब्युटर्स, शेगाव, जिल्हा बुलढाणा
९९२३७२४५५०
नमूद केलेला मोबाईल नंबर ९९२३७२४५५० हाच व्हॉटसअॅप नंबर आहे, पत्ता त्यावरच कळवता येईल.
अकाउंट डिटेल्स :

VARNAMUDRA PUBLISHERS
HDFC CURRENT A/C No.
50200047627114
IFSC : HDFC0002817
BRANCH : SHEGAON
OR
GPAY
9923724550 MANOJ PATHAK

किंवा



कवितेची कुळकथा

माधव बोरकार

संगीत आनी चित्र ही म्हजी सहज प्रकृती. म्हजे संवेदनशीलतेचेर पयले वयले संस्कार संगीताचे जाले. गाणें हांव खुप ल्हानपणासावन आयकुपाक लागलों. आमी कालापुरा रावतालीं थंय शांतादुर्गेचें देऊळ आशिल्लें थंय वर्सुकी नाटकां जातालीं. तीं चड करून 'शारदा', 'सौभद्र' सारकिलीं. कालापूरचो पोपी कामत, चंद्रकांत कामत , सूर्या आनी दत्ता हे सगळे कामत भाव नाटकाच्या निर्मितींत वांटो घेवपी. 'शारदा,' सौभद्र' आनी 'मानापमान' सारकिल्या नाटकांनी संगीत आसुंकूच जाय. हे सगळे भाव बरे गावपी. तातूंतलो बालाजी हो भजनी गायक म्हूण मुखार आयलो. नाटक कितें हें समजूपा इतलो हांव व्हडलो नाशिल्लों. पूण नाटकाची नांदी आनी हेर पदां तितेलन म्हज्या लक्षांत उरतालें. आनी ते सूर कानांत आनी मनांत गुंजत उरातले. ते म्हजे परीन गुणगुणत रावपाक म्हाका खूप आवडटालें. 'शारदा' नाटकाचे नाटकाचे दोन खेळ पळयल्ल्याचें म्हाका आठवता. एक शांतादुर्गा देवळाकडेन आनी दुसरो खेळ धेंपे कुटुंबाखातीर केल्लो. तांच्या दत्तमंदिराचे माचयेर. चंद्रकांत कामतीन केली कोदंडाची भूमिका आजूय म्हज्या लक्षांत आसा. कोदंड ह्या पात्राक खूप पदां. ताका लागून 'शारदा' पळयतना कानार खूप संगीत पडटालें. आयकूंक मेळटा टेन गाणें इतलेंच कळटालें. १९६२ वर्सा आमी मुंबय गेलीं तेन्ना गिरगावांत सीता चाळींत वासु बाबागेर दोन दिस उल्लीं. तेन्ना सुलूताईक शिकोवपाक पं. गोविंदराव अग्री येताले. ती तालीम थोडी आयकली.

शास्त्रीय संगीताकडेन म्हजी पयली वयली वळख हांगाच जाली. मागीर आमगेर रेडिओ येतकच आपसूक खूप गाणें आयकुपाक मेळ्ळें. चड करून शेनवारची अखिल भारतीय संगीत सभा. जें गाणें

आयकतालों तें समजतालें अशें न्हय. पूण ह्या सगळ्यांतल्यान म्हज्या मनाचेर सुरांचे संस्कार जाले. म्हाका नकळटां. दुसरी गजाल म्हळ्यार पणजे जावपी गायचो मैफली हांव आयकुपाक लागलों. तातूंत प्रभाकर कारेकार, सुरेश हळदणकार, जितेंद्र अभिषेकी आनी उस्ताद नासिर अहमद खान, उस्ताद अजमत हुसेन खान हांच्यो मैफली मन लावन आयकल्यो. तेन्ना गाण्यांतल्यो बारीकसाणी म्हाका कळनाशिल्ल्यो. पूण गायक आतां समेर येतलो हें मात कळटालें. मागीर थोडे थोडे राग वळखूपाक येवंक लागले. 1984 वर्सा आकाशवाणीच्या सेवेंत आयलों आनी मुंबय आकाशवाणी म्हाका सुरांच्या विश्वाकडेन घेवन गेली. हांगा सगळे तरेचें संगीत कानार पडपाक लागलें. आनी संगीतांतल्यो बारीकसाणी समजावन सांगपी तज्ज्ञ हांगाच म्हाका भेटले.

दरेका रागाची एक प्रकृती आसता. ताचो स्वभाव आसता. आनी ताचें चाल चलन आसता. तें समाजपची नदर आसपाक जाय. संगीताचें व्याकरण कळूं न कळूं. संगीताचे संस्कार मनाचेर जावपाक लागले. काळांतरान ते अदिक गडद जायत गेले. ताणीं म्हंजे भावविश्व व्यापून उडयलें आनी समृद्ध केलें. म्हंजे कलेचे जाणिवेचो आंवाठ रुंद केलो अशें हांव समजतां.

म्हजे आवडीचे कांय राग आसात. तातूंतलो म्हाका सगळ्यांत चड भाविल्लो राग म्हळ्यार यमन. हो एक मुळावो राग. संगीताची तालीम ह्या रागापसून सुरु जाता. हो राग आयकतना वेगळीच अनुभूती दिता.

रागाच्या फाटल्यान एक चित्र आसता. तातूंत रंग– गंध ह्यो संवेदना जाणवत रावतात. अर्थांत तें सगळें आस्वादकाचे संवेदनशीलतेचेर निंबून आसता. यमन राग हांवें गायक– वादकांकडल्यान आयकला. ल्हान आसतना म्हाका जीं गीतां आवडटालीं तीं सगळीं ह्याच रागान बांदिल्लीं म्हणपाचें म्हज्या लक्षांत आयलें. 'नाथ हा माझा' हें नाट्यपद आसूं वा 'तोच चांरामा नभात' हें भावगीत आसूं. हो राग आयकतना म्हज्या दोळ्यांमुखार चित्र उबें रावता तें अशें : अमोरेर ल्हवु ल्हवु काळोख जमुंक लागला आनी दिवेलावण जाता. दिवे पेटत वतात तसो काळोख खोल जायत वता. आनी कोणाचे तरी यादीन मन कातर आनी व्याकुळ जाता. हो ह्या रागाचो मूड... एक अमूर्त चित्र.

यमन रागाचे वेगळे मूड्स अशे तरेन म्हज्या मनात उदेवंक लागले.. सांजवेळा एकलो आसतना मनांत चुकिल्ल्यो माकिल्ल्यो यादी येवप म्हळ्यार खोल खंय तरी यमनाचो स्पर्श जाणवप. हांव 1994 ते 98 अशीं चार वर्सां बदलेक लागून मंगळूर शारांत उल्लों. कुटुंब गोंयांत आनी हांव थंय एकलों. सांजवेळ जातकच मनांत घरच्यो यादी दाटून येतालो आनी मन उखळून येवचें. मंगळूर हांव रामाशक्ती मिशन ह्या आश्रमांत रावतालों. आकाशवाणी पसून रमाशक्ती मिशन चलून अर्दवराचें अंतर. सांजवेळ... मात्शी शेतांतल्यान वचपाची वाट. आनी त्या दिसा आयकल्लो सातरीवेलो आयकल्लो बुद्धादित्य मुखर्जीचो यमन. हें सगळें मनांत दाटून आयिल्लें. एक आगळेंच मूर्त अमूर्त चित्र दोळ्यांक दिसूंक लागलें. हांव मिशनांत आयलों आनी थोडो मेकळो जावन म्हंजे कुडीभायर आशिल्ल्या सोपणार बसलों आनी एकार एक वळी सुचपक लागल्यो.

सांज जाता
दोंगरा पलतडच्या गांवांत
दिसाच्या निमाण्या किर्णांत

ल्हव ल्हव शेणत वचपी मखब
एक एक नक्षत्र पेटोवंक लागता
आंगणांतल्या तुळशी मुखार लागिल्ल्या
पण्टेच्या उजवाडांक
काळखाचो भाव फुट्टा.
चितारित आसा हांव
असलें एक चित्र
म्हजे तनरीच्या
रित्या कॅन्वासार
म्हज्या मनांतलो
आकूळ पिकूळ यमन
तुवें आळयत सावन...

ती तारीक आशिल्ली २६ फेब्रुवारी ९५ आनी वेळ आमोरेची.
कविता खाडाखोडी जायनासतना आयली.
मागीर म्हाका मेकळें मेकळें दिसलें.
रंद्रांनी दिवे पेटिल्लेवरी हांव एका वेगळ्याच उजवाडांत बुडून गेलों.

❑

लीळा चरित्र– कोंकणी भाशेच्या संदर्भांत

प्रा. प्रकाश वजरीकार

लीळा चरित्र हो महानुभाव संप्रदायाचे संस्थापक श्री चक्रधर स्वामी हांच्या जिवीत कार्याचेर आदिल्लो ग्रंथ. ह्या ग्रंथाचो निर्मणेचो काळ हो सादारण शके 1194 (इ.स. 1272) ते शके 1208 (इ.स. 1286) अशें जाणकार मानतात. श्री चक्रधर स्वामी हांणी उत्तर पंथे प्रयाण केलें. ताचे उपरांत तांचे सगळे शिश्य अस्वस्थ जाले आनी दिशाहीन जावन भोंवपाक लागले. चक्रधर स्वामी उपरांत तांकां दिका दिवपाची गरज आशिल्ली. डॉ. र. बा. मंचरकर म्हणटात, ''श्री चक्रधर स्वामीन उत्तर पंथे प्रयाण करतकूच ताचे अनुयायी दुखी जावन हांगा थंय शिंपडले. स्वामिच्या वियोगान पिसो जावन रानां–वनांत हेडपी नागदेवचार्यांचो सोद घेवन महादायिसा तांकां ऋद्धिपूर हांगा घेवन येता. काळांतरान थंय म्हाइंभट आनी हेर भक्तगण एकठांय जातात.'' श्री चक्रधर स्वामिचें कार्य, तांच्यो लीला तळागळांत उरच्यो हे भावनेंतल्यान श्री चक्रधराचें चरित्र लोकां मेरेन पावचें हो हेतू दवरून नागदेवाचार्य आनी म्हाइंभट श्री चक्रधर स्वामिच्यो लीळा एकठांय करपाचें येवजीतात. चक्रधर स्वामिच्या चरित्राचें स्मरण करप, श्रवण करप म्हणल्यार आयकप आनी उच्चारण करप हो तांचो हेतू आशिल्लो. नागदेवाचार्यां कडेन म्हाइंभट आपली इत्सा उक्तायताना विनयता,

भटो: तुम्हासी सर्वज्ञाचा वरू: म्हणौनी सर्वज्ञ नीरोपले ज्ञान: शास्त्र ज्ञात: सर्वज्ञे जीया केलीया लीळा सांगतलीया तीया तूम्हासि आठवताति: तरि आता श्रीचरण सन्निधानीं आम्हंसि: आन पूढां जो सर्वज्ञाना मार्ग होइल त्यासि तवं इतुकें शास्त्र न धरे: तरी सर्वज्ञांचीया लीळा तुम्ही सांगा मी लीहीन: (मंचरकर : 2)

सार रुपान सांगपाचें जाल्यार म्हाइंभट नागदेवचार्यां कडेन विनयता की चक्रधर स्वामिंचो आशिर्वाद आनी सांगात तुमकां लाबला. स्वामिचें ब्रह्मज्ञान आनी शास्त्र तुमकां खबर आसा. स्वामीन सांगिल्ल्यो आनी केल्ल्योय लीळा तुमकां खबर आसा आनी याद आसात. स्वामीचो इतलो लागींचो सांगात तुमकां लाबला की तुमी ताच्यो लीळा सांगात, हांव त्यो बरोवन काडटां जाचो उपेग मुखावेल्या पिढयेक जातलो.

हाचे उपरांत म्हाइंभट – एकांतात बसून एक पार (प्रहर) लिखाण करपाक लागले आनी स म्हयन्यांनी पयलो मसुदो तयार जालो.

'ऐसें अवघें भटोबासीं लीळाकथन केलें: तें महीभटीं सां मासां लिहिले' असो उल्लेख येता.

लीळांची पारदर्शकताय, सत्यताय तपासून पळोवपा खातीर त्यो त्यो लीळा त्या त्या मनशा कडेन व्हरून दाखोवच्यो अशें थरलें. ते प्रमाण नाथोबांचे लीळा अणभव नाथोबां कडेन वचून मोलावणी करप, येल्होबाचे लीळा अणभव तांकांच परते सांगून सत्यताय तपासप अशें करून त्यो त्यो लीळा त्या त्या लोकांक दाखोवपाचें कार्य केलें. उपरांत ताची मांडणी केली. लीळा चरित्र ग्रंथ निर्माण करपाची ही शास्त्रीय पद्दत तांणी आपणायली. चक्रधर स्वामी उपरांत साधारण तीन वर्सांनी हें चरित्र दोन वाट्यांनी पुराय जालें. म्हाइंभटान हे खातीर व्हड कश्ट घेतले. भोवंडी, म्हायती संकलन आनी नागदेवाचार्या कडेन तपासून घेवप, म्हायतीची सत्यताय तपासप हें चरित्र लिखाणांत पाळ्ळां. ही आदिसंहिता शके 1197 ते 1200 (इ.स. 1275 ते 1278) ह्या काळांत बरयल्लें हें चरित्र. ह्या चरित्रांत कोंकणी उतरां मेळटात. हें फक्त लीळा संकलन न्हय तर ताचेर संस्कारूय जाल्यात. लीळा चरित्रांतली भास ही बोलीभास आसा. ती लोकभाशा म्हणून 'म्हातारीयांची आनी सामान्य परिवारुची' अशी म्हणल्या (मंचरकर : 82). चाटे साउला, उधाणी अशीं शब्दरुपां, बीजे करणें, कटा कटा भटो अशे वाक्प्रचार आसात.

लीळाचरित्र :

यादव काळ हो पुर्विल्ल्या मराठी भाशेचो ग्रंथ रचना काळ अशें मानतात. ह्या यादव काळांत महाराष्ट्रांत महानुभाव पंथाचे संस्थापक चक्रधर स्वामी हांच्या विस्मीतांचेर आदारीत तांचे शिश्य म्हाइंभट हांणी 'लीळाचरित्र' हो ग्रंथ बरयलो. हो ग्रंथ 1208 वर्सा बरयल्लो. मराठींतलो हो सगळ्यांत पयलो ग्रंथ अशें डॉ. वि. भी. कोलते हांणी पटोवन दिलां. ह्या ग्रंथातलो कांय वांटो चक्रधर स्वामी हांणी स्वता निवेदन केल्लो आसा तर उरिल्लो वांटो तांचे शिश्य म्हाइंभट हांणी चक्रधर स्वामी हांच्या जिवीतांतल्या घडणुकांचेर बरयल्लो आसा. ते अर्थान थोडेशें आत्मचरित्र आनी चरित्र अशें रूप ह्या ग्रंथाक आयलां अशें मत डॉ. स्नेहा महांबरे हांचें आसा. श्री चक्रधर स्वामी हांच्या मरणा उपरांत म्हणल्यार 1196 वर्सा म्हाइंभट हांणी नागदेवचार्याच्या फुडारपणाखाला हो ग्रंथ बरयलो. ह्य ग्रंथांत सुमार 1500 'लीळा' आसात. लीळा म्हणल्यार गजाली. घडणूक; मजा, गूण लक्तुबाय, चमत्कार अशे साबार अर्थ आसात. म्हाइंभट हांणी चक्रधर स्वामिंच्यो आयकल्ल्यो घडणुको, प्रसंग, तांचे विशींच्यो विंगड विंगड काणयो, तांणी केल्लीं अचर्यां म्हणल्यार विस्मितां हांचे चरित्रात्मक लिखाण ह्या ग्रंथांत केलां. एका अर्थांत चक्रधर स्वामींच्या जिवीतांतलीं घडीतां यादिंच्या रुपान तांणी मांडल्यांत. त्यो घडणुको साबार जाणांनी सांगिल्ल्यो आसूंक जाय. ह्यो घडणुको विंगड विंगड थळांचेर घडिल्ल्या कारणान भोवंडे वर्णनाचेंय रूप ह्या ग्रंथाक आयलां. लीळा म्हणल्यार भोवंडी, क्रिडा, खेळ ह्या अर्थान हो विचार करूं येता. दुसरें अशें,

म्हाइंभटान चक्रधर स्वामीच्या मरणा उपरांत तरेकवार वाठारांनी भोवन चक्रधर स्वामीच्यो, अजापांच्यो, करमणुकींच्यो गजाली आयकून घेवन त्यो नागदेवचार्याक सांगल्यो. आनी तांच्या मार्गदर्शनाखाला संग्रहीत केल्यो.

लीळा चरित्राचे दोन वांटे आसात. एक पूर्वार्ध आनी दुसरो उत्तरार्ध. पूर्वार्ध लीळा हातूंत 358 लीळा आसात तर उत्तरार्ध लीळा हांतूंत 488 लीळा आसात. लीळाचरित्राचो तिसरो वांटो एकांक हातूंत 74 लीळा आसात. हातूंत 'अज्ञातचरित्रां' हो वांटो आसा. अज्ञातचरित्रां विशीं अदीक खोलायेन अभ्यास जावंक ना अशें डॉ. स्नेहा महांबरे हांचें मत. लीळा चरित्राच्या ग्रंथाविशीं वा लीळा विशीं निश्चीत आंकडे कितले हांचे विशीं जाणकारां मदीं मतभेद आसात.

महानुभाव पंथाचे साहित्य पवीत्र भावनेन घेतिल्ल्यान तें सांकेतीक लिपयांनी उरलें अशें म्हणटात. 1240 वर्सा लीळा चरित्राचो एक मूळ पाठ मेळना जालो. तेदेवेळार लीळा चरित्र जें लोकांच्या जिबेर, ओंठार घोळटालें तें संकलीत केलें. महांबरे म्हणटात की, आयचें लीळा चरित्र मूळ लीळा चरित्राची नकलूय न्हय. लीळाचरित्राची मुळावी प्रत ही खालसा मुसलमानांचे धाडींत सांडले उपरांत तांच्या शिश्यांनी तशेंच लोकांच्या तोंडार घोळपी लीळा चरित्राचें संकलन केलें. हाका लागून तातूंत कांय बदल जालेत. लीळा चरित्राचो प्रभाव पडून उपरांतच्या काळांत मराठींत ग्रंथ साहित्य निर्माण जालें.

म्हाइंभट हे महाराष्ट्रांतल्या अहमदनगर जिल्ह्यांतले सराळे गांवचे गिरेस्त ब्राम्हण घराण्यांत जल्माक आयिल्ले. चक्रधर स्वामींचे शिश्य जातकच तांणी तांची सेवा केली. म्हाइंभट हांणी 'लीळाचरित्र' हो ग्रंथ रचलो तेच वांगडा तांणी श्री गोविंद प्रभू चरित्र हो ग्रंथ रचलो.

लीळा चरित्रांत एक घडणूक अशी येता ती म्हणल्यार चक्रधर स्वामी हांका लाडू दिवपाची इत्सा इंद्रभट ह्या शिश्याक जाता. आपली इत्सा भागोवपाक तो एल्हो नांवाचे बायलेक लाडू करपाक विनवणी करता. ती लाडू करून चक्रधर स्वामी मेरेन पावयता. चक्रधर स्वामी ते लाडू खावपाक आनी तांका कळटा की हे लाडू कडक जाल्यात. हाचे वेल्यान विनोद बुद्धीन चक्रधर स्वामी एल्हो नांवाचे बायलेची मस्करी करता. हो एक नुमनो.

एकुदीसी इंद्रभटीं साधातें हमणीतलें: एल्हो: मज लाडु करूनि दे कां : मा: मीं गोसावियांसि वोळगवीन': तेंहीं हमणीतलें: 'हो कां': मंग तेही गुळ: गहु: मीरीयें: तेल: ऐसे आवघेचि आणुनि दीधले: मग साधी सोजी काढीली तेल: सेव केली: तळीली: चुल्हीवरि पाकू ठेविला: तवं भिक्षा अवस्वरु लोटला: तेहीं हमणीतलें: 'पाकू होइल: तवं मी चौधरीं भिक्षा करूनि येइन' : तवं येयासि उसीरु लागला: पाकू लंघला: आलिं: मग लाडू बांधले: मग दुरडीए भरुनि इंद्रभटी गोसावियां लागौनि आणिलेः वोळगवीलेः रात्रीं बाइसें गोसावीयालागिं फोंडु बैसली तवं फुटेना: एरे दीसीं उदयाचा पुजावस्वर जाला: साधें आलीं: सर्वज्ञें हमणीतलें: 'बहुती सगूरणी देखीलीया: परि कोष्टी सूगरणीचे लाडू सात पंच मूसळें मेळउनी फोडीले नाहीति': तवं साधी हमणीतलें: 'ना जी: तें जालें ऐसें: चुल्हीवरि पाकू ठेवीला: भिक्षे उसीरु जाला म्हणोनि चौ घरांसि भीक्षेसि गेलीर: तवं उसीरूं जाला: जी जी: तेणें पाकू लंघना: म्हणोनि कठीण जालें की': सर्वईं हमणीतलें: 'तरी सवीया वीशेषू': बहूती सूगरणी देखीलाया : परि चुल्हीवरि पाकू ठेउनि भीक्षे कोव्ही गेलीयां

डॉ. ओलिव्हिन्यू गोमीश हांणी लीळाचरित्र ह्या ग्रंथांत कोंकणी उतरावळ मेळटा अशें सांगताना ताचे कांय नमुने दिल्यात. म्हाइंभट हांच्य लीळाचरित्र ह्या ग्रंथांत दादलो, बायल, आवय, धूव, पूत, गची कानसूल, न्हीदसुरो, नीसण, मुदी, उणो, शीत, न्हय, गोमटें, कुकड, गोरवां, शेवणें अशीं उतरां

मेळटात. क्रियापदाचीं कांय रुपां लेगीत कोंकणीत मेळटात. तांच्यो देखी म्हूण आपोवणें, उलोवणें, वचणें आदी.

डॉ. ओलिव्हिन्यू गोमीश हांच्या कोंकणी सरस्पतीचो इतिहास ह्या पुस्तकांत चक्रधर स्वामीच्या लिखाणाचो एक उतारो दै. गोमन्तक (गोवा) ह्या दिसाळ्यांत पां.पु. शिरोडकार हांच्या लेखांतल्यान घेतला (दै. गोमन्तक ता. 15-01-1984) तो असो

नमुनो- लीळा चरित्र

'ते दीस हांव दादोन आफइला म्हूण नइंचे तडी-तडीन सकाळीच घरा गेलो. वाटेर हांवे हतयांचें किंकाट रानांतल्यान येतात तें आइकिलें, आनि तेवटेन माझी दिष्ट गेली. तर हांवे एक तरनी-धाकटी बाइल केस उगलत आसता देखली. फुडां तीइ माझ्या सांगाती येउं लागली. फुडां एक जोइसी देखला. वाटे कोणाची एक खोप देखली. थंय एक बोडकी आंबील रांधी. इतक्यांत पानां-फोफळां घेऊन एक आंडोर थंय पावला आसताना बोडकेन तेंच्या हातीर उनउनीत आंबील ओतली. तेणे बोब मारली. पाठल्यान एक आंडोरी देखीली. तिचे हात भांगरान भरलेले देखिले. ती रडली आनी म्हणू लागली: 'आरे पापया, आतां तूं हातीर उदीक घाल, त्या तांबयांत थंड उदक आहा' फुडां तिने म्हातारीकडेन मुख करून म्हणितलें, आगे, आदीं पैली तुवें तुझ्या वरैता ना केला. आतां ह्या आंडोरा खाऊं सोदिताए. मागां तिने आंडोरा पसाऱ्या वचून सुण्या भशेन उंड्याची पोटुली घेऊं सांगिली. फुडां तिएची अवै पावली. मायेधुंआं भेटी जाली. धुएन गंगाळां उदक भरिलें. आवैन ते सारिलें. वस्त्रां धुलीं ओळणी घातली.

दुसरे दिसा धुए एकवत म्हणौन झुंजुरकें जालें तेदना ती उठिली, हाली-धुली. इतक्यांत तिएच्या वैरता एक दायज येईल म्हणैन ते दिसा शीत आनी वर्नई केलें. सांजवेळ दायजान सांते वचौन गाडुयांतु दुध घेतिलें आऩी भाऊजैंए स्वाधीन केलें. तिने दुधांत फुलसोजी साकर घालून रांधिली आनी दाएजा वाढिली.

चणेंयात तिखी आऩी मिरयांची पुडी घातली. तेदना हींव वाजूं लागलें जेवणां बरी साकवती केली. धाकटुलीं केळी दायजा दवरलीं. फण्यातुलीं दोन केळीं तेणें खालीं...'

चक्रधर स्वामीच्या लिखाणांतल्यान ह्या लेखांत निजाची कोंकणी भास दिसता जी आयज चालंत रुपान आसा. ओलिव्हिन्यू गोमीश बरयतात ते प्रमाण की मुसलमानांचे धाडीक लागून चक्रधर स्वामी कोंकणांत पावले. देखून तांच्या बरोवपांत कोंकणी उतरां आनी वाक्यप्रयोग रिगले जांवये.

तळा गाळांतल्या लोकांची भास ही लीळा चरित्रांत आसा. ती देव भाशा- गीर्वाण भाशा न्हय, संताची छंदबद्ध ओवी भाशा न्हय, अलंकारांचें अवडंबर आशिल्ली आनी अलंकाराच्या वज्याखाला नटिल्ली आनी वाकिल्ली ज्ञानेश्वरी सारकी संत भाशाय न्हय अशें प्रभाकर वैद्य हांचें मत. ती सामान्य मराठी लोकांच्या तोंडातली गद्य बोली भाशा आसा. आनी हे भाशेचें आपलें अशें एक व्हड बळगें आसा आनी गोडसाण आसा, हाचो अणभव लीळा चरित्रांत येता अशें ते म्हण्टात

महाराष्ट्री असावे। कानड देशा, तेलंग देशा न वचावे । अशें वर्णन तातूंत येता. अश्या महाराष्ट्राचो विस्तार डींब ह्यामहानुभाव कवीन केला. *विंध्याद्री पासोनी दक्षीण दिसेसी । कृष्ण नदी पासून उत्तरेसी । झाडा मंडळा पासौन पश्चिमेसी । कोंकण पर्यंत । महाराष्ट्र बोलिजे ।।*

लीळा चरित्र : वादस्थेळे आणि संपादने ह्या पुस्तकांत (मराठी) डॉ. स्नेहा महांबरे हांणी लीळाचरित्र ह्या ग्रंथाक मराठींतलो आद्य गद्य ग्रंथ म्हणलां. फुडें त्यो म्हणटात की लीळा चरित्र ग्रंथाचो

चरित्र, आत्मचरित्र, निवेदनपर, प्रवासवर्णनपर, व्यक्तीदर्शन अश्या विंगड विंगड शिस्तिंतल्यान (Disciplines) सोद घेवपाचो वावर जाला आनी जाता. ह्या मळार डॉ. व. दि. कुलकर्णी, डॉ. यू. म. पठाण, डॉ. श्री. रं. कुलकर्णी, डॉ. वि. भा. देशपांडे, ड़ॉ. उषा देशमुख, रा. चिं. ढेरे अश्या समिक्षकांनी बरोच वावर केला. तशेंच लीळाचरित्र हो ग्रंथ मुखावेली ग्रंथसंपत निर्माण करपाक पावली अशें म्हणटात. लीळा चरित्रातल्यान म्हणल्यारूच 'सूत्रपाठ', 'दृष्टान्तपाठ', 'रत्नमालास्त्रोत्र', 'आचारथळ', 'विचारथळ', 'पुजावसर' अश्यो कांय देखी दींव येतात.

कोंकणी भाशेंतलीं उतरां लीळा चरित्रांत मेळटात अशें म्हण्टाना वयर दिल्ले दोन नमुने विचारांत घेतल्यार ह्या संबंदान अदीक संशोधन करपाची गरज आसा.

संत ज्ञानेश्वर हांचे पयलीं मराठी भाशेची बुन्याद घालपी लीळा चरित्र हो ग्रंथ आसा हाचीय दखल घेवंक जाय. ज्ञानेश्वरी तशेंच नामदेव अभंगवाणींत जीं उतरां मेळनात अशीं कितलीशींच उतरां आसात अशें सांगताना डॉ. लीला गोवीलकार हांणी ह्या उतरांची वळेरी दिल्या ती अशी;

काकु (कला), अभंग (नाममुद्रा), अवकाश (शौच विधी), गुंफा (झोपडी), साजे (ल्हान देवूळ), हाळी (तात्पुरती वसती), वासना (मत), सागळ (उदक पात्र), वरेत (व्हवरो), बोहारी (बायल) अशीं उतरां येतात. गोविलकार म्हण्टात की महानुभावीय संप्रदायातलो लेखक वर्ग हो संस्कृत तज्ञ आसलो तरी मराठीक ताणी धर्म भास म्हणून आपणायिल्ली ताका लागून संस्कृत प्रभाव काडपा कडेन ताचो कल आशिल्लो ताका लागून प्रसाद हें उतर पसायदाना बदला तशेंच अडकित्ता त्या उतराक पोफळ फोडणां हे दक्षीण वाठारांतली उतरां वापरलीं. लीळा चरित्रांत परिभाशीक संज्ञाची निर्मणी केल्या हें ताचें खाशेलेपण. ताची एक देख म्हणल्यार चक्रधर स्वामी हांचे संदर्भांत जेवण खाण, निद्रा, मुखशुद्धी ह्यो गजाली सांगतात तेन्ना मर्दना-मार्दने, आरोगण, पहुड-अपहुड, ताट-विडो अशी उतरावळ वापरतात तर हेरांक उद्देशून तोच उल्लेख उटणे-न्हाणे, जेवणे, निजणे, उठ्ठो, ठाय, तांबुळ असो वेगळो करतना दिसता. ताकाच धरून आसन म्हणल्यार दोन घटका, विश्रांती, वसती म्हणल्यार रातचे रावप. अवस्थान म्हणल्यार एकापरस चड दीस रावप. मराठीक धर्मभाशेचो दर्जो मानून तांणी काम केलें. लीळा चरित्रांत संस्कृत प्रभाव काडून परिभाशीक संज्ञा घडयताले ते अभ्यासक संस्कृत जाणकार आशिल्ले.

चक्रधर स्वामी हांका आपले बोली भाशेचो व्हड अभिमान आशिल्लो. तांणी मराठींतल्यानूच बरोवपाची सक्ती केली. लीळा चरित्र ह्या ग्रंथाचो संस्कृत भाशेंत अणकार केलो म्हणून अणकार करपी कसोबा म्हणल्यारूच केशव व्यास हांची तोखणाय चक्रधर स्वामीचे उत्तराधिकारी नामदेवचार्य हांणी केली. पूण चक्रधर स्वामीच्या सिद्धांत सुत्राचेर भाश्य करपी ग्रंथ संस्कृत भाशेंत बरोवपाक मात न्हयकार दिताना म्हळां, 'माझिया म्हातारिया नागवतील.'

बाळकृष्ण कानोळकार हांच्या मता प्रमाण चक्रधर स्वामीक मात तांच्या जिवीतांत हाल भोगचे पडले ते ब्राम्हण वर्गांतल्या पंडितां कडल्यान. तांच्या लीळा चरित्र आनी हेर ग्रंथांचेर बंदी घातली. तांचो प्रसार आडायलो, तांचे मठ म्होडून काबार केले. धर्मग्रंथ काबार केले. तांकां ह्या अरिश्टांतल्यान भुमिगत जांवचे पडले. सांकेतीक लिपीचो उपेग करून धर्मीक साहित्य टिकोवन दवरपाचें कार्य करचें पडलें. एक लिपी जर कळळी जाल्यार दुसरी तयार केली. अशें करताना सुमार वीस-पंचवीस सांकेतीक लिपयो तयार केल्यो (1353-1363). तातूंत सकळ (सकाळ) सुंदर लिपयांचो उल्लेख जाता. तळागळांतल्या भौजन समाजांतल्या लोकांनीय ही लिपी/ ह्यो लिपयो सांबाळल्यो. 1363 वर्सा एक पोथी जातीन म्हार आशिल्ल्या मनशा कडेन गावली. चक्रधर स्वामिच्या कुडीचे (देहाचे) कुडके

करपाची ख्यास्त जाली ती यादव काळांत. तांची तकली कुडी पासून कापली तेन्ना ती परत दसली आनी तो चलूंक लागलो अशेंय म्हणटात. दुसरे एके ख्यास्तींत तांचे कुडीचे कुडके कुडके केले अशें म्हणटात. ताकाच धरून ते उत्तरापंथे गेले अशें मानतात. 1278 वर्सा चक्रधर स्वामी ह्या संवसाराक मनीसपणा भायल्या छळाचे बळी थारले. चक्रधर स्वामीच्या मरपान थतर वितर जाल्ले ताचे शिश्य रोखडेच ते दुख्खांतल्यान भायर सरले आनी तांणी चक्रधर स्वामीचें चरित्र रंगयतना गांवा गांवांनी भोवून लोकांच्या तोंडांतली म्हायती एकठांय केली.

म्हाइंभट हांका महेंद्रभट, माहिंद्रव्यास, महेंद्रव्यास अश्या नांवांनीय वळखतात.

लीळा चरित्र ह्या ग्रंथाचे तीन खंड आसात. एकांक, उत्तरार्ध आनी पूर्वार्ध. उत्तरार्ध हो सगळ्यांत पयलीं मागीर पूर्वार्ध आनी शेवटाक एकांक. ह्या तिनूय रचनांमदी एकांकाचो कर्तो हो चक्रधर स्वामी स्वताच थारला अशें बाळकृष्ण कानोळकार हांचें मत तर उत्तरार्धाचो कर्तो हो नागदेवाचार्य थारला. पुर्वार्धांतल्यो लीळा ह्यो म्हाइंभटान अनुयायां कडल्यान आयकून बरयल्यात. ह्या तिनूय खंडांनी मेळून 950 लीळांचें संकलन आनी संपादन म्हणल्यार 'लीळा' जातूंत चक्रधर स्वामीचो दिसपट्टो वावर, तांची भोंवडी कार्य, उपदेश एकांक अशी रचना जाल्या.

चक्रधर स्वामी हांणी मुर्ती पुजेक विरोध केलो, कर्म कांडाक विरोध केलो, कथा- किर्तनां, आरत्यो, नैवेद्य, प्रसाद तशेंच दर फावटीं भिक्षुकांचें येवप, तांकां दान-दक्षणा दिवप ह्यो गजाली तांकां अर्थशून्य दिसताल्यो. कर्मकांडाक तांणी विरोध केलो. इतलेंच न्हय तर तांणी बायलांक तशेंच क्षुद्रांक सन्यास धर्म उक्तो केलो. अस्पृश्यताये आड ते वावुरलेत. यादव राज्याचो प्रशासक धर्ममांतडाचो मुखेली हेमाद्री पंडीत हांच्या 'चतुर्वर्ग चिंतामणी' ह्या ग्रंथांत बरयल्ल्या आनी आदेश आशिल्ल्या धर्मीक विधींक, उपास-तपास, एकवता हांका चक्रधर स्वामीन विरोध केल्लो. तो पाळ्ळो ना. अशे ते बंडखोर आशिल्ले.

लीळा चरीत्राचो अभ्यास करताना कोंकणी भाशेचे नमुने आनी उतरावळ हांचे मर्दीं वेगळेपण दिसता ते संबंदान चड संशोधन जावपाची गरज आसा.

❑

संदर्भ :

1. गोमिश्, प्रो. डॉ. ओलिव्हिन्यू. कोंकणी सरस्पतीचो इतिहास. कोंकणी सरस्पत प्रकाशन, 1989.
2. ढेरे, रा. चिं. नाथ संप्रदायाचा इतिहास. पद्मगंधा प्रकाशन, 2019.
3. मंचरकर, डॉ. र. बा. महानुभावीय निवडक वाङ्मय: एक अभ्यास. मौज प्रकाशन, 2005.
4. मडगांवकर, प्रा. विनय. संत साहित्य- सिंहावलोकव. बहुजन साहित्य धारा, 2010.
5. वैद्य, प्रभाकर. संतानी वाळीत टाकलेला संत श्रेष्ठ- चक्रधर. लोकवाङ्मय गृह, 1992.
6. हळर्णकार, डॉ. तानाजी. कोंकणी विश्वकोश. (संपा.) गोवा विश्वविद्यालय, 2000.

पोयेट्री थेरपी

मेल्विन रॉड्रिग्स

आमी कितल्या जणांनी बिब्लियो थेरपीचें नांव आयकलां हांव नेणां. बिब्लियो थेरपी, पोयेट्री थेरपीक आन्येक नांव. थेरपी दिंवचे मनीस आपल्या पिडेस्तांचेर psychotherapy वा counselling-क एक substitute जावन हें bibliotherapy-चें विधान वापरतात.

आधुनीक काळाचीं थेरपी विधानां लोकामोगाळ जांवच्या जायत्या तेंपा आदींच ही बिब्लियो थेरपी वा पोयेट्री थेरपी चाल्तेर आसल्ली.

ग्रीक पुराण शास्त्रा प्रकार आपोल्लोच्या पुताक एचेलीपियुसाक हे विद्येची बरीच जाणवीकाय आसल्ली. थेरपी म्हळ्ळो सब्द थेरपिया म्हळ्ळ्या ग्रीक सब्दा थावन आयला. तशें म्हळ्यार कविता, कांतार, नाटक वा नाचाद्वारीं गूण करचें म्हळ्ळो अर्थ जाता. चरित्रेंत बरयिल्ल्या प्रकार क्रिस्ता पयलें पयल्या शेकड्यांत सोरेनस म्हळ्ळो रोमन फिसीशियन आपल्या पिडेस्तां खातीर कविता आनी नाटक prescribe करतालो.

उचार कला वा expressive art गूण करुंक वापरचें एक विधान जावन हालींच लोकामोगाळ जावन येता तरी असल्या एका विधानाच्यो रुजवाती बोव पोरन्या संस्कृतेंनी आमकां पळेवंक मेळतात. मानसीक वेदना पयस करचे खातीर आमेरिकन लंडियन मंत्रां गुणगुणताले. खंयचेंय एक मंत्र वा एके संस्कृतेक प्रतिनिधित्व करची कविता जरी तरी तूं उडासांत दवरचें प्रेतन करताय, तवळ वेळाचे परतणे सांगाता बदलल्ली संस्कृती आनी समाजाचे चालीचें पडरूप झळकतलें मात्र न्हय, तांच्यान आमच्या लोकाच्या भांग्राळ्या शाणेपणाची जडाय तशें मतीक शांत करचीं उत्रां झळकतलीं.

आज एक 'कविता सातें' म्हळ्यार एके कवितेक आयकोन चर्चेद्वारीं ते कवितेचेर प्रतिक्रिया दिंवची अशें अर्थ जाता. 'कविता सातें' म्हळ्यार विमरसो न्हय. बदला exploration वा सोध आनी अख्रेक स्वताची प्रतिक्रिया वा self expression जावनासाजाय. एक कविता व्हडल्यान वाचल्ल्यान तांतलो ताळ, लय वा संगीत आयकतेल्याच्या मनाक आकर्शीत करता आनी तांच्या दिस्पडत्या चिंतपा थावन तांकां पयस आपोवन व्हरता. कशें संगीतांतल्या ताळाचो एक तुकडो वा syllable आख्ख्या कांताराच्या नोट्सांच्या वजनाचेर होंदोन आसता, तशेंच एके कवितेंत तो उत्रांचे मांडावळीचेर होंदोन आसता. हाका आमी alliteration वा consonation म्हणतांव.

एका कविता सात्यावेळार चलच्या तर्कांत जमल्ले रसीक एकामेकाचे समस्से समजोन हेरांचीं भोगणां, सिंतिमेंतां आनी चिंतप वांटून घेतात. अशें केल्ल्यान तांचे मतिंतलो भोर वा tension अशक्त जावन वेता. आनी निमाणे सरवांचे मतींक सूख लाभता.

आन्येक गर्जेचो विशय म्हळ्यार, एके कवितेन दिंवचो निरोप वा संदेश. हो निरोप आमचेर प्रभाव घालता कित्याक म्हळ्यार कवितेंतलें कविचें self expression वाचतल्याच्या जिविता थंय एक गांच घालता आनी ह्या गांचा वरवीं वाचतलो चिंतुंक जायना तसले एके बदलावणेंतल्यान पाशार जाता. एके वेक्तिची वाडावळ वा अभिवृद्धी counselling वा psychological therapy-चो प्रमूख गिरोप. तशें जाल्ल्यान थेरपी दितल्यांनी कवितेद्वारीं ती वाच्चो वा बरोंवचो एक process वेक्तिचे वाडावळीक आनी मानसीक अभिवृद्धेक गर्जेचो म्हणोन सोधून काडलां.

जायत्या जणांक कविता वाचल्लेवरवीं मतिच्या वेदना थावन सुटका लाभता. ही सुटकाच कवितेंत थेरपिचीं लक्षणां पाचारता. अशें कित्याक जाता म्हळ्यार चडावत लोकान चडीत करून लिपोवन दवरचे विशय एक कविता उगत्यान सांगता. एक कविता वाचल्ल्यान तांकां तांचीं भोगणां लिपोन नांत बदला तीं universal म्हण भोगता.

कविता वाचतल्या एकेकल्यांक एकेका नमुन्याचो अनभोग जाता जावंक पुरो. थोड्यांक तांतली प्रकृती आनी मोग आनंद दिता जावंक पुरो. थोड्यांचेर तांतलो निरोप प्रभाव घालता जांवक पुरो.

पूण एक सवाल आजूनय तशेंच उरलां. आमकां सरवांक रसिकांक अशेंय वोडचे तसली एक सकत वा ताकत कवितेथंय आसा तर ती कसली? कांय आमकां कवितेंतलो ताळ/लय तसोय वोडता वा कवितेचो विशय?

साबारांनी सांगचे प्रकार कवितेंतलो ताळ वा लय प्रमूख पात्र घेता. आमच्या भोगणांचे गतिचो तो एक आरसो. आमचीं भोगणां आमी दुखाळ, रागाळ वा सुखाळ आसताना कशीं उडक्यो मारतात म्हळ्ळ्याक कवितेंतलो ताळ वा लय आरसो धरता.

कविता संशोधक Stephen Dobyns हाणे सांगचे प्रकार कविता म्हळ्यार एक आवाज. पकत आवाज न्हय, आकार आसचो आवाज! कविता, केदळाय काळोकाच्या कुडांनी वस्ती करच्या दोन वा चडीत वेक्तिंच्या कुडां मधें आसचें जनेल.

हेर थोड्यांनी सांगचे प्रकार, फकत उत्रां, प्रतिमा आनी सांकेतीकता (symbolism) कवितेंत कशीं आनी खंयच्या नमुन्यार वापरल्यांत आनी तीं वाचतल्याचेर कसो आनी खंयच्या नमुन्यार प्रभाव घालतात म्हळ्ळें गर्जेचें.

सरायेन वा वेगान धांवोंक उस्मडच्या आमच्या ह्या संवसारांत सगळो वेळ, हरयेके घड्चे विशेस आवाज भरोन गेला! संगीत सयत थोडे फावटीं आमकां असलोच एक आवाज म्हणोन भोगुंक पुरो!

संगीत शांत आनी काळजां मनां धलोंवचें आसल्यारी जायत्या लोकाच्या मनाचेर आशेल्ले तितलो जादू करुंक सकना. जायत्या लोकाक एक कविता दोळ्यांनी वाचल्ले वरवीं आशेल्लें सूख लाभता आनी तांकां तांचें जिवीत निजायकी फाटीं हाडचेथंय मजत करता!

❑

डिजिटल कोंकणी आनी फुडार

वल्ली क्काड्रस

वेळाकाळाक सरी जाव्न जियेंव्चो मनीस कसो तरयी होंद्वोन जियेंवक शिकता. आयचो काळ तांत्रीक काळ, आर्टिफिशल इंटलिजेन्साचो काळ. वर्च्युवल रियालिटिचो काळ.

कालचो काळ कंप्यूटराचो काळ जाव्नास्लो. अंतर जाळिची क्रांती मनशाक चड्ताव सग्ळें काम सलीसायेन करुंक साध्य जालें. सरकारी दफ्तरांनीं मांडुन हाडल्लीं धुळींत भरल्लीं फायलां/दस्तावेजां उस्तुंची मिनत, कंप्यूटराच्या एका क्लिक्कांत भव सलीसायेन करुंक जालें. मोबाय्लां वापार्न एकामेका संपर्क कर्च्यो वाटो अनिकयी सलीस जाल्यो.

पोरचो काळ टिवी-रडियोचो काळ जाव्नास्लो. मनशाच्या कुटमीक जिणयेंत सयत हें भव महत्वाचें जावनास्लें. घरच्या सालांत टिवी पळेंवक सगळिं एकाच वेळार जम्तालीं, एकामेका सुक-दुक उलंवक बरो आवकास लाभ्तालो.

आमचीं आब-वोडली मांयन जियेल्लो काळ अनिकयी परनो. देकुन तांच्या तोंडांतून आमी आमच्या भुरग्यापणार थावन संसारांत जावन येंवच्या बद्लावणेविशीं आयकुन आयिल्लीं आमी, आतां थोड्याच तेंपान आमी स्वता ही बदलावण लाशिल्यान पळेव्न आय्ल्यांव, आनीं ताचे तेकिद होंद्वोन जियेंवक लागल्यांव.

पुण ह्या सामाजिक/आर्थिक बदलावणेन मनशा जिणयेंत घाल्ल्या प्रभावानिम्तीं. आज चडताव आमचेलागिं वळ ना. पुण एका समाजिचें चित्रण दिंव्चें साहित्य आज खंच्या स्थारार पाव्लां? पय्लेंच अस्कत जाव्न आयिल्ल्या वाचप्यांचो संखो, कविड पिडेंत पोस्टल विभागाच्या घळायेन लाचार

जाल्ल्यान आज वाच्पी नांत वा भव उणें. वाचपी नांत देकुन बरवपी सय्त नांत वा भव उणें. ह्या परिगतेंत आटव्या वोळेरिंत आमची भास आसा म्हण अभीमान पांवच्या आमिं ह्या साहित्याक कशें मुकार वरचें?

तेदना उदेता डिजिटल वाटेची गरज. जशें वेळाकाळांत आमी होंदवोन आयल्यांव तशेंच आमी आमचें साहित्य सयत डिजिटल संसाराक वरची गरज आसा. हेच लराद्यान आशावादी प्रकाशनान २००५ इसवेंत पर्गट केल्लें 'सागोराच्या वाटेच्यो झरी (शेंभोर कविंच्यो कविता)' कोंकणिंत्लें पय्लें इ-पुस्तक.

पुण इ-पुस्तक अंतर जाळिच्या माध्यमा मुखांत्र मोबाय्ल/ल्यापटोपाचेर वाचूंक जाता पुण हांगासर मुळावी गरज 'वासची अभिरुच'.

उप्रांत २०१८ इस्वेंत यूट्यूबांतल्या आशावादी प्रकाशनाच्या च्यानलाचेर 'कथादाय्ज' म्हळ्ळें कोंकणिंत्लें पयलें डिजिटल आडियो पुस्तक आय्लें. यूट्यूब च्यानलाचेर कोंकणी मोट्व्यो कथा प्रसार जांव्क लागल्यो. आडियो पुस्तक माध्यमांत वासची अभिरुच नातल्ल्यांक वा अमखी लिपी वाचुंक कळानासच्यांक फकत आयकुन समजुंक क परयाय वाट रुतां जाली.

1. कथादाय्ज (2018 इसवेंत सुरु जाल्ल्या ह्या आडियो पुस्तकांत वल्ली क्काड्रसाच्यो 32 कोंकणी कथा आसात)
2. सुरयो उदेता (2020 इसवेंत प्रसार जाल्ल्या ह्या पुस्तकांत गोंय, कर्नाटक, करळ आनीं महाराश्ट्र अशें हेर लिपिंच्यो 27 कोंकणी कथा आसात)
3. मायानगरी (2021 इसवेंत वल्ली क्काड्रसाच्यो मुंबय्च्यो 32 कोंकणी कथा ह्या पुस्तकांत आसात)
4. सुरयो उदेला (2021 इसवेंत प्रसार जाल्ल्या ह्या आडियो पुस्तकांत गोंय, कर्नाटक, करळ आनीं महाराश्ट्र अशें हेर लिपिंच्यो 27 कोंकणी कथा आसात)
5. कथामृत (2022 इसवेंत प्रसार जाल्ल्या ह्या आडियो पुस्तकांत क्लेरेन्स कैकंबच्यो 20 कोंकणी कथा आसात)
6. कथाझर (2023 इसवेथाव्न प्रसार जाव्न आयिल्ल्या ह्या आडियो पुस्तकांत एदोळ्च 43 मोट्व्यो कथा आसात)
7. मृग्जळ (2024 इसवेंत प्रसार जाल्ल्या ह्या आडियो पुस्तकांत डॉ. एडवर्ड एल. नज्रेताच्यो 20 कोंकणी कथा आसात)
8. कथाहार (2024 इसवेंत सुरु जाल्ल्या ह्या आडियो पुस्तकांत कोंकणिंत्ल्यो सुर्विल्यो/आध्ल्यो मोट्व्यो कथा आसात)
9. कथन (2024 इसवेंत सुरु जाल्ल्या ह्या आडियो पुस्तकांत क्रिस्ती याजकांनीं बरयिल्ल्यो कथा सादर जाव्न आसात)
10. स्टन अगराच्यो मोट्व्यो कथा (नाम्नेचो कथाकार स्टन अगराच्यो 30 कथा)
11. डॉ. एडवर्ड एल. नज्रेताच्यो 'गलिमारांत्ल्यो कथा' (दुसरें) आडियो पुस्तक)

डिजिटल ई (इलेक्ट्रोनिक) पुस्तक व आ (आडियो) पुस्तकांचो फुडार. कोंकणी भासेचोच बरो फुडार ना म्हणुन चिंतेल्यां मधें ई वा आ पुस्तकांक कस्लो फुडार आसत म्हळ्ळो दुभाव उदेत पुण खोलायेन वोराव्णी केल्यार आडियो पुस्तकांनीं प्रमुक फाय्दे जाव्नासात.

1. पर्गांवांत/संसराच्या खंच्याय कोनश्यार आस्ल्यारयी, साहित्य वाचुंक जाय्नास्च्यांक सय्त हेरांनीं सादर केल्ली मोटवी काणी सलीसायेन आय्कुन समजूंक साध्य जाता.
2. पुस्तकां सोधुन वेची गर्ज ना, मोबाय्लाचेर आयिल्ल्या लिंक मुखांत्र मोबाय्लांनीं सय्त आम्च्या पुरसोतेच्या वेळार आय्कुव्येत.
3. पय्णावेळार (ट्राफिकेंत वा लांब पय्णावेळार) जशें थोडीं संगीत आयकुन संतोस भग्चेपरीं, साहित्यिक अभिरुच आस्च्यांक ह्यो कथा आयकूंक क आव्कास.
4. लिपिची बंधड ना. कानांक कसलीच लिपी लागाना देकुन हेर लिपिंनीं वापारांत आस्चे कोंकणिचे नोवे सब्ध शिकुंक क संधर्भ.
5. कोंकणी साहित्यीक अभ्यास करच्यांक भव सलीसायेन ह्यो कथा वेगींच सोधुन आयकूंक क संधर्भ.
6. बदलोन वेच्या काळांत जाल्ल्या सामाजिक बदलावणेक, जिण्ये रितिक तशेंच आचार-विचारांक समजूंक क सोंपी वाट.

❑

‘ममता का बोझ उठाया नही जाएगा’...

दासू भगत

भारतीय परंपरेंत नारी शक्तीचो सदांच आदि शक्ती म्हूण गौरव करतात. शेतवडीचो आविश्कार एके बायलेन केल्लो अशें म्हण्टात. एके जननक्षम बायलेन धर्तरेच्या पोटांतल्यान धान्य कशें वाडोवचें तें सांगिल्लें. मजेची गजाल म्हळ्यार आयज तिका सात बाराच्या (गोयांत एक चौदा) उताऱ्याचेर सहजपणान आपलें नांव मुद्रीत करपाक मेळना. तिचो सात बारा रितोच उरता. पौराणीक ग्रंथांनी आसूं वा आधुनीक संविधानांत... तिका सुवात मेळटा पूण प्रत्यक्षांत तिची कूड हीच तिची खरी अस्मिताय उरची अशी अलिखीत तरतूद. तिचे कुडीभितर तिचें स्वत्व आसता पूण संस्कृताय नांवाचे आमचे वेवस्थेन ताचेर आडनदर ही दादल्याची खासा कळाशी थारायल्या.

तिच्या विचारांचेर अदृश्य लगाम घालपाक दादल्याची सत्ता येसस्वी जाल्या. सोबीत बायलांक विशकन्या करपी प्रयोगशाळेचे मास्टरमायंड दादलोच...तिचे कुडीचो अशे तरेन वापर करतना स्वाभिमानाचो मास्क पिंजचो न्हय म्हूण स्वताची राखण करपी दादलोच... गुलामगिरींत लेगीत स्वातंत्र्य कशें सांबाळूं येता हें तिका कावेबाजपणान सांगपी दादलोच... केन्ना केन्नाय बायल दादल्यापरस शूर आसता अशें सांगून तिका आपल्या फटकीच्या जाळांत ओडपी दादलोच... बायल स्वभावान दुबळी अशें सांगून आपलो शंढपणा तिगोवन दवरपी लेगीत दादलोच...!!!! बायलांचीं जायतीं वेगवेगळीं रुपां आसात असो आग्रो धरून स्वताचीं वयलीं सगळीं रुपां लिपोवन दवरपाची किमया दादलो सहजपणान करूंक शकता...

खरें म्हणल्यार मनशाचे दोळे फुडल्या तोंडार आसतात. तो थोडोभोव चड दावे आनी उजवे वटेन

नदर मारूंक शकता. पूण बायलेच्या दोळ्यांनी सैमीक शक्त आसता.. फाट करून चलता जाल्यार लेगीत तिचे अदृश्य शक्ती वरवीं तिचे फाटीर आशिल्ली कामुक नदर तिका कळटा...तिचेकडेन मुळांत एक सैमीक रिसीव्हिंग पावर आसा हें गुपित खूब आदींसावन धूर्त दादल्याक समजलें. देखून ही पावर आपले मुठींत बंद करपाखातीर एक बरोसो चक्रव्यूह निर्माण केलो.ह्या चक्रव्यूहाच्या झरोक्यांतल्यान ती आयज लेगीत आपल्या अस्तित्वाचो सोद घेत आसा.

नामनेचो निर्मातो दिग्दर्शक महबूब खान हाच्या 'मदर इंडिया' ह्या चित्रपटांत अशीच एक घडणूक घडटा – ह्या सिनेमाची नायिका राधा हिचो घोव तिच्या पदरांत तीन पोरां घालून खंय तरी पळून वता. सासूमांय मरता. राधा एकटीच पडटा. एक कामलंपुट सावकार सतत तिच्या फाटल्यान लागता. एकदां व्हड पावस पडून गांवांत हुंवार येता आनी राधाचो सगळो संवसार व्हांवून वता. घरा दारांत आनी मनांत चिखल जमता. भुरग्यांचो जीव भुकेन कासावीस जाता. दरेक बायले भितर एक असादारण आवय आसता. ती तरणाटी आसूं वा जाण्टी. भुरग्यांचे भुकेक लागून राधा सावकाराच्या वाड्यांत वता. पूण सावकाराक चिखलान व्यापिल्ले ते आवयंत एक मादी दिसता. सावकाराच्या देव्हाऱ्याभितर वण्टीचेर देवीची मूर्त आसता. सामक्या उन्मादान मूर्ती कडेन पळयत राधा हातांतले काळे दोरे आनी गळ्यांतलें मंगळसूत्र बुडून काडटा आनी शेंवटीता. नेमके तें देवाचेरुच पडटा. राधा कपलाचेर आशिल्लो कुकुम पुसता आनी म्हणटा – ''मुझे खाना दे लाला... मेरे बच्चे भुखे है...'' ताचेर लंपुट नदरेन तिचेकडेन पळयत सावकार तिच्या गळ्यांत भांगराची सरपळी घालीत म्हण्टा– ''सुखीलाला अगर कुत्ता भी पालेंगे तो उसके गलेमे भी सोनेकी जंजीर डालेंगे...राम कसम लक्ष्मी लगती हो लक्ष्मी..''

राधाची नदर देव्हाऱ्यांतले लक्ष्मीचे मूर्तीचेर पडटा. तिचे कडेन आर्तपणान पळयत राधा म्हणटा– ''लक्ष्मी लगती हूं...देवी...राधाके रूप मे आते हूए लाज ना आयी. मेरे रूपमे आयी हो तो अपनी लाज लुटती हुई भी देख लो...'' राधाचें तोंड दुस्वास, आक्रमकता, असहाय्यताय, भ्रमान जळटा. जळिल्ल्या दोळ्यांनी देवी कडेन पळयतना तिच्यांतली आवय म्हणटा– 'हँसो नही... हँसो नही... संसारका भार उठा लोगी देवी...ममता का बोझ उठाया नही जाएगा'... आवयचो मोग अशे तरेन सगळेकडेन पणाक लागता पूण मनशाभितरलो बापूय न्हिदेंतल्यान जागो जायना.

उत्तर प्रदेशांतल्या लखनौसावन 70 कि.मी. अंतराचेर हरदोही रस्त्याचेर नटपुरवा नांवाचो गांव आसा. हांगाच्या भुरग्यांक आपलो बापूय कोण हें कळना. तांकां आडनांव नात. हो 400 वर्सांचो इतिहास. पांच हजार लोकसंख्या आशिल्ल्या ह्या गांवांतल्या 70 टक्के बायलांक वेश्या वेवसाय करचो पडटा. हांगाच्या सगळ्या अर्थीक वेव्हाराचो हो मुखेल स्रोत. मध्य प्रदेशांतलो बाचारा आदिवासी जातीचो पंगड पिळग्या पि ग्यो परंपरेचोच वांटो म्हूण होत धंदो करता. हे आदिवासी जमातींतल्या चलयांक तांचेच बापुय आनी भाव वेश्या बळयां वेवसाय करपाक लायतात. हे खातीर दरेका घरांत एक वेगळी कूड राखून दवरतात. मंदसौरा सावन निमाच मेरेनच्या प्रवासांत दादल्यांक आकर्शीत करपा खातीर रस्त्यार जायत्यो बायलो आनी चलयो दिसतात. ह्यो चडशो चलयो अल्पवयीन आसतात. खासा करून ह्या वाठारांतल्यो बायलो पुर्विल्ल्या काळासावन राजा म्हाराजांची प्रजा अशें म्हण्टात. अशीच एक काणी उत्तर गुजरातांतल्या वाडिया गांवाची. अहमदाबादसावन 250 कि.मी. अंतरा वयल्या ह्या गांवाक 'सेक्स वर्कर व्हिलेज' ह्या नांवान वळखतात. ही फाटल्या 80 वर्सांची परंपरा. हांगाचे दादले आपल्याच घरच्या बायलां खातीर गिरायकां सोदतात. सरणिया नांवाचे आदिवासी ह्या गांवांत आसात. कर्नाटकांतल्या बेल्लारी आनी कोप्पल जिल्ल्यांनी देवदासी चलयांचे 'व्हर्जिनीटी'ची पावणी उंचले

जातीचे लोक करतात...ह्यो देवदासी खंयच्या अर्थीक वर्गांतल्यो आसतात तें सांगपाची गरज ना.

बायलांची सुंता करप वा खतना ही तर एक सामकी जीवघेणी परंपरा. आयज लेगीत संवसारांतल्या सुमार 30 देशांनी बायलांचें जननेंद्रिय विकृत करपाची पद्दत चालूच आसा. चलयांक लग्ना आदीं तयार करपाखातीर क्लिटोरिस कापप गरजेचें अशें मानतात. ते उपरांत बायलांक जननेंद्रियाची विकृतताय वा जेनेटायल मालफॉर्मेशनसयत भलायके संबंदीत जायते प्रस्न पयस उप्रासतात. इजिप्तांत सगळ्यांत चड चलयो आनी बायलो ही प्रक्रिया करतात. 9 ते 12 वर्सां पिरायेचेर चलयांची सुंता करतात. इजिप्तान सादर केल्ल्या अहवाला प्रमाण 92 टक्के लग्न जाल्ल्या बायलांची सुंता जाल्या. जायत्या देशांनी सुंता करपाचो संबंद धर्माकडेन नासून परंपरेकडेन आसा. चड करून हे प्रथेचें वेगवेगळ्या सोबीत नांवांनी महिमामंडन करतात. हाका आमचोय देश आडवाद ना.

नामनेची पाकिस्तानी कवी सारा शगुफ्ता एका जाग्यार म्हणटा–

इज़्ज़त की बहुत–सी क़िस्में हैं
घूंघट, थप्पड़, गंदुम
इज़्ज़त के ताबूत में क़ैद की मैंखें ठोंकी गई हैं
घर से लेकर फुटपाथ तक हमारा नहीं
इज़्ज़त हमारे गुज़ारे की बात है
इज़्ज़त के नेज़े से हमें दागा जाता है
इज़्ज़त की कनी हमारी ज़बान से शुरू होती है
कोई रात हमारा नमक चख ले
तो एक जिंदगी हमें बे जायका रोटी कहा जाता है
ये कैसा बाजार है

बायलेक केन्ना सरळ देव्हाऱ्यांत दवरपाचे जाल्यार केन्ना कुडीच्या वेपाराखातीर वापरपाचे कट कितलो तेंप चालू उरतले ? कळना...

वर्सांतल्यान एक दीस बायलांचो दीस म्हणून मनयतात..हें लेगीत कांय वेळार भंपकपण दिसता..तरी लेगीत...बायल दिसाच्या निमतान सगळ्यांक काळजा थावन शुभेत्सा दिवपाक हांव फाटीं रावना ...

❑



मूर्ती आनी शिल्पां

कामिल पारखे

गोंयांत येवपी चडशे पर्यटक ओल्ड गोवा मुजरत वतात.

हाचें कारण मध्ययुगीन सुवात आनी अस्तंती गॉथिक शैलीचें गिरेस्त वास्तुशिल्प दायज आनी त्या इतिहासीक काळांतले बरे तरेन सांबाळून दवरिल्ले अवशेश.

हेर गोंयचे तुळेन खूब व्यस्त आशिल्ल्या पणजी-फोंडें -मडगांव रस्त्यार, रायबंदर हुंपतकच ओल्ड गोवा येता. वाहनांतल्यान देंवल्या उपरांत पर्यटक दोन मुखेल चौकांच्या मजगतीं तीनशें मीटर लांब रस्त्यार येतात.

हांगाचो हो सगळ्यांत म्हत्वाचो वाठार. ह्या रस्त्याच्याच मदीं, कुशीच्या संकुलांत, सी कॅथेड्रल नांवाची एक भव्य धवी बांदावळ आसा.

रस्त्याचे दुसरे वटेन तांबड्या रंगाच्या फातरांनी बांदिल्ली एक सामकी पोरनी इमारत आसा. ती- बॉम जेजू बॅसिलिका.

सी कॅथेड्रलामेरेन चलपाच्या प्लाझांत व्हड वाटकुळी सुवात आसून तिचे भोंवतणी सोबीत पाचवोचार लँडस्केप आसा.

ह्या वाटकुळ्या जाग्यार एक फावट 1980 च्या सुमाराक सोळाव्या शेंकड्यांतलो पोर्तुगेज महाकाव्य कवी लुईस वाज द कामोयश हाची व्हडली मूर्त उंचायेच्या चौकाचेर आशिल्ली.

सी कॅथेड्रलाची सोबीत फाटभूंय दाखोवपी फोटो वा सेल्फी घेवपाक ही एक बरी सुवात आशिल्ली.

दुर्दैवान त्या काळांत काळे-धवे वा रंगीत फोटो काडप आयच्या इतलें सोंपें नाशिल्लें. देखून ह्या

पुतळ्या लागसार म्हजें वा खंयच्याय इश्टाचें चित्र काडिल्लें ना.

सतराव्या-अठराव्या शेंकड्यांत पोर्तुगेज राजवटींत गोंयाक 'उदेंतेकडलो रोम' अशें म्हण्टाले. कारण व्हड कॅथेड्रलां, इगर्जी, सेंट पॉल युनिव्हर्सिटी सारक्यो धर्मीक शिक्षणाच्यो संस्था आनी जेजुर्लतां सारक्या कॅथलिक इगर्जेच्या चडच्या पाद्री संघटनांचो वावर !

इगर्जेचें भव्य गॉथिक वास्तुशिल्प, सेंट ऑगस्टीन गोपुरा सारके उंच आनी भव्य अवशेश जे पोरन्या काळांतल्या थळाच्या वैभवाची गवाय दितात ते अजूनय पर्यटकांक एके वेगळे संस्कृतायेची झलक दितात, हो गोंयचो इतिहासीक खजिनो.

अशें इतिहासीक आनी संस्कृतीक दायज आशिल्ल्या वाठारांत पुर्तुगेज सरकारान 1960 वर्सा पोरन्या गोंयांत व्हड कवी लुईस वाज द कामोयशची मूर्त उबारली.

3.6 मीटर उंचायेची ही कांशाची मूर्त रोखडीच ह्या वाठारांतलें एक मुखेल पर्यटन थळ जाली. मध्ययुगीन सैनिकाच्या भेसांतल्यान मळबा कडेन वयर पळयत आनी 'उश लुसियादश'हें महाकाव्य अभिमानान बरवपी कामोयशाची ती मूर्त.

1553 त कामोयश (1524/-1580) तारवांतल्यान मांडवीचे देगेर पावलो तेन्ना तो सादो सैनिक आशिल्लो. गोंयांतल्यान तेन्नाचे पोर्तुगेज वसणुकेंतल्या मकांवांत वचून ताणें आपलें 'उश लुसियादश' हें महाकाव्य पुराय केलें. हें 1572 वर्सा उजवाडाक आयलें. ताणें कामोयशाक व्हड कवीचो दर्जो मेळवन दिलो.

वास्को दा गामाच्या भारताच्या सोदाचेर आदारिल्लें हें महाकाव्य, पुर्तुगेज भाशेंतलें उंचेल्या दर्जाचें, अभिजात साहित्य अशें मानतात.

कामोयश हो पुर्तुगेज भाशेचो होमर, शेक्सपियर वा कालिदास अशें मानतात. पुर्तुगालाचो 'राश्ट्रीय कवी' म्हूण ताका मान्यताय मेळ्ळ्या. ताची 'उश लुसियादश ' हें महाकाव्य इंग्लीश, फ्रेंच आनी हेर जायत्या भाशांनी अणकारीत जालां.

पुर्तुगालाची राजधानी लिस्बन हांगा आशिल्ल्या ह्या म्हाकवीची समाधी पुर्तुगालाचें राश्ट्रीय स्मारक.

लुईस वाज द कामोयश हाची पुण्यतिथ, 10 जून हो पुर्तुगालांत पुर्तुगाल दीस म्हूण मनयतात.

कामोयश दोन फावटीं गोंयांत आयिल्लो. कांय संशोधक म्हणटात, ताणें गोंयांत आसतना 'उश लुसियादश' चो एक भाग रचला आसूं येता.

गोंय विद्यापिठाचे आदले प्रभारी कुलगुरू सर्गेस्त ओलिव्हिन्यू गोमीश हांणी 'उश लुसियादश' ह्या पुस्तकाचो कोंकणी भाशेंत अणकार केला. ताणीं ताका रामायणावरी 'लुसितायण ' हें नांव दिलां.

हो अणकार कोंकणी भाशेच्या देवनागरी आनी रोमन लिपींनी आसा.

पोरनें गोंय ही सोळाव्या शेंकड्याचे सुरवेक सावन 'पुर्तुगेज लंडिया ' हे पुर्तुगेज वसाहतीची राजधानी आशिल्ली. पुर्तुगेज राजवटींतच 'नवें गोंय' वा पणजी गोंयची नवी राजधानी जाली. ते उपरांत पणजेसावन 10 किमी.अंतराचेर आशिल्लें पोरनें गोंय हो फुडें दुर्लक्षीत गांव जालो.

म्हाका याद आसा 1970 च्या दसकांत हांगा च्या घेवपाक जाय तितली हॉटेलां नाशिल्लीं. 3 डिसेंबराच्या क बॉम जेजूच्या बॅसिलिका हांगा 'गोंयचो सायब' जाल्ल्या सांत फ्रांसिस शावियराच्या वर्सुकी फेस्तानिमतान णव दिसांच्या नोव्हेना वेळार हांगा जायते स्टॉल स्थापन केल्ले.

सतराव्या शेंकड्यांत बांदिल्लें सी कॅथेड्रल आनी बॉम जेजू बॅसिलिका ह्यो दोन बांदावळी पळयले

बगर पोरन्या गोंयची भेट पुराय जावंक शकना. कारण बॉम जेजू बॅसिलिकांत हांगा सोळाव्या शेंकड्यांतल्या सांत फ्रांसिस शावियराचे अवशेश आसात.

इगर्जेंत भितर सरतना वेदीचे उजवे वटेन उंच उंच पारदर्शक पेटयेंतले अवशेश पळोवंक मेळटात. दर धा वर्सांनी एक फावट ह्या संताचे कुडीचे अवशेश प्रदर्शीत करतात वा उक्ते करतात.

किरिस्तांव धर्मांत कपेल, इगर्जी, कॅथेड्रल आनी बॅसिलिका ह्यो धर्मीक म्हत्वाच्या चडपी क्रमांकान धर्मीक उपासनेच्यो इमारती आसात. देखीक– इटलींतल्या व्हॅटिकन शारांतलो नामनेचो सेंट पीटर चौक, जंय पोप आपले प्रवचन दिता, ती सेंट पीटर बॅसिलिका.

भारतांतल्या कॅथलिक समाजाखातीर म्हत्वाचीं तीर्थस्थानां म्हळ्यार तमिळनाडूंतलें वेलांकानी माता देवूळ आनी मुंबयच्या बांद्रा हांगाचें मावंट मेरी बॅसिलिका तशेंच पोरन्या गोंयांतलें बॉम जेजू बॅसिलिका.

ह्या प्रदर्शना वेळार देशांतले आनी संवसारांतले लाखांनी भक्त गोंयांत येतात. गोंय राज्या खातीर हें दसकी प्रदर्शन धर्मीक पर्यटन उद्देगाचो एक व्हड उत्सव.

गोंयांत पर्यटन खात्यावरवीं ह्या संताच्या अवशेशांचें प्रदर्शन नोव्हेंबरांत सुरू जालें आनी जानेवारी मेरेन चालू आसलें.

1960 वर्सा कामोयश पुतळो उबारलो तेन्ना सी कॅथेड्रला मुखार आशिल्ली सुवात सद्या इतली आकर्शक नाशिल्ली. फकत एका वर्सा उपरांत प्रधानमंत्री पंडित नेहरून भारतीय लोकमताक मान दिवन आनी आंतरराश्ट्रीय परिणामांची पर्वा करिनासतना गोंयाक पोर्तुगेज सत्तेंतल्यान मुक्त करपाखातीर लश्करी कारवाय सुरू केली.

भारतीय सैन्यान 18 आनी 19 डिसेंबर 1961 दिसा गोंय, दमण आनी दीव ह्या वाठाराक 450 वर्सांच्या गुलामगिरींतल्यान मुक्त करपाखातीर कारवाय केली.

गोंयचे मुक्ती उपरांत हो ल्हानसो प्रदेश भारतांतलें एक मुखेल पर्यटन थळ जालें. पोरणें गोंय गोमंतकांतलें एक मुखेल पर्यटन थळ जालें.

पर्यटनाक चालना दिवपाखातीर सी कॅथेड्रल आनी बॉम जेजू बॅसिलिका परिसराची उदरगत आनी सोबीतकाय केल्ली. देखून सी कॅथेड्रलाच्या भव्य आंगणांत आनी चौकांत कामोयशाचो पुतळो सोबून दिसूंक लागलो.

गोंयांत हेर खंयच मनशाच्या पुतळ्याक इतली मेकळी, केंद्रीय आनी देखून अशी मानाची सुवात मेळूंक नाशिल्ली. ही केंद्रीय स्थिती खऱ्या अर्थान मत्सर करपा सारकी आशिल्ली.

पूण ही सुवात आनी हो भोवमान महाकाव्य रचपी ह्या कवीच्या पुतळ्याच्या नशीबांत चड काळ उरपाचो नाशिल्लो.

गोंयची मुक्ती जातकच भौशीक सुवातींनी पोर्तुगेज व्हायसरॉय, गव्हर्नर आदींचे जायते पुतळे काडून उडयले, ते पुर्तुगेज गुलामगिरीचे अवशेश आशिल्ले. मात हो पुतळो वाटावलो.

वास्को दा गामा, आल्फोन्सो द आल्बुकेर्क आदींचे भौशीक पुतळे भारतीय पुरातत्व सर्वेक्षण संग्रहालयांत धाडले. केमोयसाचो पुतळो मात त्या वेळार जाल्ल्या कृतींतल्यान तिगून उरलो.

पोरन्या गोंयच्या एका तोंकाक, पूण कामोयशाच्या पुतळ्यासावन 300-400 मीटर अंतराचेर मांडवी न्हंयचे देगेर एक ल्हानसो 'व्हायसरॉय आर्क' अजूनय बरे स्थितींत आसा.

गोंयचें दर्या प्रवेशद्वार आशिल्ले कमानीक एका अर्थान 'पोर्तुगेज भारताचें प्रवेशद्वार' म्हणूं येता.

मांडवीचे देगेर नांगरून दवरिल्ल्या तारवांतल्यान लिस्बनासावन आयिल्ले वास्को दा गामा आनी आल्फोन्सो द आल्बुकेर्क सारके व्हायसरॉय, गव्हर्नर जनरल ह्या 'व्हायसरॉय आर्क'तल्यान, दर्याच्या प्रवेशदारांतल्यान लश्करी मिरवणूक घेवन गोंयांत भितर सरताले.

पोरन्या गोंयांत येतना हांव हांगा कुटुंब वा इश्टां सयत येतां आनी मागीर फेरीबोटीन दिवाडी जुंव्यार वता.

गोंयच्या ह्या दर्या प्रवेशदाराची खबर नाशिल्ल्यान चडशे पर्यटक ह्या एकांत सुवाती कडेन वचपाचें साहस लेगीत करिनात वा तांचे पर्यटक मार्गदर्शक तांकां हांगा हाडीनात.

ह्या इतिहासीक दर्या प्रवेशद्वारांतल्यान कामोयशान पयलेच खेपे १५५३ वर्सा गोंयांत प्रवेश केलो. माकावसावन गोंयांत परत येतकच तो १५६७ मेरेन गोंयांत रावलो.

ह्या 'व्हायसरॉय आर्क'चेर म्हळ्यार कमानीच्या सामक्या शेवटाक गोंयांत पावल घालपी पयलो युरोपी वास्को दा गामाची ल्हान पूण जिवीत आकाराची मूर्त आसा.

फाटीं जॅकलीन आनी अदिती वांगडा युरोपांत गेल्ले कडेन रोमांतल्या व्हॅटिकन सिटीक भेट दिली. व्हॅटिकनांतल्या त्या इतिहासीक भव्य सिस्टीन चॅपलांत उबो रावतना हांव थक्क जालों.

कलाकार मायकल आंजेलो हाणें कमानीचेर आनी वण्टींचेर रंगयल्ल्या चित्रांची सोबीतकाय पळोवपाक रसिकांक एक दीस वा कांय सप्तकां लेगीत पुरो जायनात.

हांगा पोरन्या गोंयांत येतना म्हजीय स्थिती कांय प्रमाणांत अशीच आशिल्ली.

सी कॅथेड्रल, बॉम जेजू बॅसिलिका, सांता मोनिका कॉन्व्हेंट, उध्वस्त जाल्लो सेंट ऑगस्टीन टॉवर, आतां ना जाल्ली सेंट पॉल युनिव्हर्सिटी, मांडवीचे देगेर आशिल्लें 'व्हायसरॉय आर्क' आनी हेर जायत्यो बांदावळी आनी शिल्पां हांचेविशीं म्हजे वांगडा आयिल्ले पर्यटक इश्ट हांकां कितें सांगप हो प्रस्न म्हाका पडटा.

गोंय मुक्त जाले उपरांत सुमार दोन दसकां उपरांत म्हळ्यार 1980 च्या सुमाराक गोंयांत कामोयशाच्या ह्या पुतळ्याक विरोध जावंक लागलो.

पुर्तुगेज वसाहतवादी सत्तेची तोखणाय गावपी ह्या भाटाचो पोरन्या गोंयांतल्या अशा सोयीच्या जाग्यार पुतळो दवरून भोवमान कित्याक करचो असो कांय जाण वाद घालपाक लागले.

गोंय मुक्ती चळवळींत वांटो घेवपी कांय स्वातंत्र्य झुजारी हातूंत मुखार आशिल्ले. राश्ट्रवाद आनी देशभक्तीचो आदर करून ह्या व्हड पोर्तुगेज कवीची मूर्त भव्य चौकांतल्यान काडपाची मागणी वाडपाक लागली.

रोखडोच कामोयशचो पुतळो मुख्यमंत्री प्रतापसिह राणे हांच्या फुडारपणाखाल चलपी गोंय सरकारा खातीर एक दुखपी घाय जालो.

कांय वर्सां आदीं पुण्यांतल्या लाल महालांत बाळक शिवाजी आनी जिजामाता हांचे वांगडा दादोजी कोंडेदेव हांच्या पुतळ्यान व्हडलें वादळ निर्माण केलें. हे घडणुके वेळार कामोयशाच्या पुतळ्याचेर जाल्ल्या वादाची याद म्हाका सैमीक रितीन जाली.

त्या लाल महाल वाठारांत कितलेशेच दीस कर्फ्यू लायल्या उपरांत मध्यान रातीं कोंडदेवाची मूर्त खर सुरक्षे खाला हालयली, तेन्नाच वादळ शांत जालें.

गोंयांत खंयच्याय संवेदनशील प्रस्नाक धर्मीक मोडण दिवप खूब सोंपें. हाचें कारण म्हळ्यार ह्या ल्हान राज्यांतलें हिंदू आनी क्रिस्तांव समाजाचें लोकसंख्येचें प्रमाण.

कामोयशाच्या पुतळ्याक तेंको दिवपी लोकांक राश्ट्रविरोधी वा पुर्तुगेज धार्जिणे पाचारप सोंपें.

कोंकणीचो म्हालगडो लेखक, स्वातंत्र्यसेनानी आनी गांधीवादी विचारवंत रविंद्र केळेकार हांणीय महाकवी कामोयशाची मूर्त हालवची न्हय अशें सांगिल्लें. रवींद्रबाब केळेकार हो कोंकणी भाशेंतलो पयलो 'ज्ञानपीठ पुरस्कार' मेळोवपी लेखक.

गोंय प्रशासनाच्या सुदैवान कामोयश पुतळ्यांचो वाद अचकीत, रोखडोच सोंपलो आनी संबंदीत सगळ्यांनीं सुशेगाद उस्वास घेतलो.

1983 वर्सा एक दीस सकाळीं ह्या कामोयशच्या पुतळ्याचो एक कुडको मोडिल्लो अशें दिसून आयलें. घडये हो स्फोट जिलेटीनाच्यो काडयो वापरून जाल्लो आसूं येता.

नवशिक्यांचें काम आसूंक जाय. पुराय पुतळो उडवपाचो तांचो हेतू नाशिल्लो वा फावो ती तयारी नाशिल्ली हें स्पश्ट दिसतालें. गळ्या सावन हड्ड्या मेरेन त्रिकोणाच्या आकारांत कापून उडयल्ल्या व्हडल्या पुतळ्याचो देखावो अजूनय म्हाका दिसता.

त्या दिसा पणजी आनी म्हापसा शारांनी माराण लायले. पूण ह्या स्फोटाक लागून गोंय सरकार खुशाल जालें हें निश्चीत. तें 'वखदाबगर खोंकली सोंपल्या' सारकें आशिल्लें.

त्याच दिसा गोंय भौशीक बांदकाम खात्यान क्रेनाच्या आदारान ह्या महाकवीची मूर्त भारतीय पुरातत्व सर्वेक्षण संग्रहालयांत व्हेली.

आतां तो वास्को दा गामा, आफोन्सो द आल्बुकेर्क ह्या हेर पोर्तुगेज सरदारांवांगडा चिऱ्यांच्या दाट वण्टींभितर बंद जाला.

इश्टां वांगडा गोंयांत येतां तेन्ना हांव सदांच पोरन्या गोंयाक भेट दितां.

कॅथेड्रलाच्या मुखेल चौकाकडेन येतना, तो उंच चौकोन आनी व्हड कवी लुईस वाज द कामोयशाची भव्य मूर्त नासतना तो सोबीत चौक म्हाका अजूनय रितो दिसता!

❑

काणीकणी – तारवटी

दादा हेगडे

जुजे कुलास शिकतल्या इस्कोलाच्या अंतीम निकालाची आनी वाट पळवंक रावलो ना. ताणे आपलें सातवी मेरेन शिकप पुराय केलें, आनी रोखडोच तो गोंय सावन बोमाय वचपाच्या तयारेक लागलो. त्या वगतार गोंय सावन कोणी मुंबय वतलो तर पासपोर्ट जाय आसतालो. तो हातात पडल्या बराबर वेळ काडी नासतना बॅग भरून तो मुंबय वचूक भायर सरलो. उज्या गाडयेतल्यांन देंवन व्हीटी स्टेशनार पावल घाल्या उपरांत तो सरळ चंदनवाडी, धोबीतलाव वचपाच्या वाटेक लागलो. काय खिणा भीतर तो 'गोंयकारांच्या कुडी' (Goan clubs) लागी पावलो. चार माळयेचे ते इमारतींत पयल्या आनी दुसऱ्या माळ्यांर 'केपेंकारांची कुड' आसा. आदल्या काळांत गोंयचे तरणाटे आपल्या कामा पासत, करीयर करूंक, तशेंच फुडलें शिकप करूंक मुंबय वताले. चड करून गोंयचे क्रिस्तांवधर्मी, जांका त्या वगतार मुंबय राबीत्याची आपली म्हण सुवात नाशिल्ली, तांका कुड हो एक बरो पर्याय आशिल्लो. गोंया केपें कुसमण रावपी मारयाण त्रावास मुंबय ताची वाट पळयत आशिल्लो. ताणे जुजेक चीट धाडून बोमाय आपोवन घेतील्लो. ताका काम मेळोवन दिवपाची खात्री दिल्ली. आपल्या खर्चान ताणे जुजे पासत लाकडी पेट लेगीत घेवन दवरील्ली. जुजेन आपले सगळे सामान पेटयेंत घालें आनी कुलूप लायलें. हीच हे फुडें राती न्हीदच्या वगतार बाज्ज म्हण वापरपाची हें तो जाणा आशिल्लो. कुडींत रावतल्याक लागू जातात तें नेम आनी कायदे मारयाणा कडसून ताणे समजावन घेतले. तो आनी मारयाण केपेंकारांच्या कुडी लागसार आशिल्या 'बस्तानी' इराणी हॉटेलांत चा वांगडा मस्का पांव खांवक गेले. हॉटेलाच्या पात्रांवान एक फावट मारयाणाक दादर पारसी कॉलनीत रावपी फारुद बामजी हांका घरांत बटलर म्हण काम करपी

मनीस उर्जेंत जाय म्हण सांगीलें. त्या वेळार मुंबयच्या पारसी घराब्यांनी बटलर काम करूंक चड करून गोंयच्या क्रीस्तांव लोकांक अदीक पसंती आशिल्ली. कारण पारश्यांच्या जेवणांत नुस्तें, कोंबडी, बकडो तशेंच गायच्या मांसाचो आसपाव जाता. जुजे ह्यो सगळ्यो गजाली रांदूक फिशाल आशिल्लोच ते भायर ताचो बापुय रेंदेर आशिल्ल्यान ताका ल्हानपणा सावन सोऱ्यां विशींचें बरें गिन्यान आशिल्लें.

जुजेन काय वर्सां भितर सगळ्या बामजी फामीलीच्या वांगड्याचे मन जिखुन घेतलें. तो वर्सातल्यान दोन फावट चूकनास्तना गोंया येतालो. माया म्हयन्यांत येवपी केपें ईगोर्जे फेस्त आनी डिसेंबर म्हयन्यांतली नातलां परब ताणें केन्नाच चूकयली ना. तो मुंबय बोटलेराचें (बटलर उतराचें लुडबें रूप) काम करता म्हण सगळे ताका बोटलेर जुजे नावांन वळखूं लागिल्ले.

रोंखडेंच ताणे बोंबरू मड्डीवेल्या आगुस्तीन आंताव हाची चली ज्युलेमा लागी काजार केलें. काजरा उपरांत ज्युलेम कुसमणा, कोंडी रावंक आयलें. मुंबय वचून फारुद बामजीचे वळखीन ताणें आपलो आनी आपले घरकान्नीचो इंडियन पासपोर्ट केलो. हेर गोंयकारा भशेन ताका तारवार काम करपाची भोव ईत्सा आशिल्ली. त्या वेळार तारवार सावन वियाज (voyage) मारून गोंया घरा परतुपी सगळे तारवटी पयली आपआपल्या कुडांनी येताले आनी उपरांत गोंया आपल्या गांवानी वताले. तांच्या आंगा वेल्यो भायल्या देसांतल्यो कोराद शिमलेटी, ताणी आंगभर मारील्ल्या पात्रा वो इंटीमेट चेराचो वास, फॉरेन सिगारी जुजेक सदाच आकर्शीत करताल्यो. काजार जातना ताणे ज्युलेमाक आपुण रोकडोच बोटीर तारवटी म्हण कामाक लागतलों अशें उतर लेगीत दिवन जाल्लें. मुंबय एका इंग्लेज दिसाळ्यांत ग्रेट इस्टर्न शिप कंपनीत बोटीर काम करूंक लोक जाय अशी जायरात आयिल्ली. फारुद बामजीन ती वाचल्या उपरांत जुजेक काजराची भेटवण म्हण त्या कंपनीत मुलाखत दिवंक धाडलो. निवड समितींतले कांय लोक बामजीच्या वळखीचे आशिल्ले. ते भायर जुजेक ताच्या बटलर कामाचो अणभव फायद्याक पडलो. ताणी ताका वेंचून काडलो. बोटलेर जुजे तारवटी जुजे जालो. दुसरी वियाज मारुंक परत बोटीर गेल्ले कडेन ज्युलेमान धाडील्ली चीट वाचून तो खोशी जालो. तिणे ताका गुरवारचाराची गोड गजाल कळीत केल्ली. ती रात ताणे आनी ताच्या वांगड्यानी बोटी कॅप्टना सांगातान मजेंत घालयली. जायते फावट बोटीर काम करतल्यांक वर्स मायज बोटीर उरचे पडटा. चीटयेक जाप दितना ताणे चलो जायत तर नाव साविियो आनी चली जायत तर सबिना नाव दवर अशी ज्युलेमाक सुचवणी केली.

साविियो पाच वर्साचो आसतना ग्रेट इस्टर्न शिप कंपनीक पंचवीस वर्सा पुराय जाल्लीं. त्या निमतान कंपनी आपल्या खर्चान बोटीर काम करतल्यांक तांचे फामिली सयत एक महिन्याची भोंवडी करून हाडटली अशें ताणी आपल्या सगळ्या कर्मचाऱ्यांक कळीत केलें. साविियो पिरायेन ल्हान जाल्ल्यान ताका बोटीवेली भोंवडी सोंसची ना म्हण जुजे आणि ज्युलेमान ताका फाटीं आज्जे वांगडा सांडपाचो निश्चेव करून दोगांय भोंवडेर गेलीं. डिसेंबर म्हयन्याच्या मध्यार ती भोवंडी सोंपतली अशें थारिल्लें. नाताल मनोवक सगळे घरा पावपाचीं आशिल्लीं. मात तशें जालेंना. तीं दोगांय परत घरा परतलींना. आयलो फकत कंपनीन धाडील्लो तेलेग्राम. तेंवूय भोवंडेर गेल्ली बोट मोडांत सांपडुन सगळ्या लोंका सयत दर्यातळा गेली हें कळीत करूंक. बोटीवेल्या कोणाचीच कुड लेगीत हाताक लागली ना. गांवभर आनी वाडोभर हि गजाल कळना फुडें जुजे घरा सामकार लोकांनी गर्दी केली. आपली मामाय कित्याक हड्डे फोडून रडटा आनी लोंक आपणाक अशे कित्याक वेंगायतात तें कळपाची साविियोची पिराय नाशिल्ली. तो ते मुकाट्यान पळय रावलो.

फाटली कितलींच वर्सां प्रत्येक पंचवीस डिसेंबरा राती जेजू जल्माचें मिस आयकून साविियो कोणाक जाप करीनासतना लागसार आशिल्लेप्रायेर वता. फांतोड जाय मेरेन एकटोच वरांचीं वरां दर्याच्या उदकांत पांय घालून उबो आसता. त्या अजस्र, अफाट दर्यांत आपली नदर पावता थंय मेरेन पळयत चिंतता. आपुण नेणार आस्तना भोवंडेक वतना, मांय पायन दिल्लें उतर घडये आतां ती खरें करीत काय म्हण तिश्टत रावता.

❑



। वर्णमुद्रा पब्लिशर्स ।

(वर्णमुद्राची अलीकडची प्रकाशित २५ पुस्तके)

६५) केवळ काही वाक्यं, उदयन वाजपेयी, अनुवाद : प्रफुल्ल शिलेदार, ३०४/-, कविता
६६) तरंगत तरंगत जाऊ घरंगळत, हेमंत गोविंद जोगळेकर, २२४/- कविता
६७) अश्वत्थयुग्मांचे श्लोक, संतोष विठ्ठल घसिंग, ५७५/-, कविता
६८) दुराव्याची धूळ व्यापून, बाळकृष्ण सोनवणे, २५०/- कविता
६९) अपरंपारावरच्या कविता, रवींद्र लाखे, ३०४/-, कविता
७०) तत्त्वभान, श्रीनिवास हेमाडे, ६८०/-, निबंध
७१) गनिमी काव्याचे नमुने, विश्वास कणेकर, ३००/-, कविता
७२) पेसोआच्या कविता, महेश्वर लव्हेकर, ४२४/-, कविता
७३) वुहानचा वाफारा, विजय तांबे, ४२४/-, कथासंग्रह
७४) सृजनस्रोत, शिरीष चिंधडे, ४२४/-, ओळखपर लेख
७५) सगळेच पर्याय संपले आहेत, उषा हिंगोणेकर, ३७५/-, कविता
७६) काळोखाचा राजपुत्र, सुप्रिया आवारे, ३००/-, समीक्षा
७७) सायलेंट आणि इतर कविता, सागर अचलकर, १५०/-, कविता
७८) असीम प्रदेश, मुग्धा देशपांडे, १५०/-, कविता
७९) खट्टरकाकांचे विनोद-आख्यान, हरिमोहन झा, अनुवाद : वसंत पाटील, ४२४/-, लेख
८०) गळ्यावरचा निळा डाग, सुनंदा भोसेकर, २५०/- कविता
८१) आधार, पंकज कुरुलकर, ६५०/-, कथा
८२) समाधानांचे निराकरण, प्रकाश हरी कार्लेकर, ६५०/-, कविता
८३) तृषार्त, गणेश चौधरी, ५००/-, कविता
८४) वसंत आबाजी डहाके : समग्र आकलन, संपादन - मंगेश नारायणराव काळे, १०००/-, लेख/टिपणे
८५) संकीर्तन, संतोष मायामोहन, अनुवाद - श्याम माधव धोंड, २५०/-, अनुवादित कविता
८६) काचेचं मन, गणेश चौधरी, ५००/-, पत्रे

मुख्य वितरक : वर्णमुद्रा पब्लिशर्स व डिस्ट्रिब्युटर्स शेगाव, जिल्हा बुलढाणा मो. : ९९२३७२४५५०
उपवितरक : १) पुस्तकवाला ॲण्ड कंपनी, पुणे मो. : ८६२४९७७०२९
२) मैत्री पब्लिकेशन, पुणे मो. : ९६५७२४०८२४
३) वाल्डन बुक स्टोअर, पुणे मो. : ९७६६९७५१६५
४) बुककट्टा अमरावती, मो. : ८३७८८९५९१६
मुख्य कार्यालय : वर्णमुद्रा पब्लिशर्स, पृथक, रामकृष्णनगर, शेगाव, जिल्हा बुलडाणा ४४४ २०३
E mail : varnamudra.editors@gmail.com Website : www.varnamudra.com Mo. : 9923724550

संजना पब्लिकेशन्सचीं नवीं प्रकाशनां



मोल : ₹ 250/-

मोल : ₹ 600/-



मोल : ₹ 300/-



मोल : ₹ 250/-



मोल : ₹ 300/-



मोल : ₹ 350/-

आमचीं पुस्तकां

• **संजना पब्लिकेशन्स,** 39, दत्तवाडी, सांगें, गोंय. 403 704

sanjanapublications2@gmail.com मोबायल : 9552551425

• **गोवा कोंकणी अकादेमी**

आनी • **Amazon.in** चेर मेळटात

वर्णमुद्रा ल नेमाळ्याचो हो ऑक्टोबर–नोव्हेंबर– डिसेंबर 2024 चो अंक मालक, मुद्रक आनी प्रकाशक मनोज सुरेंद्र पाठक हाणीं वर्णमुद्राचे वेबसायटीचेर उजवाडायला आनी अंकाची मुद्रित प्रत रामकृष्ण सोसायटी, एस बी आय कॉलनी, दत्त मंदिरालागीं, शेगाव, जिल्ल्ो बुलढाणा (महाराष्ट्र) हांगासावन खासगी वितरणाखातीर उजवाडाक हाडल्या.

ल्मेल : varnamudra.editors@gmail.com **वेबसायट :** http://www.varnamudra.com/

मुख्य वितरक

वर्णमुद्रा पब्लिशर्स व डिस्ट्रिब्युटर्स, शेगाव, मोबायल नंबर : 9923724550

वर्णमुद्रा ल नेमाळ्याच्या मुद्रित प्रतींचें आनी पुस्तकांचें गोयांत वितरण जाता.

संपर्क : दिनेश मणेरकार, मोबायल नंबर : 9552551425